


खोद
गजानन जोग



गजानन जोग

जल्म : ९/१०/५२, सांकोर्डे गोंय.

शिकप : बी. ए. (ऑनर्स), एल् एल्. बी. परीक्षेंत गोंयांत पयले.

नोकरी : कॅनरा बँकेत

लेखन : १९६८ सावन कथा, कविता लेखनाक सुरवात, थळावीं नेमाळीं आनी आकाशवाणी पणजी, मुंबय मंगळूर केंद्रावयल्यान साहित्य वितरावप जालां. दोन कथांचेर आधारून कोंकणी आनी कन्नड भाशेंत टेलिप्ले जाल्यात, कांय कथांचे मराठी, कन्नड, इंग्लिशींत अणकार जाल्यात. तांच्या 'रूद्र' ह्या पुस्तकाक राज्यपुरस्कार फाव जाला आनी ताचो गोंय विद्यापीठांत एम्.ए.च्या अभ्यासाखातीर आस्पाव जाला.

❒ ❒ ❒

श्री. गोकुळदास प्रभु हांका
मायेमोगान.

— [illegible]

६.१२.८७

सोद

गजानन जोग



स्नेह प्रकाशन

सोद (कथा संग्रह) - गजानन जोग

SOAD (A Collection of Short Stories) - Gajanan Jog

❐ **पयली उजवाडावणी**

डिसेंबर, १९९५

❐ **उजवाडावपी :**

य. ग. पटवर्धन

स्नेह प्रकाशन, ताळगांव-गोंय. फोन : २२१०२२.

❐ **छापपी :**

श्रीकांत आमोणकार,

सम्राट प्रिंटर्स, बाणस्तारी, गोंय. फोन : २८७७५५, ३९५२२०.

❐ **मुखचित्र :**

श्री. दिगंबर सिंगबाळ

मोल : ९० रूपया.

सर्गेस्त आई - आपा
आनी
मुक्ताक
श्राध्द रूपान.



दोन उतरां

मोगाळ वाचप्यांनो,

म्हजें हें तिसरें पुस्तक तुमच्या हातांत दितना म्हाका इल्ली खोस जाता, इल्ली भिरांत दिसता. खोस कित्याक जाता हें सांगपाची गरज ना. पूण भिरांत कित्याक हें सांगपाक जाय.

१९८३ त उजवाडाक आयिल्ली 'गोपी'[१] नावाची बाल नवलिका हें म्हजें पयलें पुस्तक. पटी म्हण्टात ते तरेचें तें धाकटुलें पुस्तक. ताची कोणें व्हडलीशी दखल घेवंक ना.

१९८६ त 'रूद्र'[२] हें म्हजें दुसरें पुस्तक आनी पयलो कथासंग्रह उजवाडाक आयलो. ह्या म्हज्या पयल्या कथासंग्रहाची बरी तोखणाय जाली. टीकाकारांनी ताची दखल घेतली आनी कांय जेश्ट साहित्यिक/म्हालगड्यांनी म्हजे फाटीर हात मारून म्हजी तोखणाय केली.

पयल्या संग्रहाची बरी अर्थ अपुरबाय जाल्या उपरांत हो दुसरो संग्रह येता.

इल्ली भिरांत दिसता अशें हांवें सुरवातीक म्हळें तें अशाखातीर : आतां एक कथाकार म्हणून म्हजेकडल्यान तुमच्यो अपेक्षा वाडल्या आसतल्यो. त्यो कश्यो कितें हांव पुराय करूंक शकतां? अर्थांत तें तुमी थारायतलेच.

ह्या काळांत पुस्तकां विकतीं घेवप म्हळ्यार सर्वसादारण मनशाक म्हयन्याच्या बजेटांतल्यो दुसऱ्यो म्हत्वाच्यो गजाली कुशीक दवरच्यो पडटात. तरी लेगीत पुस्तकांक पर्याय ना, ह्या नव्या तंत्रज्ञानाच्या आनी इलेक्ट्रॉनिक माध्यमांच्या काळांत लेगीत. हो संग्रह तुमच्या हातांत दितना फाटल्या २५ वर्सांच्या साहित्यिक जीणेंत जाणीं म्हाका आधार दिलो अशा कितल्याशाच लोकांचीं नांवां म्हाका याद जातात.

सुर्वेच्या काळांत म्हाका जाणीं म्हज्यांतल्या साहित्यिक गुणांची जाणविकाय करून दिवन म्हजी तोखणाय केली तातूंत पयलें नाव येता नामनेचे कवी शंकर रामाणी हांचें. त्याभायर स. लक्ष्मणराव सरदेसाय, स. र. वि. पंडित तशेंच भौमानेस्त श्री. पांडुरंग

१. राजहंस वितरण, पणजी. २. अपूरबाय प्रकाशन, बळवय.

भांगी, रवीन्द्र केळेकार, दो. मनोहरराय सरदेसाय, नागेश करमली, डॉ. तानाजी हळर्णकार, माधव बोरकार, रमेश वेळुस्कार, दामोदर मावजो, प्रा. एस. एस. नाडकर्णी, प्रा. रवींद्र घवी, प्रा. प्रकाश थळी, शंकर परूळकार.... ह्याय सगळ्यांनी म्हाका सदांच उमेद दिली. आनीक जायतीं नांवां उल्ल्यांत हें म्हाका खबर आसा. पूण सगळीं नांवां दिवप कठीण.

ह्या पुस्तकाखातीर जांचो खंयच्या ना खंयच्या रूपान हांवे पालव घेतलो त्या सगळ्यांची नावां हांगा दिवपूय म्हाका शक्य ना. ह्या पुस्तकाखातीर सुंदर अशें चित्र काडपी चित्रकार बाब दिगंबर सिंगबाळ हांचो पालव ह्या पुस्तकाक विंगड विंगड रूपांनी लाभला. रमेश वेळुस्कार, मुकेश थळी, माधव बोरकार, आनंद साधले, श्री. आनी सौ. हेर्लेकर, श्री. नरेंद्र आनी सौ. दीपा नाईक, सौ. विजयालक्ष्मी म्हांबरे.... ह्या सगल्यांच्या पालवान हें पुस्तक तयार जालां.

सम्राट प्रिंटर्सचे धनी श्री. श्रीकांत आमोणकार, तांचे सगले सहकारी, चड करून श्री. दिनेश तेंडुलकार हांचेय म्हजेर व्हड उपकार आसात. तेभायर घरच्या मनशांचो पालव आसाच.

लेखकाचें वाचप्यांकडेन सदांच एक मागणें आसता तें हांवूय तुमचेकडेन मागतां. म्हजें बरप तुमकां आवडूं वो नावडूं तुमी मुजरत म्हाका तुमचें मत बरोवन कळोवचें. जो मेरेन तुमचें म्हणणें म्हाका कळना आनी तुमच्या मताविशीं म्हजें म्हणणें, तुमचे मेरेन पावना तो मेरेन बरोवपाची प्रक्रिया पुराय जायना.

बरें मागून,

तुमचो

गजानन जोग

ताळगांव, पणजी, गोंय


डिसेंबर १९९५

अनुक्रमणिका



१

आयुश्याचे आमोरेर



नंदाली ती चीट पावली आनी यशवाबाक दिसलें - जालें.... आतां खऱ्या अर्थान निमाण्या अध्यायाक सुरवात जाली.

ती चीट तांणी आतां वागेंत वसून परती वाचली. दोन फावट - तीन फावट. विष्णून हाडून दिल्ले त्या दिसाचे पेपर फुडयांत आसले. पेपर दोळ्यांमुखार धल्लेवरावर आयज परती एक फावट विचारांची माळ तांच्या मुखार ट्रेन कशी घुंवपाक लागली.

आपल्याकूच कित्याक हें भोगचें पडचें? त्या वर्सा विक्रम गेलो ना? तो भायर वता अशें आयकल्लें. पूण दिसलें, विक्रम बायल भुरगेकार मनीस. दोतोरकेची प्रॅक्टीस बेसबरी चल्ल्या ती सोडून खंय वतलो तो? बायल भुरग्यांक सोडून भायल्या देशांत कितले दीस रावूंक शकनलो तो? एकदां मनीस संसाराच्या म्होवाळ विळख्यांत शिरकलो की मागीर ताका आनी सुटका आसा?

पूण जालें भलतेंच. एकदीस खऱ्यानीच बायल भुरग्यांसयत विक्रम कॅनडाक वचपाक उठलो आनी तेदीस यशवाव भितल्ल्यान हालून गेले. घरकान्न भायर पडून कितलींशींच वर्सां जाल्लीं. विक्रम आनी आनंद दोन पुतांच्या तोंडाकडेन पळोवन तांणी आयुश्याचीं उमेदीचीं वर्सां सारलीं. मागीर विक्रमाचो संसार जालो. ताची चतुर बायल आनी ताचीं गुणेस्त भुरगीं... तंद्री लागून ते खंयतरी पळयत बशिल्ले आसतना ल्हवूच येवन पांयांक खातकुतल्यो करून असो भेकणायतालो... मस्तो खंयचो! मागीर ताका मस्तो हेंच नांव दिवन उडयलें...

तीं सगळींजाणा कॅनडाक वचपाक गेलीं. त्या दिसा यशबाबाल्या गळ्याक मिठी मारमारून मस्तो रडलो. उर्वशी रडटालें पूण तें काचाबूल जावन गेल्लें. ताका समजनासलें

सगळीं जाणां किल्याक अशीं वागतात. आपलीं आवय लेगीत सूंक सूंक करून किल्याक रडटा... सगळीं रडटात तें पळोवन उर्वशीय रडटालें. त्या अजाण भुरग्याचो त्या दिसा जाल्लो तो घुम्मटमार पळोवन यशवाव तीं गेल्याउपरांत खूब वेळ रडटाले. नव्या देशांत, नव्या घरांत त्या मूठभर भुरग्याच्या मनात कसले कसले प्रश्न निर्माण जाले काय?

उमेद आनी उर्बेन वावुरपी घरांतलीं चार मनशां उठून गेलीं आनी म्हातारपणात म्हाताऱ्याचो म्हातारपणावगर कोणूच वांगडी जावंक शकना हें तांका खोलायेन जाणवलें. व्हडा उमेदीन जमयल्ली घरांतली एक एक वस्त तांणी तिडकीन आपल्याच हातान विकून उडयली. मनशां घरांत ना जाल्यार वस्तू कितें वोडार मागपाच्यो आसात? आनी येदें व्हडलें भंगसाळ घर तरी कितें करपाक? गोरवां वांदपाक? एक दीस तांणी आपल्या हातान एकेक कूड बंद केली आनी तांकां कुलयादां लावन उडयलीं.

विक्रमान तांकां खूप सांगून पळयल्लें. पूण ते भायर वचपाक तयार जालेनात. तांणी विक्रमाक स्पश्ट सांगिल्लें-

'म्हजी गजालूच तूं सोड. हांव आनां हो गांव सोडून खंयच वचपाचो ना. आतां म्हजो गोबोर ह्याच गांवांत जातलो'.

'काका, अशें उलोवं नाकात तुमी!' विक्रमान सांगिल्लें.

'आरे, उलोव नाका कशें? तुका ह्या घरावद्दल, भाटांवेसांवद्दल, ह्या देशावद्दल कांयच दिसना? म्हाका तर हो देश सोडून वचपाची कल्पना लेगीत सहन जायना.' तांणी तिडकीन सांगिल्लें.

'काका, तुमची गजाल वेगळी आनी आमची वेगळी. आमी जगाकडेन वेव्हारी नदरेन पळयतात. तुमचो त्याग, स्वातंत्र्यसैनिक म्हणून केल्लें काम म्हाका खबर आसा. तुमची ॲटॅचमेंट जी ह्या देशाकडेन आसा ती वेगळी- आमची नदर मात्शी वेगळी आनी तुमच्या सपनातलो तो भारत देशूय वेगळो. तुमी म्हण्टा तो देश खंय आसा आतां? आनां हांगा सगळे भ्रश्ट लोकांचें राज्य चल्लां. आचार किडके, विचार किडके...'

विक्रम खूब उलोवंक सोदतालो. पूण यशवावान ताका थांबयलो. तांच्यांनी तें आयकूं

नज जालें.

तीं सगळीं जाणा कॅनडाक पावलीं. मागीर यशवावान आपलें मन घट करून घेतलें. तें आकांत करूं शकनासले. आनी ताचो कांय लेगीत उपेग नासलो. वचपाचो तो मनीस वतलोच. आनी मोठ्टो आकांत तरी कित्याक? आपूण एकलो पडटलों देखून? म्हातारपणात आदार ना जातलो म्हणून? असल्या गजालींची केन्ना व्हडलीशी पर्वा तांणी करूंक नासली. नाजाल्यार ती भायर पडल्याउपरांत दुसरेपणाक तांकां कितल्याश्याच लोकांनी चल्यो सुचयिल्ल्यो. पूण ते परतें लग्न जाले नात. एकलेच रावले. मागीर सून आयली. चानयेभशेन चपळ हालचालींनी तिणें सगळें घर सोबोवन व्हेलें. घराक घरपण हाडलें. मागीर नातरां जालीं. पूण तीं मनशां आसलीं विक्रमालीं- आपल्या चल्याचीं. आपूण रावतालो तांचे मदीं, पूण तांचे विचार वेगळे, आपले विचार वेगळे. तांचीं ध्येयां, तांचे हावेस आपणाक केन्ना सारके समजलेच नात! आनी तसो खंयचो मनीस केन्ना कोणाक सारको समजता? जणएक मनीस एकलोच. वांगडच्या खांदाचो- हातींनल्या हाताचो तसो कांय भरवंसो नासता.

आनी ना म्हटलें तरी आनंद आसा तो? तो यशवावाच्या उतराभायर आयजमेरेन नासलो. यशवावाचेंच पडबिंब तें. तांचे तालमीत तो तयार जाल्लो. इतले ल्हान पिरायेर तो कस्टमांत गॅझेटेड ऑफिसर जावंक पाविल्लो. मुंबयक ताचें नाव गाजतालें. ताचेविशींच्यो खबरी आयकतनाीत यशवावालें हड्डें अभिमानान फुडें सरतालें.

पूण पयरचे चिटीतलीं कांय उतरां तांकां गैर गेल्लीं. आयजवेर तुमचे शिकवणेप्रमाण वागलों आनी आतां मात त्याच तत्त्वांक लागून त्रासांत पडलां अशें कितेंतरी आनंदान बरयिल्लें. आपणाक भायल्या देसांत वचपाची संद आयल्या आनी वेळ पडल्यार रोखडोच हांव वतलों अशेंय ताणें बरयिल्लें. अडचण कसली हाचीय ताणें फोड करूंक नासली. आपूण येतां आनी सगळें सांगतां अशें म्हटिल्लें.

यशवावाक खात्री आशिल्ली की आनंद तसो बदपाचो ना कोणाक. ताचो पांय केन्ना घसरपाचो ना...

बोटीच्या भोंग्यान तांचे विचार तुटले आनी लक्षांत आयलें की येदोवेळ बसून तांचे

अख्खें आंगूच मुयेलं आनी पानांतल्यान किरणांची तिरप तोंडार पडपाक लागल्या. कदेलीच्या आदारान उठून कांय वेळ ते थंयच उबे रावले. आंगार लाख लाख मुयो भोंविल्ले भशेन दिसतालें. भितर वचून वरां पळोवचीं असो विचार केलो. म्हण्टा म्हणसर इकरांचे टोंके पडले. वोट येता ती पळोवन तांकां याद जाली. भितर वचून तांणी ती चीट परती एक फावट वाचून पळयली. तो वोटीन आयलो जाल्यार अर्दवराभितर पावूंक शकतालो. तांकां उमेद आयली आनी भितर वचून तांणी आनंदाखातीर कितेंतरी बरें रांदपाक विष्णूक सांगलें.

न्हावन-धुवन येतकीच तांकां बरें दिसलें. मन मात्शें शांत जालें. ऑब्जेक्टिव्हली विचार करपाक म्हणून बसले आनी मन खंयच्या खंय भिरभिरत रावलें. हजारांनी लोक हो देश सोडून भायर वतात. हे कित्याक वतात? हांगा कामां कित्याक नात? हांगा तांच्या ज्ञानाचो वापर कित्याक जायना? ह्या लोकांची, तांच्या शिक्षणाची आनी तंत्रज्ञानाची देशाक गरज ना?....

आनंद आयलो अशें सांगून विष्णून तांकां उठयले. ताची वाट पळयता पळयतां वोल्तेरांतूच तांचो मात्सो दोळो लागिल्लो. भायर वचून तांणी आनंदाची खबर घेतली.

'वोटीन आयलो मरे? त्रास जावंक ना मरे? आनी ती टॅक्सी कित्याक थांबोवन दवरल्या? विष्णू, त्या टॅक्सीकाराक कितें तें फारीक कर पळोवया'

'राव विष्णू', आनंदान म्हटलें, 'हांवूच वता. ताका परतो तिनांक आपोवपाक जाय. वचपाचें आसा म्हाका!'

'आरे, आनंद येवचे पयलीं वचपाचेंशें उलयता तूं?'

'ना काका. म्हाका वचपाक जाय'. अशें म्हणून तो गडबडीन न्हावपाक गेलो. यशबाबाक दिसलें, विचारचें हाका, तुका इतले बेगीन वचपाचें आसलें जाल्यार तूं आयलोच कित्याक? तोंड दाखोवन शीण काडपाक?

जेवतना यशबाबान आनंदाक विचाल्लें.

'तुजी कसली भानगड जाल्या? तुज्या आंगार कांय येवंक ना मरे बाबा? तूं चुकचो ना हो विश्वास आसा म्हाका!'

'काका, हांवें कांयच करूंक ना. पूण तांणी म्हजेर बगलांट घातलें. म्हजें काम हांवें केलें. भायल्यान आयिल्लो अंमली म्हाल घेवन दोन ट्रक वताले. हांवें ते धल्ले. तातूंत तीन-साडेतीन कोटींचो म्हाल आसलो. सगळे ड्रग्ज आसले. ती एका भयंकर मोठ्या कुळाची कन्साइनमेंट आसली आनी वयल्यावयल्यांक तातूंत वांटो आसलो. तांणी आदींच आमच्या अधिकाऱ्यांचे हात ओले केल्ले. हांव पयशे खावचो ना अशें सांगलें. ताका लागून सगळे म्हजेर खवदळून आयले. तांणी कट केलो. थरोवन म्हाका ट्रॅप केलो. बनावट साक्षी दिल्यो. डिपार्टमेंटाच्या लोकांनी लेगीन म्हजेआड साक्षी दिल्यो, त्योय बनावट...'

'कितें? इतले उरफाट्या काळजाचे लोक?'

'हय काका. शिर्विस सोडपाचे अटीर तांणी म्हाका सोडलो. ना जाल्यार खडी फोडपाक पावतलो आसलो हांव जेलांत. काका, म्हजेसारक्या कॅरेक्टराच्या मनशाक तांणी करप्ट म्हणून चार्ज केलो. काका, खंय उल्लां मनीसपण आनी खंय आसा बरेपण?... आयज मुंबय म्हाका तोंड दाखोवपाक सुवात ना...'

घांस ताका उत्तरयां गेलो आनी जेवण सोडून तो उठलो. यशवाव उश्टो हात घेवन इतलो वेळ आयकताले, ते उठले. हात धुवपाचें लेगीन तांकां भान उल्लें ना. पायांतली सगळी शक्तच काडून व्हरची तशें तांकां जालें. पिशाभशेन ते एका जाग्यार कितलोसोच वेळ पळयत रावले. निमाणें विणून तांकां हात धुवपाक सांगलें.

'काका, तुमी मनाक लावन घेव नाकात. तुमच्या तत्वांक लागून हांव त्रासांत पडलों अशें कितेंतरी हांवें वरयल्लें तें एके भिरेंकभितर - अविचारान. तुमी नेखारीर माफ करात म्हाका. पूण तीं तत्वां मात हांव आता पाळचोंना.'

'अशें म्हण नाका आनंद. तुजो घात तत्वांनी न्हय, भोंवतणच्या सुवार्थी लोकांनी केला...'

'म्हजी अब्रू मातयेंत गेली काका!'

'आरे. आयज ना फाल्यां सत्य लोकांक दिसून येतलें!'

'पूण तो मेरेन वाट पळोवपाक म्हाका टायम ना! काका, हांवें हो देश सोडून

वचपाचें थारायलां- म्हाका भायर काम मेळ्ळां- आफ्रिकेक- येता त्या आयतारा हांव वनलों. सॅटल जाल्या उपरांत तुमकांय व्हरतलो...'

'किते? आफ्रिकेक? एकदम आफ्रिकेक? कित्याक? हांगा राव- घरांत बसून राव- कित्याक जगभर हेडटा? कोणाखातीर हें घर, ही इस्टेट? विक्रम गेलोच... आतां तू लेगीत...'

'काका, तुमी लेगीत येयात. कांय दिसांनी हांव तुमकां व्हरतलों.'

'तें शक्य ना. हांवें विक्रमाक सांगलां तेंच तुका सांगतां. म्हजीं हाडां ह्याच गांवच्या मळार पडटलीं...'

यशवावान नकली दोनूय हातांनी दामून धल्ली आनी वोल्तेरांत घालून घेतलें.

'हांव आता चल्लों काका. मुंबय फाल्यां वनलों. आता दोगांतिगांक मेळपाचें आसा. जमल्यार रातीं येतां. नाजाल्यार भायल्याभायर...'

तांच्या पांयांक हात लावपाखातीर तो वागवलो तेन्ना ताच्या दोळ्यांत दुकां जमा जालीं. कांय खीण ते वापूय-पूत एकमेकाक पळयत रावले.

'काका, म्हाका हांसून निरोप दियात!'

यशवावान हात उखल्लो आनी हांसपाचो यत्न केलो. हात वयर धरून आनंद वता तेवटेन ते भ्रमिश्टाभशेन पळयत उल्ले.

❑ ❑ ❑

२

शंबर रूपयांची गजाल

वागीच फटी कित्याक मारूं? हांव मनीस तसो चिकटूच. म्हज्या हातांतल्यान पैसो सुटना. पूण म्हजे घरकान्नीक हें फट दिसता. ती म्हण्टा- "तुमी? तुमी कर्णाचे अवतार! सेव्हिंग वी करपाच्यो तुमी खुप्प फटाशो मारशात... पूण हातउसणे पयशे मागपाक जेन्ना तुमचेकडेन कोणूय येता, तेन्ना तुमी सामके. म्हटल्यार सामके विरघळून वतात... पयशे काडून दिवपाखातीर तुमचे हात शिंवशिंवतात..."

ती म्हण्टा तें सगळें हांव सत मानीना. पूण तातूंत लेगीत इल्लें तथ्य आसा. जण एकल्याक कसलो ना कसलो छंद आसताच. कोणाक गरोवपाचो. (नुस्तें जांव हेर वस्तू) कोणाक गावपाचो, कोणाक वाजोवपाचो. कोणाक चकाटां पिटपाचो... पयशे उसणे दिवपाचो म्हाका छंद आसा हें खरेंच, पूण त्या छंदाखातीर कितले पयशे खर्च करपाचे हाचें बजेट हांवें थारोवन दवल्लां. म्हयन्याक सादारण पन्नास रूपयाच हांव तेखातीर मोडटां. एका मनशाक वीस रूपया उसणे दिवप, त्यापरस चड दिवप ना असो म्हजो कायदो. एकदां दिल्ल्या मनशाक परते दिवप ना असो कायदो आसा. बारीक सारीक कामां करपी सटरफटर मनशांकडेन म्हजें उलवणें चड; ताका लागून, उसणे पयशे घेवपी म्हजे क्लायंट हे, चड करून बर्शांचे किलींडर, सोर्नीकार, हॉटेलबॉय आनी अर्थातूच. ऑफिसांतले प्यून आसतात. आनी एक मनीस म्हळ्यार पोस्टमन. ताका हांव केन्नाच ना म्हणूंक शकना. मजत करतना तरनाट्यांक हांव सदांच प्रिफरन्स दितां.

हांव तरातरांचे भेस वी करून भोंवता. केन्ना इनशर्ट, केन्ना फुलाफुलांचो बुशकोट, केन्ना नेहरूशर्ट... पूण हे लोक म्हाका रोखडोच सोदून काडटात. ल्हवूच लागीं येतात आनी विडी पेटोवपाक फस्काची काडी मागची तितले सहजतायेन मागतात. "...एक वीस

रूपया... एक वीस रूपयांची गरज आसली". उसणे मागपी लोक विसूच रूपया कित्याक मागतात कोणाक खबर, पूण चडशे जण म्हजेकडेन वीस रूपयाच मागतात! एक फावट नानान - आमच्या प्यूनान- अशेंच वीस रूपया मागले... सर, एक वीस रूपया... हांवें ताका सवायवीस रूपया काडून दिले आनी लोक म्हजेकडेन विसूच रूपया मागतात ही गजाल ताका सांगली.

त्याच म्हयन्याच्या निमाण्या शेनवारा नाना आयलो. हांवें मागिल्ली फायल ताणें नमळायेन म्हज्या फुड्यांत दवरली. मात्सो पयस उबो रावलो, आनी कानाफाटल्यान हात व्हरून तांणे म्हटलें,

"सर ..... एक चाळीस रूपया..."

"कितें? चाळीस?"

"ना सर... तुमी म्हटल्लें न्हूं... लोक वीसूच मागतात म्हणोन.... म्हाका फाल्यां चाळीसांची गरज आसा... मेवणी येवपाची आसा..."

"मेवणी आनी कित्याक येता?"

"मेडिकलांत फोटो काडपाक"

"बरें बरें".. अशें म्हणून हांवें चाळीस रूपया आनी चार आणे काडून दिले...

"सर. तुमी वयले चार आणे कित्याक दिनात? फाटले फावटीं सवायवीस दिल्ले!"

"आनी ते फाटले फावटीं?"

"हय"

"आनी फाटले फाटले फावटीं?"

"हय. सवायवीसूच!"

"सगळें सवाय जावचें अशी म्हजी इत्सा आसा देखून हांव सवायकेन दितां... चल तूं आता..." अशें म्हणून हांव कामाक लागलों...

तर हांव सांगूक सोदतां ती गजाल एका वेटराची... हो नाना प्यून घुसलो मदींच.

एक दीस पणजेंतल्या हॉटेलांत हांवें एक मराठी उलोवपी वेटर पळयलो. वोगीच उत्सुकताय जागी जावन हांवें ताची चवकशी केली.

"खंयचो रे तूं?"

"पुण्याचा हो."

"पुण्याचा?"

"हो ना .... सदाशिव पेठी... ब्राम्हण आहे मी.... काय करणार... नशीब बेकार म्हणून गोव्यात अडकून पडलो..."

ताणें आपली काणी सांगली ती अशी : ताचें नांव राजेश मोरेश्वर आपटे. धावेची परीक्षा जाल्याउपरांत खंय तो गोंवा पळोवपाक सायकलीन हांगा आयलो. रातचो गार्डनांत न्हिदल्ले आसतना कोणेतरी ताची सायकल फारायली. वोल्सांत परत वचपाइतले पयशे नासले. ताका लागून हॉटेलार वेटराचें काम करता. पयशे कांय जमनात आनी तो घरा काय पावना! ताका खंय पुणेच्यान शंभर रूपया मनीऑर्डरीन येवपाचे आसले.

"साहेब, खरंच शंभर रूपये या चारआठ दिवसांत आई पाठवणार आहे... खोटं वाटतंय तर हे पत्र पहा ना..."

अशें म्हणत ताणें वोल्सांत हात घालो आनी हांवें आसू म्हणून सांगलें. असो कोणय मनीस, काकुळनायेन पुरावो दी दिवपाक लागतरीत म्हाका खूप वायट दिसता.. कितें आयज चल्लां! मनीस मनशार विश्वास दवरीना!... विश्वास दवरलेबगर विश्वास वाडटलो तरी कसो!...

"ठीक आहे! मला पटलं तुझं. मी काय मदत करूं तुला?"

"साहेब... तिकिटापुरते एक शंभर रूपये...."

ताच्या आवाजांतली साकर म्हजे जिवेर देंवली आनी रूच कार्डीन हांवें सिंगल च्या सोंपयली.

"साहेब... दोन महिन्यापासून मी गिऱ्हाईकापैकी कुणाला तरी सांगायचा प्रयत्न

करतोय... पण कुर्णाच ऐकायला तयार नाही... सगळे आपल्याच धुंदीत आसतात.."

सहज हांवें म्हजी नदर सरभोंवतणी माल्ली. खऱ्यांनीच जण एकलो आपापल्या धुंदीत आसलो... पिवपाच्या... खावपाच्या... मागीर हांव हांसलों... इतले शेंकड्यावार मनीस हांगा येतात... एकल्याक लेगीत ह्या गरीब तरनाट्याची वासपूस करपाक फावलें ना. जण एकल्यान ह्या निरागस भुरग्याचो दुवावूच घेतलो. हांवें ताका शंबराची करकरीत नोट काडून दिली आनी राज्य जिखिल्ले नदरेन हांवें ताचेकडेन पळयलें. तो असो हांसलो - कीं म्हजे अर्दे पयशे भल्ले! (फकत पन्नासूच उल्ले) हांव ताका - नाका म्हण्टा आसनना, त्या भुरग्यान ताची M. O. घेवपाक ऑथॉरिटी लेटर म्हाका दिलें- ताचें तें प्रामाणिकपण पळोवन म्हज्यांतलो कर्ण तुप्टलो. आनी हांवें ताका आनीक चार आणे - जे हांव दिवपाक विसरिल्लों - काडून दिले.

म्हज्या बजेटाभायर पयशे दिल्याचें म्हाका कांयच वायट दिसूंक ना. हो भुरगो नवो स्पेशल आसलो... पुण्याचो... शिकिल्लो... सायकलपट्टू... आमची सगळी भासाभास पात्रांव गल्ल्यार रावून पळयतालो. ताणें वेटराचेर धेंकणो घालो आनी हांवें थंयच्यान कूस मारली.

शंबर रूपयांची गजाल हिका सांगचो ना अशें थारायिल्लें. पूण तिका ती कळ्ळीच. तिणें सदचेभशेन फायरिंग केली. करवादली-सणसणली- सामको फोर काडलो. सगळें उलोवन उग्वास घेवपाक मार्शी वोगी रावली तेन्ना हांवें म्हज्या शांत आनी जैतिवंत आवाजांन म्हटलें-
"जालें तुजें सगळें? आतां हें पळय..."

"कितें?"

"हें पळय. मनीऑर्डर घेवपाक ताणें दिल्लें ऑथॉरिटी लेटर! पळय तें सारकें दोळे उक्ते करून... दोनचार दिसांनी म. ऑ. पावतली हांगा... ती घेवन येतां आनी फाटोफाट त्या भुरग्याचें पत्र येतलें... मागीर उलय तूं."

"पुरो पुरो! वाट पळयात त्या मनीऑर्डरीची आनी पत्राची!"

आनी तशेंच जालें, हिणें म्हटलें तशें... दोन फावटीं त्या हॉटलार वासपूस केली.

ना म्हणून कळ्ळें. तिगरे फावटीं पात्रांव तापलो.

"कसलीं M. O.? कोण धाडटलो? तो पुणेरी भामटो? तुमी वोगीच तुमचो आनी आमचो टायम पिड्ड्यार करूं नाकात!"

"तें आसूं... तो भुरगो पुण्याक वचपाक केन्ना गेलो?"

"आं? तो खंय गेलो कोणाक खबर. सोडून गेलो इतलें खरें. आनी वतना आमची एक कायल घेवन गेलो... तळपाची...."

हांव ल्हवूच थंयच्यान सटकलों.

चार दिसां उपरांत हिणें विचाल्लें,

"आयली मनीऑर्डर?"

"आं? खंयची गो... हां.. हां.. ती गो? येतली येतली. मर्दी दोन दीस पोष्टाक सुटी आसली न्हय..."

"चलात... पोष्टांत वचून चवकशी करून येयात. उटात आर्दी.... पयशे दिवपाच्या वेळार हात खुरखुरतात तुमचे. मागीर ते वसूल करपाचें जाल्यार संकश्ट येता तुमचेर!"

झक मारीत हांव उटलो आनी पोष्टांत गेलों. चवकशी केली. मनीऑर्डर आयल्यार ती म्हाका मेळची अशी वेवस्था केली. - पोष्टमनाक च्या-पाणी दिवन. ताणे सांगलें - "ही M.O. येवपाची गॅरंटी कमी! तुमी मी सांगतंय तशें करात- झकास पैकी तुमी ही गोष्ट इसरून चलात..."

पोष्टमनाची सांगणी हांवें मानली. ती गजाल हांव झकास पैकी विसरून गेलो. कांय फावटीं म्हाका विचारून मागीर हिणेंय ती गजाल सोडून दिली. आमचे मर्दी जेन्ना कस लावपी झगडीं जातात त्या वेळार वापरपाखातीर तिणें ही गजाल फायल करून दवरल्या, हें म्हाका बरें भशेन खबर आसा. पूण सध्या तरी कटकट ना न्हय! मागीरचें मागीर.

पूण शंबर रुपयांची गजाल इतल्यार सोंपूक ना. पयर आयतारा आमी दोगांय

बेळगांवसून ट्रेनीन येतालीं. कुळ्यां देंवल्यार बशीन बेगीन पावपाक जाता. कुळ्यां ट्रेन सोडली आनी बसस्टॉपार येत जाल्यार तो फुडयांत हजर. हॉटेलकाराच्या कायली सयत!.... हिका भजीं खुबूच आवडटात. भज्यांचो वास येता म्हणून वासाच्या मागार आमी फुडें सरलीं. थंय एका बारामुखार तो... हॉटेलकाराच्या शब्दांत 'पुणेरी भामटो' भजीं गाळटालो. म्हाका ताणें वळखलो. पूण कांयच गडबडीनासतना गोड म्होवाळ हांसलो. आमकां सोप्यार बसपाक खूण केली. दोन गिरायकां निभयलीं. आनी गरमागरम भज्यांची एक रास ताणें आमच्या दोगांच्या म्हऱ्यांत उबी केली. हिणें खुणेन विचाल्लें... होच तो? हांवें हय म्हटलें.. निडकीन तिणें भजें सकयल दवरलें. पूण हांवें म्हटलें बस... खा नीं भजीं... तुका आवडटात!

"साहेब, मला माफ कराल अशी खात्रीच आहे! मी खोटं बोललो. पण वाईट हेतू मनात नव्हता."

"आनी ती कायल? ती चोरपाचो तुजो कसलो हेतू?" हिणें विचारलें.

"हां.. ती होय.. मला त्यांनी पैसे द्यायचे होते. आठ दिवसांचे... देईनात म्हणून मग नाईलाजानं ही उचलून आणली..."

हांवें जैनिवंत नदरेन हिचेकडेन पळयलें. पूण हिचे नदरेंत इंगळ फुलिल्ले. हिणें तिडकीन म्हटलें,

"आदीं शंबर रुपया उडय... मागीर मार तुजीं वेडलीं!"

"बाईसाहेब, रागावू नका गरिबावर.. मी खाणार नाही तुमचे पैसे... पत्ता आहे माझ्याजवळ... पाठवून देतो.... नाहीतर आणून देतो मी स्वतः. जरा धंद्याचा जम बसू दे ना... पैसे कुठं जातात! साहेब.. तुम्ही नेमके आज भेटलात. आनंद झाला. आमचा गाववाला एक मुरारी म्हणून आहे. तो पण पणजीला चाललाय. याच बसमध्ये बसला आहे. त्याला जरा फक्त पणजीला उतरवा... मग बघेल तो कुठतरी कामधंद्याचं..."

"बरें आसा... हरकत ना" अशें म्हणून हांवें भितर बशींत बशिल्ल्या भुरग्याकडेन पळयलें. ताणें म्हाका सलाम केलो आनी तो आपले धवेफुल्ल दांत दाखयत म्होंवाळ हांसलो. हांव त्या भुरग्याचो अंदाज घेवपाक लागलो. इतले म्हणसर ही बशींत गेली. सुटकेस-

पोटली काडून हाडून तिणें भायर दवरली...

"किर्ते चल्लां तुजें? सामान सकयल कित्याक काडलें?"

"तुमी ही सुटकेस घेयात आनी म्हजे फाटल्यान येयात..."

"खंय?"

"स्टेशनार... आमी ट्रेनीन या...."

"ट्रेन गेल्या आसतली."

"तशें जाल्यार आमी दुसरे बशीर या."

"आनीक बस ना..."

"नासूं. नासल्यार हांगाच रावुंया... पूण हांव हे वशीर वचचेंना आनी तुमी त्या मुरग्याकडेन पळयत रावूं नाकात... चला उखला ती सुटकेस..."

हांव मनापासून हांसलो आनी भज्यांची रूच जिबेर घोळयत हिचेकडेन उलोवपाचो यत्न करपाक लागलो.


"खरेंच... भजीं रूचीक आसलीं न्हय? एकदम पुण्यातल्या भज्यांभशेन...."

"पूण तीं भजीं कितल्या रुपयांक पडलीं तुमकां खबर आसा?"



३

पंचेचाळीस हजार



नशाचे जिणेंत कांय घडणुको अशो घडटात, काचाबूल करून घुम्पावन सोडटात. वाट सोडून घडये मनीस आडवाटेक लागता, घडये वाट चुकता. खुबशा वर्सांनी मागीर आमी जेन्ना त्या घडणुकांचो विचार करतात तेन्ना म्हणटात, तशें घडच्या जाग्यार अशें घडलेलें जाल्यार? म्हजेंच पळयात. त्या दिसा हांव दुसरें भशेन वागिल्लों जाल्यार आयज खंयच्या पदार आसपाचो?

तोय एक दीस, सदांसारकोच उदेलो. सदच्या सारकोच हांव उठलों. न्हालों. धुलों. कामाक गेलों. बँकेंतलें सदचेंच काम कॅशराचें, म्हयन्याचें पयलें सुमान. गर्दी आसपाचीच. मिशिनाभशेन काम चल्लां. पयशे मेजप, डिनॉमिनेशन सारकें आसा काय तें पळोवप. 'टिक' करप. हजारांत उणे आसल्यार दोन फावटीं. हजारावयर आसल्यार तीन फावटीं मेजप. तीन फावटीं मेजतना एक फावट गांवटी नेणार मनीस मेजता ते पध्दतीन मेजप. ही म्हजी सवंय. गर्दी खूब. पयल्या दोन वरांभितर पन्नाशेक पेमेंट आनी तीस पर्सीस रिसीट, काम चालू, तकली वयर काडपाक थार ना. पूण तकलेंत विचार चालूच आसात. काम करतान ते हान... ही मंद सोडपाक जायना. ऑफर सदाकडल्यान आयल्या. दोळे धांपून हय म्हणपाचें. तो मनीस शेर्त, धंद्याक चोख. ताची पार्टनरशिप म्हटल्यार सोनें लागिल्लेभशेन. हें नवें व्हेंचर, पूण शुअर सक्सेस जातलें.. ग्लेझड टाइल्स सारखो एव्हर डिमांडेड प्रॉडक्ट - सदा सारको भांगरा मनीस... पूण... पूण इतले पयशे हाडपाचे खंयच्यान? सदान गजाल सांगली आनी त्याच दिसासावन पयशे जमोवपाक लागलों. सगळे लागीं केल्यार सादारण २०+५+७: हे जाले ३२. गोल्ड विकल्यार.... ना, हिचें विकप ना. म्हजेंच, +५=३७. बँकेची मेळटा तितलीं लोनां ह्या आदींच काडल्यांत. एलआयसी

दोन आसात. तांचेरूय लोन आसा. पूण धर आनीक २/४ हजार.... टोटल जाले अदमास चाळीस हजार. पूण आजून विशेक हजार... कशे जमोवपाचे? खंयच्यान, कांयच जमना... नट् करून याद पाप्पाचो. तो आसल्यार खंयच्यान तरी उबे करपाचो.

'वीस सरे पुरशा. करूया वेवस्था. केन्ना जाय लास्ट?' अशें म्हणून तो दोळे धांपून अदमास घेतलो आसलो. आतां वीस तारीक सांगल्यार अटरा तारकेक पयशे हजर... पूण त्यो गजाली आतां कित्याक? आतां वर्सातल्यान एकदीस घरा वयतां हांव जाल्यार अंता उलोवपाक तयार ना..... ' तो सर. शंवरांची मात्शी शॉर्टेज आसा म्हणून पन्नासांच्यो नोटी दिल्यात. " चिंता करून कितें फायदो? पयशे उबे जावपाचे नात. पळोवया... आसत तशिवांत जाल्यार देव कोणाच्या तरी रूपान पावत.... हें उलोवणें हिचेंभशेन जालें! आमची ही अशें उल्यना. देवार भोव पातयार तिचो. हालीं हालीं तिचें तें पिशें वाडलां.... उपास. व्रतां. आंगारें. दोर. आयज लेगीत करसलेंशें व्रत आसा. दादूभट आपल्या असिस्टंटा सयत सकाळींच हाजीर जाल्लो. कोणाक खबर करसलें एकेक पिशें मनशाक! 'हें एक करून पळोवपाचें मनांत आसा' 'तें एक उल्लें. करून पळोवया?' 'आनीक एक फायट शिर्डीक वचनशें दिसना'. अशें तिचें सदां चालूच. हांव म्हणटां लग्नाक जालीं धा वर्सां... जावपाचें आसलें जाल्यार इतले भितर जातलें आसलें नुस्तें... दोतोरान लेगीत सांगलां जावप कठीण म्हणून... कठीण म्हणजे.... नाच. तो सामकें ना म्हणून कशें सांगतलो हिका? "ओ थँक यू! तूं कसो आसा? मात्सो बिझी आसा. आयज सोमार न्हय रे!" अशी हिची सवंय. तिचो विश्वास आसा. खंयच्यातरी उल्याक देव पावतलो. उलें मार्गांत रावूंक जाय अशें ती म्हणटा! हांव म्हणटां ना जाल्यार ना! कितें तेंच घेवन वसपाचें? नासना एकेक सूख एकादयाच्या नशिबांत. आमचेकडेन जेवपा खावपाक आसा. घर-दार आसा, तें तरी कितल्या जाणाकडेन आसना? 'म्हाका फोन आसा?' 'जस्ट मिनिट हां' 'कोणाचो काय फोन?... घेतलो वचून. तो आसलो ट्रंककॉल. सदाचो. मुंबयच्यान. म्हणटालो! दोन दिसांभितर सांग कितें तें. म्हटल्यार व्यवस्था कर पयशांची!... जाग्यार येवन वसलो थंडपणान. कितें करूं? कितलेंय लांब केल्यार मोटवे हात पयस पावूंक शकनात!...

'ना, शंवरांची सद्या शॉर्टेज आसा! पन्नासांच्यो दीवं?'

म्हजें काम चालू आसा. आजून मात्शी गर्दी आसा. 'मात्सो वयर पळयता?' अशें म्हणून कोणतरी खीः खीः हांसलो. हो आनी कोण भितरल्यान कामाच्या वेळार? पळयलें. गरगरीत दोळे, गरगरीत आंग. ह्या कानापासून त्या कानामेरेन हांसो. आनीक मोटें तोंड पेचपाक जमनासलें ताका!

'कोण कृश्ण शेट? तुमी स्वतः आयज?'

'हय! आयज कोणूच ना. भुरगेय नात. म्हणून हांव येयलों. बंडल भितर घे. सवकाशेन मेज'.

'स्लीप बरोवन हाडल्या?'

'हय!'

'सारकी आसा?'

'हय आसा! सायून लेगीत मारल्या! कितें? तुमच्या फॉर्मालदादीक चुकपाक नाका. आतां हांव शिकलां सगलें'... खीः खीः...

ताचें बंडल काडून हांवे कुशीक दवरलें. मागीर सवकाशेन मेजप. पयलीं लोकांक वयार करूंया... दोन वरां केन्ना जालीं कायच कळ्ळें ना. आशिल्ले तांकां वयार करना म्हणसर पंदरावीस मिनटां चड गेलीं. जेवणाची सुटी जाली.



कॅश कॅबिनातच बसून टिफीन घेतलें. पांच मिनटां दोळे धांपून बसलो. परती कामाक सुरवात. तीन बंडलां आसलीं मेजपाचीं. भितल्ले स्टाफ पेमेंट थोडे. पेमेंट केले, आनी कृश्णशेटीचें बंडल मेजपाक घेतलें. सारकें दोळ्यांमुखार आसा सगलें. पांचवो दाट कागद. बंडलाक तांबडें सूत बांदलां. उकतें केलें. शंवराचीं चार पॅकटां गांवटी पध्दतीन केल्लीं. पन्नासाचें एक पॅकेट बॅंकेचें... अर्बन बॅंकेचें... आनी शंवरांच्यो मेकळ्यो नोटी. कृश्णशेटीची कॅश म्हणून हांव मात्सो चड भार घेवन ती मेजली.... मनीस न्हय, ताची सगली फर्मुच धांदली. ताचे भुरगेय धांदली. खोऱ्यांनी पयसो वोडटा हो कृश्णशेट. फर्म आसा, सातआट एजंसीज् आसात, बशी आसात, सिनेमाघर आसा एक .... धंद्याक रीत ना... आयज

पयशे सारकें पन्नास हजार आसले. एक नोट उणी ना, एक चडना. सू जावन हांवे कॅश कुशीन उडयली. ताचो स्लीप बुक उगडलो... आनी तिचेवयलो आंकडो पळोवन हळदुव्या कोराची ती स्लीप म्हज्या दोळ्यामुखार नाचपाक लागली.



... वेगळ्याच कोराच्या वनान भरिल्लो तो वाटार. काळ्या फातरांनी बांदिल्लें तें तळें. साळकांनी गच्च भरलां. हांव तळ्याच्या थंड उदकांत पातळ्ळां. फातरांनी उदकाचो डुबूक डुबूक आवाज. तेच ल्यींत साळकां धोलतात. तांच्या वांगडा हांवूय धोलतां. तळ्याच्या तळाक कोणतरी हजार हातांचो पातळ्ळा. तो आपलें साळकांचें हात म्हजे भोंवतणी हालयता.... हांव ल्हवल्हव त्या हळदुव्या कुडक्याकडेन वोडून वतां, तो अर्द हात लांबायेचो. चार आंगळां रुंदायेचो हळदुवो कुडको पे-इन-स्लीप कसो दिसता, उदकांत उफावता हेवटेन तेवटेन. तेच एक ल्यींत धोलता तो स्लीप म्हय... सारकें पळय... उदकार उफेंता. पूण ती वस्त मांगराची आसा. ह्या वेगळ्या वनांत कशी चकचकता पळय... म्हजे हात लांब लांब करतां आनी ते लांब जातात... पळय. हो पळय पावलो हात. मदलें बोट लागलें... हातें ता बोट घट्ट धरलो... सामको कवळून तिच्या उजवाडान दोळे दिपकावनाले. पूण हांव पळयत रावलों...



नकली जाग्यार येतगीर परतो एक फावट तो आंकडो वाचलो. पांचार तीन शुन्यां. कुशीक कागदा कुडक्यार हांवे चट् चट् चार फावटीं आंकडो बरोवन पळयलो. पांचार तीन शून्यां! हय... कृष्ण शेटीन आंकड्यांनी आनी उतरांनीय पांच हजारूच बरयलां... काऊंटर फायल परतो दोन फावट पळयली. हय ताणें पांच हजारूच अशें बरयलां.... स्लिपीचेर ताणें बरयल्लें डिनॉमिनेशन पळयलें पन्नासाच्यो शंबर नोटी. करेक्ट पांच हजार. कनफर्म जालें. म्हाका पंचेचाळीस हजार रुपया ताणें चड दिल्यात. शंबरांची साडेचार पॅकेटां. तीं ताणें हिसबाकूच धरूनात! पन्नास हजार दिल्यात आनी पांच हजार म्हणून बरयल्यात. स्लीपीवयली सायन हांवे पळयली. सायन सारखी आसली. ताची सायन हांव वळखतालों. परतो परतो स्लीप पळयली. ताणें हें पयशे पांच हजार म्हणून दिल्यात. ताच्या बरोवपात

चूक जाल्या. पंचेचाळीस हजार चड! म्हजें आंग जोर अयिल्लेभशेन गरम. कानसुलां भाजतात. तकलेंत आवाज. दोळ्यांमुखार तें साळकांचें तळें!

कूलरांतलें दोन ग्लास उदक पिलें.



तकली मात्शी जाग्यार आयली. कॅश टॅली केली. पंचेचाळीस हजार चड म्हणपाची गजाल आनीक एक फावट कनफर्म केली. मनाची अवस्था विचित्र, निर्णय घड्याळीच्या लंबकाप्रमाण हेवटेन तेवटेन, हेवटेन तेवटेन... पळोवया, वचपाचो वेळ जायमेरेन कोणूय येता जाल्यार कृश्ण शेटीकडल्यान.

फोनाची घांट चारपांच फावट वाजली. दरेक फावट म्हज्या काळजार मणाचें वजें. पूण कोणूच आयलो ना.



टायम जायत आयलो. हेड कॅशरान विचाल्लें, 'कॅश टॅलीड?'

'आं? कित्याक?'

"कित्याक म्हळ्यार? टायम जालो. जाल्या जाल्यार हांव एंत्राद घेतां. मात्शें वेगीन वचपाक जाय."

"दोनूच मिनटां!" हांवें ताका म्हजो चेहरो दाखयनासतना म्हटलें.

"ओके!" अशें म्हणून तो गेलो. हांवें कॅबिनाचें दार फाटीं हात घालून सांसपिलें. तें बंद आसलें. सरभोंवतणी पळयलें - आपापल्या कामांत आसलो जण एकटो... हांवें दार उगडलें आनी परतें धांपलें... 'लिगली' कांयच जावचेंना. ही कॅश सामकी आऊट ऑफ पिक्चर आसा. स्लीप वीप सगलें सारकें आसा... मॉरली? मॉरली आनी किनें? ४५ म्हटल्यार कृश्णशेटीचें व्हडलें कांयच वचचेंना. ताची एका आठवड्याची मिळकत जातली. करूया! एकूच फावट!! देवान धाडल्या जायत, ही म्हणटा तशें. आरे? ही कितें म्हणटली? हिका कितें सांगचें? ना सांगल्यार?...

वचपाचो टायम जायत आयलो. हांवें मनांतल्या मनात देवा पाव म्हटलें. पॅंटीच्या

एकेका बोल्सांत एकेक पॅकेट घातलें. भायल्यान दिसता काय तें पळयलें. गळो साफ केलो आनी कॅश बांदपाखातीर प्युनाक साद घालो.



टायम जालो. कोणाकडेन उलयनासतना हांव सकयल देंवलो. स्कूटर काडली... नाका.. स्कूटर नाका... तकली जाग्यार ना. ॲक्सिडेंट जायत घडये. स्कूटर भितर गॅरजींत दवरून हांव बस स्टॉपार गेलों. एक स्टॉप आदींच देंवलो. देवळांत गेलों. म्हणचेपरस थंय पावल्या उपरांत म्हाका कळळें हांव देवळांत पावलों म्हणून!



घरा पावलों. बेवाळ येता आयकपाक घरांतल्यान. माल्गो नगोच रावलो दोळे धांपून. इतल्यान दार उगडलें आनी बायलांचो हांसपाचो आवाज. हीय आयज हांसमुख. 'कितें? तकली फोडपाक लागली? बेल कित्याक मारूना?'

"मारतलो आसलो; इतक्यात दार उगडलें!"

"काम चड आसलें दिसता! म्हयन्याचो पयलो आठवडो. तातूंन आनी सोमार...' तिका हें सगळें खबर आसा. दार धांपून हांवें सोफार घालून घेतलें. हिणे फॅन फास्ट लायलो. थंडगार उदक हाडून दवरलें. पांच मिनटांनी म्हाका माल्शें बरें दिसलें. तिणें म्हाका कायच विचारूं ना. म्हाका विसव घेवपाक सांगून ती भितर गेली. ही तिची खासा सवंय. चडशा बायलांक ही नासता... च्याचो ट्रे घेवन ती आयली. 'आदीं तीर्थ प्रसाद घेयात' ती लगबगून भितर गेली. तीर्थ प्रसाद हाडलो. तीर्थ प्रसाद, च्या घेतना म्हजें लक्ष तिच्या हालचालींचेर... आयज कितली सुंदर दिसता... म्हज्या लक्षांतूच येवंक ना... बेंगलोरचो राणी कलर शालू बरो दिसता हिच्या गोऱ्या गोऱ्या आंगार...

'कितें पळयता?'

'अं?'

'आयज हांव वेगळें दिसता?'

'खूब. कित्याक लागून? माल्शी लागीं यो.'

ती म्हाका तेंकून... हांसत हांसत.

'आयज हांव सुखी आसा'.

'कित्याक?'

'आयज व्रताची सांगता जाली. हें व्रत जो पुराय करता...'

'ताका शंबर भुरगीं जातात.' हांवे म्हटले आनी हांसपाचो यत्न केलो.

'जातलींच. कित्याक जांवची ना?'

'शंबर?'

'आवंय! हांवें शंबर म्हटली? म्हाका नाका बाये शंबर... म्हाका एक लेगीत पुरो चलो. संजीवा भशेन... रामाच्या लाडूभशेन.. गोदू वावराडेच्या थोट्या रमेशाभशेन लेगीत जाल्यार...

'आगो, कितें गो हें, सुखी आसा म्हण्टा आनी कितें उलयता तूं हें?' हांव फाटीर हात घालून हिची समजूत काडूंक लागलों.



रातचें जेवण जाय म्हणसर म्हजें कितें तरी सामकें बिनसळां अशें जेवतना हिका म्हज्या चेहऱ्यावयल्यान दिसून आयलें जांवये. कांय उलयनासतना परती परती ती म्हज्या तोंडाकडेन पळयताली. ही घरांतलें सगळें लींप करून येता म्हणसर कितें सांगप हें हांव येवजूंक लागलों. सगलें जाग्यार लावन तोंड बी धुंवन ती आयली. कदेल वोडून घेवन खाटीकडेन बसली आनी तिणें सुरवात केली.

'आतां सगलें सारकें सांग पळोवया?'

'कितें तें?'

'दाखय लिपय नाका, सारकें सांग'

हांव हांसलों. तिका सांगचें काय ना, कितें सांगचें, कितें नाका असल्या विचारांक आता कांयच अर्थ नासलो. हांवें तिका सांगलें - तिका सांगतकच म्हाका सू जालें. एका

अर्शान मुडक्या जाल्लेभशेन जालें. आनीक एक गजाल हांवें खोलायेन जाणली ती ही. हिचें वगर न्हय. तीं म्हणून हांव. हिका सांगनासतना म्हजी खंयचीच गजाल जावंक शकना आनी जावंक नायना. ही... ही. म्हज्या गाण्याची सम... म्हजे जीणेचे यात्रेचें हें तीर्थक्षेत्र...

□ □ □

कांय उल्लनासतना तिणें आपरं वस्त्रांत कार्य केलें. म्हाका हातांक धरून उठयलें. कपडे न्हेसपाक लायलें. म्हजे हातीक धरून तिणें देवामुखार केलें. पायां पडून तिणें कितेंतरी मागणें मागलें, आनी हात फुडें केलो.

मुखाट्यानी हांव पंकटां काडून दिलें. तांचो तो स्पर्श तो निळो कोर... पयशे देवामुखार धरून तिणें म्हाका नाक घासून नमस्कार करपाक सांगलें. म्हाका उखलून आपल्या पयशीर धरलें आनी म्हळें, 'चल, कृष्ण मंदिरान वचूं!'

'पूण आतां रातच्या ह्या वेळार?'

'आतांच! ह्याच वेळार!'

□ □ □

तुजे त्या दिसा म्हाका एक शो दिल्ली जाल्यार... तांचे वेळा कन्ना हिका म्हण्टा.

'कितें जातलें आसलें?' ती विचारता.

'सगळ्यांक पळय' हांव म्हणटा. नाच द वे... म्हजो न्यू ओर्लियन्स नाच... 'व्हाइल्स क्रेचर' सगळें सक्सेसफुल जालें. इंपोर्टेंट गाच्यो. चांगलें...

'तूं मडाकडेन पळय म्हणटा. हांव म्हण्टा कौशिककडेन पळय आमच्या. पंचेचाळीस हजारांच्यानीर तें म्हजें व्रत चलयत लायतलों आसलों.' ही.

नाच द वे कौशिक आमचो एकटो अपुरबायेचो चलो. त्या व्रता उपरांत ताचो जन्म जालो.


ती म्हण्टा, त्या व्रताक लागून तो जालो. इतलेंच न्हय, तर तें पंचेचाळीस हजारांचें वोझ आमी घरांत दवरलें ना म्हणून देवान स्वंय तें फळ आमकां दिलां.

तिचेंच खरें आसत घडये. पूण एक समाधान. त्या दिसा तिणें तो अवतार धारण केलो आनी हांव एका गुन्यांवातल्यान सुटलों. आतां म्हज्या मनांत तसले विचार केन्नाच येनात. विचार येतां येतां हिचो तो अवसर आयिल्लेभशेन अवतार दोळ्यांमुखार उबो रावना.

❒ ❒ ❒

४

कृशण



टर नाशिल्ली. अख्ख्या संसाराकूच उजो पेटिल्लो थंय स्कूटर आनी खंयची? सुटये उपरांत त्याच दिसा कामाक गेल्लों. अख्खो दीस मार्गीर केन्नातरी सोंपलो आनी हांव सटकलों. मनशां, जनावरां आनी हेर जिनस मारकेच नदरेन हांव पळेनाल्लों... ना त्यो वस्तू म्हज्या मुखार येनाल्यो आनी फाटीं वताल्यो. भुरगेपणांत आपल्या आंगाभोंवतणी भोंवता भोंवता कांय वेळांत सगळो वाटार सरभसळ जाना आनी चाम्य वाटांच्यो वस्तू हातींत हात घालून आमचे भोंवतणी नाचपाक लागतात. तसो सगळो बाजार. दर्याची वेळ म्हजे भोंवतणी नाचनाली. मार्गीर, केन्नातरी पांयांनी म्हाका आमचे कॉलनींत हाडून सोडलो. कॉलनींत येतकीच सदचे सवंयेक लागून सदचे विचार मनात आयले. सदचे भशेन एक दोगांनी म्हाका हटकलो. पूण मात्शे भिर्याभियेत हटकताले. सदचेभशेन शेजाच्ल्या ब्लॉकाचें दार उक्तेंच आसलें आनी शेजान्न पेपर वाचताली. अख्खो दिस वाचून लेगीन हिचो पेपर सोंपना कसो हो सदचो विचार मनान आयलो. सदचे सवंयीप्रमाण हांवें बेलीर बोट दवरलें. एकदां... दोनदां... तीनदां.... आं? खंय गेलें श्यामा? निमाणे बेलीर बोट धल्लें तें काइंकूच ना.... हो वेळ मेरेन शेजान्न म्हजेकडेन पळोवन पळोवंक नासले भशेन करताली... मार्गीर ती उठली. म्हजें बेलीवयलें बोट तशेंच आसलें... एकदम ती म्हज्या म्हच्यान आयली आनी हो हो करून रडपाक लागली.

"तूं... तूं... रडटा... कित्याक.... कित्याक?" आनी हें विचारतनाच म्हाका अख्खें ब्रह्मांड याद जालें. दारावेलें कुलूप आपल्या फुटक्या दोळयान म्हजेकडेन पळयतालें. दुकांनी म्हाका चारय वटांनी आंवळून उडयलो... श्यामाक वचून आजून आठ दीस लेगीत जावंक नात. आनी हांव असो कसो विसरलों? बेल वाजयत रावलो तेन्ना कांयच कशें

म्हज्या लक्षांत येवंक ना... तें कुलूप, तें बंद दार आनी म्हज्या हातींत आयिल्ली चावी सगल्याचो सत्यानास करचो. र्लोकाकूच अख्ख्या उजो लावचो अशें म्हाका दिसलें. कशेंतरी दार उकतें करून हांव सोफार घालून घेतलें. तेन्ना म्हजे भोंवतणी सगळें जग भोंवपाक लागलें.

श्यामाचो आनी म्हजो फुलाभशेन सहजतायेन फुलून आयिल्लो मोग... कितले दीस जाले? दोन वर्सां? वर्स? स म्हयने? ताच्या मोगांत आनी ताच्या पर्सनॅलिटींत हांव घुस्पून उरिल्लों. ताच्या धीरवान, मॉडर्न विचारांक लागून हांव ताचेकडेन वोडल्लों आनी ताच्या अथांग मळबासारक्या दोळ्यांनी घुस्पून उल्लों. श्यामाकडेन वागतना ताची एकेक इत्सा पुराय करतना हांव धन्यतायेक पावतालों... पूण ताका हांवें कित्याक झक मारूंक स्कूटर शिकयली? .... ना... हांवें शिकयली ना.... तें सगलें जालें.... तशें जावपाचें आशिल्लें म्हणून जालें....

एकदीस ऑफिसांतल्यान सांजचो येतालों. एके चलयेन लीफ्ट मागली हाचें जिवाक बरें दिसलें... स्कूटरीक लागून हें भाग्य म्हाका... खरें म्हळ्यार स्कूटरीक हें क्रेडीट वता हो विचार मनात येवन हांव हांसलो. मागीर ताकाच विचाल्लें.

"लीफ्ट कोणाक लागून मागली? म्हाका काय स्कूटरीक?"

" अर्थात स्कुटरीकूच! स्कूटर नासल्यार मागपाचो प्रस्न येनासलो. ह्या अर्थान न्हय, पूण म्हाका तुमचे स्कुटरींत इंटरेस्ट आसा! कांय दीस हांवें तुमकां पळयल्यान सकाळ सांजचे हांगासून वतना.... म्हाका स्कूटर खूब आवडटा."

"फाटीं बसून भोंवपाक ज्येतार?"

"केन्नाच ना! म्हाका चलोवपाक आवडटा... अख्खें आयुश्य हांव चलयत रावतलें म्हाका कोणेय दिल्यार"

"कितें सांगता? चार दिसांत वाज येतलो स्कुटरीचो. पणजेचे रस्ते खबर नात तुका?"

"ना, तशें न्हय... म्हाका तुमी वळखूंक ना आजून... तें आसूं. हांवें तुमची

वळख करून घेतल्या. स्कूटर चलोवपाच्या म्हज्या सुवार्थाक लागून ... म्हाका शिकयशात ?"

हांव कांयच उलयलों ना .... स्कूटर थांबयली ... देंवलो आनी म्हटलें, "चल घे हातींत ..."

श्यामाक त्या दिसा जाल्लो तो आनंद ... बांबोळी ते दोनापावल सातआठ मैलांचो वसाडो रस्तो. श्यामा स्कूटर चलोवपाक हांगाच शिकलें .. बांबोळे दोन तीन वोल्लां आसात ... काजींच्या धोलांची .... मागीर रस्तो एक व्हडलें वोल्ल घेता आनी सामको धडेर पावता ... थंयच्यान मुखावयले दर्या आंगार आयिल्ले भशेन दिसता .... सकयल शें-देडशें फुटांपरस चड अशी कडो आसा ... वयल्यान सकयलीं नळपां आनी उस्केच्यो झिली दिसतात .. सदचे भशेन तें चलयतालें. स्कूटर देगेर वचपाक लागली तेन्ना हांव आडुलों. पूण श्यामा हांसलें.

"हांसता कितें? म्हजें लक्ष गेलें म्हणून ना जाल्यार स्कूटर आनी आमी दोगांयजणां सामकीं सोंपतली आसलीं"

"मागीर कितें जातलें आसलें?" ताणें हांसुनूच विचाल्लें.

"मागीर तुजें कर्म" हांवें स्कूटर थारयली. ताका देंवयलें आनी थंय नळपाक तेंकून हांव श्वास खावपाखातीर रावलों ... पूण श्यामाची नदर तशीच आसली. आजूनय तें तेच धोर नदरेन सकयलो वाटार आनी दर्या पळयतालें. आसता एकाद्र्याक रेंमाची आवड ... तें मानशें आर्टिस्ट आशिल्लें न्हय .... हांवें त्या विशयाचेर विचार केलो ना ... केल्लो जाल्यार? पूण आतां ताका कितें अर्थ आसा?

लग्ना उपरांत हांवें स्कूटर ताच्या सुवादीन केली. म्हटलें जावंदी हाचें समाधान. ताका आयतीच संद मेळ्ळी. केन्ना केन्ना तें सबंद दीसभर हेड हेड हेडटालें. मागीर आपल्या स्केच बुकांत स्केचिस आसताल्यो त्यो घेवन रानचें वसतालें. केन्ना केन्ना दिसपटी घेवन वरयत सुटतालें. ताच्या मनाप्रमाण ताका जगूंक मेळटालें. ताचें तें जियेवप म्हाका मानवतालें. वळारींनी पाखां फडफडांवची तितल्या सहजपणान दीस आनी म्हयने गेले. आनीक मागीर एक दीस .... एक दीस ....

सदच्या सारकोच तोय एक दीस. फकत सकाळीं फुडें एक पाल चुकचुकताली. तशी खूब फावटीं चुकचुकती. सकाळीं कामाक गेलों, सांजचो परतो आयलों. वतना श्यामा कशें दिसतालें? सदचे सारकीच ताचे नदरेंत शांत शांत खोलाय आसली.

"सांजचो बेगीन यो."

"कित्याक? कितें स्पेशल?"

"हय."

"कितें तें?"

"आतां सांगप ना.... सिक्रेट आसा."

हांसलों आनी वाट धल्ली. जणएक वायलेंत एक ल्हान धा बारा वर्सांचें चलो आसता अशें दिसलें... पूण चलोच कशें? एक भयण आनी एक आवय लेगीत आसता जणएक वायलमनशेंत: ह्या विचारान जिवाक बरें दिसलें. सांजचें श्यामाक सांगप...

पूण तें निमाणें उलवप थल्लें... सकाळच्या त्या वेळार कामाक वतना दोन उतरां उलोवन श्यामा नाशेंच जालें.

सांजचो येवपाक म्हाका उशीर जाल्लो. साडेसात वरां जावन गेल्लीं. घराक कुलप पळोवन माल्सो काचावूल जालों. पूण म्हटलें येतलें. आसतलें खंय फ्रेंडागेर. पूण मागीर वाट पळोवन पळोवन टायम पासार जायना जालो. भायर येवन पळयलें जाल्यार स्कूटर नासली... मागीर म्हाका भिरांत दिसली. णव वरांमेरेन कशीतरी वाट पळयली आनी मागीर सोदपाक लागलो. सगळें खबर आशिल्ले जागे पळयल्ले. रातोरात मावोड्या वचून आयलों. खंयच पत्तो नाशिल्लो. पुलिसांक कळीत केलें. हॉस्पिटल पळयलें. सोयऱ्यांगेर स्काद गेले आनी फांतोड्च्या माथ्यार हात घेवन हांव अभागी हात हाल्यत परत आयलों. खंय गेलें? स्कूटर ॲक्सिडेंट जाला काय? पूण हॉस्पिटलांत लेगीन हांवे चवकशी केल्ली.

मागीर व्हिस्कियगर आनीक कोण म्हजो सांगात दिवपाक तयार नासलो. व्हिस्की पिलों म्हणून ती चडना. ती चडटा मनान हें त्या दिसा म्हाका कळ्ळें. पेगार पेग हांव घेयत आसलों. पूण कांयच परिणाम नासलो. नकली आकांताची फोडटाली. पिशें लागपाचें


मान उरिल्लें. वोगीच एक पळोवया म्हणून ताचे ड्रॉवर सोदपाक लागलो. खंय चीट बीट दवरल्या जायत. पूण चीट दवरपाच्या जाग्यार चीट नासली. दीसपटी मात हातीक लागली. पांना धुंडाळलीं... सगलीं वाचून काडलीं आनी म्हाका शॉक बसलो. शिरंत्रांनी वीज वळिल्ल्यावरी हांव थरथरलों. वांबोळे सड्यावयल्या ते सुवातीचेर तिणे खूप कितें कितें बरयिल्लें. त्या दिसा स्कूटर ॲक्सिडेंट जायत म्हणून हांवें किळांच मारून स्कूटर कुशीक काडिल्ली. त्या दिसा खंय निका त्या सैमांत कृश्णाचें रूप दिसलें. ताका मेळपाची जिवाक आग्न लागली. खूप कडेन सैमांत ह्या कृश्णाक मेळपाचो हावेस श्यामान बरोवन उक्तायिल्लो. आरे देवा! म्हाका केन्नाच कशें हें जाणवलें ना? केन्नाच कशें म्हज्या हें लक्षांत आयलें ना!

कपलार हात मारून घेयत हांव भायर धांवलों. शेजाऱ्याली स्कूटर घेतली आनी त्या जाग्यार धांव मारली. त्या सड्याचे धारेवयल्यान पिशाभशेन म्हजी नदर भोंवली. धोंपराकोंपरांनी तो सडो हांव कसोय करून देवलो. सकयल पावलों तेन्ना घुंवळ येवपागारकी म्हजी अवनिकाय जाल्ली. हांव कितें करता? करतां तें खरें काय सपन?... इतलें म्हणसर उजवाडून किरणां वयर आयलीं. एका नळपार चेंपून तिरवागडी जाल्ली स्कूटर मेळ्ळी. आनी... आनी सकयल एका नळपार श्यामा. श्यामान आपलो कृश्ण लागीं केल्लो. पूण म्हजो कृश्ण श्यामाच आसलो. हांवें कोणाक लागीं करचो?



५

वाट



मांचे निमाणे दीस आयले आनी खंयच्याय वेळार पावस सुरू जावपाची लक्षणां दिसतालीं. सगळे प्राणीमात्र पावसाची वाट पळयताले. पूण पावस मात पडपाक तयार नासलो. झोपडपट्टी शाळेंतल्या भुरग्यांक मास्तीं धोंन सोडून, आनी तांकां 'आयज पावस पडपाचो आसा नाका वागून फाल्यांसावीन यन्नी, अभ्यास जाय या नाका?'' अशें विचारून आनी तांची अपेक्षित अशी "नाका ..." ही जाप आयकून तुरु तुरु चलून तें बसस्टँडार आयलें. बस लांबल्ली आनी भितर कोणूच नासलो. आयज ती बस चडूच लोंकल्ली. भितर पांच दवस्चोच ल्वच अशें सारकांक दिसलें. तातूंतल्या तालूंत निवळ सीट सोडून आनी तीं लेंगान पुसून पुडें वेदाल्यतीय जाशी वयत आनी खोंट फाटलेवटेन बुरसा हें पळयत तें सिटार बसलें. आनी मात पावस पडटलोच अशें मनार इन म्हणत तांणी परतें एक फावट मळबाकडेन पळयलें. आयज बकी ल्हीन वेगीन आपापल्या थिकाणाकडेन वतात अशें तांकां दिसलें. वरा वेगीन पावचेत दिसलें... दनपरां हिणें सत्री व्हर म्हूण सांगलें. पूण आपणें तें ना आयकल्लें त्यान वेळे हें घडूच जाय. आयज पावस पडटलो आनी भिजपाक आपसूकच मेळटलें.. परत आयज पावसांत भिजचें... ल्हान भुरग्यांभशेन पावसांत येतिष्ट नाचचें. मानयेच्या वाग्या वांगा भोंवळ्यो गुंबळ्यो काडच्यो. कर पडचें आनी तें अधिकच उमाळून दिंवर दवरचें. कव्यांतो थंड जाल्ले हात परत परत पोल्यांवल्यान भोंवडावचें... धड वर्स पुरे जालचे आदीं हें पावसांत नाचल्लें. हिच्या कसल्याच उल्वण्याक तुमानी नासतना तांणी एकूक पावसांत खेळ्ळें. दोनाय हातांनी जमता तितलो पावस आपल्या पोटांत धरून हिंयर मारपी एकूची तीं गुटगुटीत कमरांत धागण्यालाक चांट आंगल्ली बाळकृष्णाशी म्हूर्त...

त्याच वेळार ककेंश आवाज करून बस सुरू जाली आनी ती गडी तो बोंगाळ

पळोवन मास्तरांक खिणभर कांयच कळना जालें. 'ही पोती तुमची?' शेजरा बशिल्ल्या त्या आडव्या सुटिल्ल्या मनशान पच करून थुंकचें तशें आपणाक कित्याक विचाल्लें हेंय तांका कळना जालें. पूण तांणी आपली 'शबनम' मांडयेर घेतली आनी त्या इल्ल्याशा हालचालीक लागून जांवचें तें पुरायच भानार आयलें. वर्शीत आनीक कोणाक उबें रावपाक लेगीन सुवात नासली. अशें आसतनाय आनीक कांय जण घुसपाक सोदताले. भितल्ले लोक सुटना म्हूण झक मारीत पांयार अर्द्या पायांर उबे रावून हातांक मेळत तांणें घाम पुसताले आनी बस सुटपाची वाट पळयताले. बस ड्रायव्हराची वाट पळयताली आनी ड्रायव्हर वाट विसरिल्ले भशेन आपल्या जाग्यार बसून इंजिनाचो आवाज फकत आयकत राविल्लो.

मास्तरांक दिसलें, आमचें हें अशेंच चलपाचें.

'पावस.. पावस... ओस्पळय पडपाक लागलो... हांवें सांगूंक नासलें तुका... पळय कसो पडपाक लागलो" आतांच ओंटार चार केंस दिसूंक लागल्यात, आवाज फुटला अशा एका भुरग्यान खूब व्हडल्या आवाजांत म्हटलें. त्याच वेळार पावसाचे चार थेंबे कर्केक बशिल्ल्या मास्तरांच्या तोंडार शिंपडले. मास्तराक त्या चार थेंब्यांनी लेगीत ततरी आयली, जिवाक बरेंऽऽ दिसलें.

बस थांबली आनी खुबशे लोक देंवले. वर्शीतले लोक मात्शे आस्कळ विस्कळ उबे रावले. कांय उब्या लोकांक आता बसपाक मेळ्ळें. पावसाविशीं उलोवपी भुरगो आतां मास्तराच्या सिटाक वणकून आपल्या वांगडच्या भुरग्याक व्हड आवाजांत कितेंतरी सांगतालो आनी परतो परतो भायर पळयतालो. आतां मास्तराची नदर सारकी ताच्या मुखामळार पडली आनी थंयच घुस्पून उरली. एका हातान पुस्तकां सांवाळीत आनी दुसरो हात मजेशीर रितीन हालयत सिटाक वणकून तो थांबनासतना उलयत आसलो.. आनी ताची नदर.. ताची नकसूद तोंकीची खाडकी... मात्शें चडूच लांब नाक... मास्तरान परतें सारकें ताच्या तोंडाकडेन पळयलें. परतें परतें पळयलें आनी कामाक्षीची - तांचे एके विद्यार्थिनीची म्हूर्त दोळ्यांमुखार उबी रावली. तश्शी नदर... तश्शें नाक आनी खाडकी. उलोवपाची तुरा लेगीन इल्ली तशीच... विचारचें हाका? कितें जातलें? ना जाल्यार ना म्हणत... हो तिचोच भुरगो आसतलो... पूण कामाक्षी ह्या गावांत कशें पावतलें? ताका लग्न करून

इंदूरालागीं खंयतरी दिल्लें. इतलें मास्तरांक याद जालें... कितलीं वर्सां जालीं काय? कामाक्षी म्हळ्यार सादारण खंयची वेंच आसतली?... तरी केर्गीत वीसेक वर्सां जातलीं. पेन्शन घेवनूच आतां आठ वर्सां जालीं. मास्तरान पोन्यों यादी काडपाचो यत्न केलो. पूण ते एके यादीवगर दुसरें कांयच सनात उबें रावलें ना...

शाळा सुटले बरावर सदचे संवयीन सगल्या वर्गांनल्यान एक पासय मारतना मास्तराक शाळेच्या वाटेंन तीं दोगां दिसलीं. धावेंनलें कामाक्षी आनी कोणतरी कोंगऱ्या केसांचो भुरगो... ढळढळीत दनपारच्या वेळार वाटेंनल्या बांकार तीं एकामेकांक खेंटून बशिल्लीं आनी एकमेकांच्या हातांत हात घालून गुल्ल जावन फुतफुतताली. मास्तर फुड्यांत पाव मेरेन तांचें लक्षूच नासलें. मास्तरान कामाक्षीचो कान पिळवटलो आनी त्या भुरग्याच्या कपलार आयिल्ले केंस दुसऱ्या हातान धल्ले. तो भुरगो खांकुडलो आनी कामाक्षीची तर भयान आनी लजेन गुळीच जाली.

'तूं खंयच्यान उप्रासलो रे हे शाळेंत?'

'हांव.. हांव लागींच्या ... लागींच्या प्रॉग्रेसांतलो!'

'वा वा वा! कितें प्रॉग्रेस चल्ला!' मास्तरान हात हाल्यत उलोवपाक सुरवात केली आनी आतां धडगत ना हें पळोवन दुकां पुशीत कामाक्षीन म्हटलें.

'सर... चूक जाली आमची.'

'चूक जाली म्हण्टा? लज दिसना? म्हाळशे, तुजो बापूय पदराक खार लावन तुका शाळेंत धाडटा आनी तूं हांगा...'

'सर सॉरी... चूक जाली'.

'चूक सुधार. आदीं मॅट्रिक पास जा. कामाधंद्याचें पळय आनी मागीर खुशाल कर सिनेमा... आनी तूं खंय चल्लो रे पळून? नांव कितें तुजें?'

'सर, माफ करात' ताणें मास्तराच्या तोंडाकडेन पळयनासतना म्हटलें. ताना मास्तर तिडकीन वायट हें सरभोंवतणच्या सगल्या शाळांनी खबर आसलें.

'सर, सॉरी, चूक जाली!' त्या भुरग्यान परतें ल्हवूच म्हटलें.

'बरें बरें, चल आतां... पूण परतों जर ह्या जाग्यार पांय दवरशी जाल्यार...'

'ना सर!' अशें म्हणून तो धांवतूच गेलो आनी कामाक्षीक ताचें फाटोफाट वचपाक लागलें.

'तूं खंय पळटा गो? सांजचें स वरांचेर घरा यो. कळ्ळें?'

'कळ्ळें सर'.

'चल आतां वच घरा' अशें म्हणत मास्तर आपल्या शाळेफाटल्यावटांनच्या घरांत गेलो.

कांपतल्ल्या मनान कामाक्षी सांजच्या स वरां आदीं मास्तरागेर हाजीर जाली. वाईंन - मास्तरांच्या घरकारीन दार काडलें. तिच्या तोंडाकडेन पळोवपाक कामाक्षी गणगणूं लागलें.

'यो यो, कामाक्षे. भितर यो' मदर्चे संवयीन वाडून ताका हाताक धरून भितर व्हेलें आनी घरच्यो खबरी विचारपाक लागली. कांय वेळान मास्तर भायर आयले आनी तांणी आपली गांधी तोपी काडून सदाच्या टेबलार दवरली. आपल्या केंस नाशिल्ल्या माथ्यावयल्यान हळूच हात भोंवडायलो आनी सवंगड्याल्यान भायर पळोवन रावले. आतां मास्तर विचार करतात आनी तांचें मन शांत आसा. हें मदरचे संवयीन कामाक्षीन वळखलें आनी ताका मात्शें बरें दिसलें. 'मागीर? कितें म्हण तूं कामाक्षे? खंय मेरेन शिकल्या गो? मॅट्रिक जांवचें आदीं ही परीक्षा पास जालें नं... पूण आंगांत पांगी आसा मगो ह्या कुळकुमारच्या? ना जाल्यार एक दीस वांक वचो करून दवरीं मागीर!' अशी सुरवात करून मास्तरान कामाक्षेक सगळें उजवाडान काडलें. ताचो बापूय आनी मास्तर हांचे एकमेकांगेर नितळ येवप वचप नासलें. पूण मास्तर जाणा नशीं कामाक्षेक. सगल्यान शिकपी भावडांक मदत करतालो आनी माईंच - कामाक्षेच्या आवयक भाऊवाळे दिसा ना विसरतां किलेंनरी भेट धाडून दितालो. आपूण मात केन्नाच जेवपाक येनासलो. मास्तरांच्या तिखट स्वभावाक लागून कामाक्षेचो बापूय लोगांत सांबाळनय ताचेकडेन उलयतालो.

सगलो उजवाडणी जाली. आदींच्या आनी नव्या भुरग्यांची वळणूक. स्वातंत्र्य मेळच्या आदीं कसलेंय त्याग करपाक तयार आशिल्लो समाज मागीर कसो हळू हळू स्वार्थी जायत

गेलो, राजकारण कशें घाणत गेलें.... पूण हें सगलें आपलो आवाज चडयनासतना मास्तर उलयले. तापवप ना आनी हावभाव लेगीत ना. हावभाव करून करवादून उलोवप. वाईक मात लेगीत आवडनासलें हें कामाक्षेक बेस बरें खबर आसलें. मास्तराची गाडी आतां थांवत, आतां थांवत म्हूण वाट पळयत आशिल्ल्या कामाक्षेन निमाणें आशेन भितर काम करीत आशिल्ले, पूण एक कान भायर दिवन आशिल्ले वाईकडेन पळयलें आनी वाई भायर आयली.

'आतां पुरो जालें तें. एक पिरेडा परस चड जालें. ल्हान आसा तें आजून. सगलेंच कशें कळटलें ताका?'

'वा वा! ल्हान खंय. तुवें पळोवंक ना थंय गार्डनात धोलांच्या फाटल्यान कितें चलतालें तें. हांव म्हण्टां, हें सगलें करपाक मागीर वेळ आसा. आनी हाचे घरची परिस्थिती पळोवपाक नाका? खबर आसा मगे तुका?'

'आसा, आसा!'

'मागीर? हे थेर कामाक्षे, तुका परवडपाचे नात. तुका हांव एक संद दितां. दोन वर्सां हें पिशें तकलेंतल्यान काडून वडय.. ना जाल्यार वापायक सांगून...'

'सर... काडलें तकलेंतल्यान... परतें अशें जावचें ना सर!' अशें म्हणत कामाक्षी भितरलें भितर रडपाक लागलें. ताचें आंग कापतालें आनी हुंदके दामून धरपाच्या यत्नात ताचें तोंड तांबडे गुंज जावन गेल्लें.

तें रडटा तें पळोवन मात मास्तर सामके याण जाले आनी उठून कामाक्षेलागीं खाटीर वसत, ताचे फाटीरसून हात भोंवडायत आपल्या आपणाम्च विटून म्हणपाक लागले,

'कामाक्षे, म्हजेंच चुकलें. तूं कोण लागता म्हजें? कित्याक हें सगलें सांगलें तुका? शाळेच्या वर्गांत तुमकां भुरग्यांक शिकोवन वेळ जायना फुडें सोडून घालपाची. कितें संबंद उरता मागीर आमचो?'

'ना, ना, मास्तर, संबंद उरता. संबंद उरता मास्तर.'

मनगटांनी दोळे पुशीन आनी परतेच फावट मास्तराच्या तोंडाकडेन पळयत कामाक्षीन निर्वाणान म्हणलें आतां मास्तर [illegible] ताच्या तोंडाकडेन पळयत उल्ले. ताचे ते शब्द 'संदेश [illegible] संदेश [illegible] मास्तर ...' मास्तरांच्या कानांत सादत गेले...

[illegible] त्या मनशान [illegible] मास्तराचो पांय आपल्या पांयांपोंदा चिडिल्लो आनी नेट करून [illegible]. आपलो पांय सोडावन घेवन मास्तरान निरखून त्या मनशाकडेन पळयलें. पूण तो [illegible] गडबडांत आसलो आनी उबे राविल्ले कांय लोक खाली जाल्ले सीट धरपाक [illegible]. [illegible] एकलो [illegible] तरणाटो आसलो. मास्तरान त्या भुरग्याच्या तोंडाकडेन पळयलें आनी [illegible] तो गजाल मास्तरान केली. आपलो पांय दवरून तो सीट [illegible]! आनी त्या तरण्याक बुंदेर बसपाक आपयलो.

"[illegible]" त्या भुरग्यान आपल्या [illegible] सांगलें.

"ना ना.. [illegible]. [illegible] आतां [illegible] देवतलो [illegible]" [illegible] सांगलें.

आरे, यो हांगा, तुजेखातीर सीट धरल्या हांवें. यो."

[illegible] हात करून [illegible] [illegible] "हा आनी [illegible] सांपडलो?" [illegible] मुखामळार [illegible] आपल्या [illegible] [illegible]. [illegible] 'बरें जालें, [illegible] फाव तुका' अशी खूण केली.

'थँक्यू आजोवा'.

'थँक्यू [illegible] आवन [illegible]. थँक्यू म्हणप आनी सगळें [illegible]!' [illegible] म्हणत [illegible] हांसलें. तांच भुरगोय हांसलो.

'[illegible] आवयच [illegible]?' मास्तरान असें विचाल्लें खरें पूण [illegible] [illegible] आयली. आपणें हाचें नांव विचाल्लेंच ना. आवयचें विचाल्लें. '[illegible] नांव [illegible]?' मास्तरान ताच्या खांदार हात दवरून विचाल्लें.

त्या भुरग्यान आपलें [illegible] [illegible] केलें आनी परतें विचारलें.

‘आजोवा, आवयचें नांव तुमी विचाल्लें. कित्याक तें?’

‘पुता, कामाक्षी म्हूण म्हजी एक गुणी विद्यार्थिनी आसलीं खूब वर्सां फाटीं. तिचो तूं भुरगो न्हय मरे? तुजें नाक, खाडकी, नदर सारकें तिजे भशेन दिसलें. व्हदळच्यान हांव पळयत आसा तुका. कामाक्षी पाटेकार वो नाटेकार.... आडनांव सारखें याद जायना आतां.’

‘नाटेकारच. तुमचें सारकें आजोवा, हांव तिचोच भुरगो. मंगेश’

‘खरेंच! परमेश्वराची लीला अगाध आसा! विलक्षण! विलक्षण!’ मंगेश तांच्या तोंडाकडेन पळयत, तांणी अशें कित्याक म्हटलें हाचो विचार करीत रावलो. मागीर ताणें विचाल्लेंच.

‘विलक्षण? म्हळ्यार कितें?’

‘आरे, इतल्या वर्सांनी हांवें म्हजे एके विद्यार्थीनीच्या चल्याक पयलेंच फावट पळवप.. आसूं तुका कळचें ना तें. तुका वर्सां कितलीं?’

‘चौदावे सोंपून पंदरावें लागलें. पूण कित्याक?’

‘हरशींच. खंय रावतात तुमी?’

‘राजाजी नगर. तुमी? म्हजो स्टॉप आयलोच लागीं. पूण आजोवा, म्हाका जायतेजण म्हज्या तोंडावयल्यान म्हज्या आवयचो हें वळखतात. म्हाका मातृमुखाचो काय कितें तें म्हण्टात...’

‘मातृमुखी, मातृमुखी म्हणपाचें तुका! चलो मातृमुखी आनी चलीं पितृमुखी आसचीं अशें म्हण्टात!’

‘तशें नासल्यार कितें जाता सर?’

‘कांय फरक पडना रे.’

‘अच्छा, हांव देंवता!’ तो उठलोच;

‘पुता, नाव कितें तुजें? हांगा रावता तूं?’

'मंगेश . हांव इश्टागेर वतां . थंयच्यान चलत घरां वतलों ' अशें म्हणत तो गर्दींतल्यान वाट काडीत दारावटेन गेलो.

' आरे मंगेश ... तुजो पत्तो .. तुजो पत्तो ' मास्तरान हें म्हणटा म्हणसर तो देंवलो आनी बस सुटली.

ते वेळ भेरेन पावसाची एक ल्हानशी दडक पडून गेल्ली आनी आतां ताणें आपली थंडशी पिरपिर चालू केल्ली . वातावरण थंड जाल्लें आनी बशींतलो सगळोच लोक वग्गी रावून जशें परी पयल्या पावसाची ती पयली थंडाय अणभवतालो . मास्तराक दिसलें , कितलें वेडें अजाप हें न्हय! चार म्हयने कामाक लागून गिमाळो गरमी वाडयता आनी पांच मिनटांभितर पावस आपले एके दडकेन सगळें गारगार करून उडयता . मास्तराक दिसलें , पावस हो भुरग्या चल्या भशेन ! नाचाडगपणा करता . पूण एकाच खिणाभितर भितर खंयतरी थंड थंड सवस्तकाय भरून वडयता ...

मास्तर घरा पावमेरेन चडशे भिजून गेल्ले . दारांत पावल्या उपरांत तांची तंद्री भंगली . सत्री विस्राक केली ना . ह्या प्रस्नाक खंयची बरशी जाप दिवची हें चिंतीत ते घरांत सरले . कपडे बदलून हात पांय धुवन , देवाक नमस्कार करून आनी निरंजनाचे ज्योतीकडेन पळयत ते आपले सदचे पेटयेर मांडी घालून बसले . बाईन दिल्ली च्या तांणी आपल्या पाखांडे भशेन ओशल्ल्यो मिश्यो सांबाळीत सुर्र .. आवाज करीत सोपयली आनी पेटयेर कुशीक कप ' टा ' करून दवरीत तांणी म्हटलें .

'श्री हरी, श्री हरी.'

'श्री हरी कितें? कप फुटपाचो आसा! हांव म्हणटां तुमी आयदनां आपटतात कित्याक? टेबलार हेस्टर आपटपाची ती संवय आजून कशी वचना तुमची? ... सुक्या वाल्यान नकलीं सारकीं पुसात तीं ' . दांडयेवयलो सुको . कुरकुरीत जाल्लो वालो तिणें पुसपाक दिलो .

' हांव दिव पुसून नकलो ? ' अशें म्हणत ती पुसपाक लागली .

' च्यं च्यं तूं नाका ' तांणी वालो काडून घेतलो आनी कुशीक दवल्लो . तें पळोवन

बाई तिडकीन आपल्या कामाक गेली.

'आगे, आयज विलक्षण म्हण्टा तसो एक प्रकार जालो!'

'पावस पडून भिजपाक मेळ्ळें हो प्रकार!'

'पावसाक बरी सुरवात जाल्यां हें खरेंच गे. पूण हांव सांगतालों दुसरेंच'

'झोपडपट्टी शाळेंतल्या भुरग्यानी कितेंय मस्तीं केल्यार तुमकां तें बरें दिसना. विलक्षण दिसता, आनी कितें!'

'आगे, तीं भुरगीं आसाच विलक्षण पूण हांव सांगतालों तें दुसरेंच. पूण तूं आपलें सांगता सदचें भशेन तिसरेंच...! आगे, आयज कामाक्षेचो भुरगो मेळ्ळो म्हाका व्हडल, वर्सांत, हो येदो आसा.... आसत चौदा पंदरा वर्सांचो. आसा बरो गुटगुटीत आनी हुशार...'

'कामाक्षी.... कामाक्षी म्हळ्यार ती तुमची लाडकी विद्यार्थिनी नाटेकर न्हय!'

'आगे हय तिचोच चलो!'

'खंय आसता तें? सदांच म्हाका आई आई म्हण्टालें आनी घरांत कितेंय जाल्यार येवन म्हाका सांगतालें...' अकस्मात तिणें दोळ्यांक पदर लायलो हें पळोवन मास्तराक अजाप दिसलें. आनी इल्लो रागूय आयलो. अशी चांटे पावलाक जर मनशान रडप धल्लें जाल्यार जगपाकच जमचेंना. 'आतां आनी कितें जालें? भायर काय बरो पावस पडटा!' विशय वदलपाखातीर मास्तरान पावसाचो आदार घेतलो.

'कामाक्षी म्हळ्यार खंयची बॅच गे ती?'

'कोण जाणा. ताच्या लग्नाची व्हॉवळीक पत्रिका आयिल्ली तितलीच. त्या उपरांत कांयच खबर ना. हीं भुरगीं अशींच आई बाई करून जीव लायतात आनी मागीर सगळीं भटो भटो आपल्यो वाटो...'

'आगे, आमी तरी खंय दवरतात संबंद. आमीय विसरतातच न्हय!' आपल्या हाताखालसून शिकून गेल्या शेंकड्यांनी भुरग्यांचे तोंडच्या तोंड नांवां नदरेमुखारसून एकेक करून फाटीं फाटीं वचपाक लागले. चाळीस वर्सांच्या काळांत हजारांनी भुरगीं शाळेंत आयलीं

आनी शिकून गेलीं तांका शिम्प लागचीं म्हूण कडक नदरेन. शंकातलो तांकां दवल्लीं. क्रॉपिस्ट मास्तर म्हूण नामना जोडली! हांव क्रॉपिस्ट नासलों हें चडशा भुरग्यांक कळोंच ना. तांकां सदांच म्हजी भिरांक आयली... पूण कामाक्षभशेन एकांद चल्येन. एकाद्या चल्यान मात तांचें काळीज सारखें पारखिलें.

'हांव कितें म्हणटां, हांवें ह्या चाळीस वर्सांच्या काळांत इतल्या भुरग्यांक शिकयलें.'

'शिकयलीं नर! हुस्तर आपटून आपटून, तांपेड मेज करून बेश्टायन, उलोवन उलोवन... अशे अशे हात करीत!'

'हय कय. हात नाचयले, मेज गरगरायले. पूण शिकयलें मगे तांकां? चार अक्षरां शिकयलीं मगे?'

'शिकयलच वो तुमी. ते कोण ना म्हणटा. पूण तुमचो [illegible]....' दोळ्यांक पदर लावन बाई [illegible] बसली.

'हें आनी कितें पसर पसर 'पावसाक येवकार दी म्हय सं!' आनी असो भुरग्यांक येवकार गाणें शिकयतालें. भुरग्यांपरस आमच्याच आंगण्या [illegible] गुणाक [illegible] दिवपाली [illegible] आसतालें सगल्यांक...! तशें हें पावसाक येवकार गीत ना म्हय सुं!' आपणाविश्वच [illegible] मास्तरान [illegible] विचाल्ले.

'ह्या कविताचें नांव [illegible]? काइं नाका. पावस तो [illegible]. [illegible] वरी ती...' अशें म्हणत बाईन हुंडक्या हुंडक्यांनी रडपाक सुरवात केली. मास्तर नरम पडले आनी [illegible] भुवायल्ल्या [illegible] नदर [illegible] ना. [illegible]... [illegible]... [illegible] हय. त्या दिसा [illegible]... [illegible] नासली. दुसऱ्या दिसा [illegible] आसली. मामागर [illegible] नासलें. ते येवपाचें कारण समजूंक नासलें. पावसान जून लागच्या आदींच नेट धरिल्लें. न्हंयेक [illegible] हुंवार आयिल्लो [illegible].... [illegible] आसतलें काय सगळें? हुंवाराचें [illegible]. [illegible] पंदरा मनशां खेंटून खेंटून बसल्लीं.

तांचे भितर जीव मुटींत धरून बशिल्लें रजू.. आर्दींच तें विलुवाय. पंधरा वर्सांची कंवळी पिराय... उदकाक आनी काळखाक सदांच भिवपी रजनी त्या त्या निमाण्या खिणाक.. सगळें घर हुंवाराचें उदक जावन मार्न्सराच्या भोंवतणीं भोंवपाक लागलें. तांकां ग्लानी आयली आनी ते लार्गी लार्गी पडलेंच. पूण निमाण्या खिणाक वाईन तांकां थातारून खाटीवटेन लकयले. आतां सांवरून धरपाची पाळी वाईची आसली. तिणें आपल्या भावनांक बांद घातलो आनी म्हटलें, 'तुमी मात्शे पडूनच रावात. तुमकां आनीक इल्ली च्या हाडूं? पावसांत भिजले न्हय. ताका लागून तुमकां त्रास जालो दिसता!'

'च्या वी कांय नाका, म्हाका किते जालां तर!' अशें म्हणत ते उठून बसले.

'आगे तुजें तें सामान मात हाडपाक विसल्लों. तो कोण तो भुरगो, कामाक्षेचो मेळ्ळो न्हय. तेच भिस्केंत वशींतल्यान देंवलो आनी वद्द घरा आयलों.'

'कांय नजो! भटजीक तरी खंय सांगलां हे फावट? म्हाका दिसता आतां आमी अशें तरेन श्राध्द करपाचेंच बंद करूंया.. कांयच समाधान ना तातूंत...'

'आगे, तूंच हें उलयता? हांव इतलीं वर्सां तुका किते सांगतां तर! ते भायर वेगळेतरेन ताचें खरें श्राध्द हांव करीतच आयलां न्हय. ना जाल्यार कित्याखातीर इतली वाट माडयत आनी वशीक पैशे मोडून हांव ते झोपडपट्टेन वतलों आसलो?.. एक गजाल मात आसा. तीं भुरगीं झाडून सगलीं हुशार... आमच्या धवाडी लोकांसारकीं मेंगीं आनी आळशी फुकट खाव न्हय!'

'अशें किते म्हण्टात तुमी? आगा, उकत्या जगांत वावुरपी तीं! वारा गांवचें उदक खाला तांणी. सादी गजाल आसा. बरें, तें आसूं. तुमकां वाडटां आतां. आनी न्हिदच्या आदीं कसाय घेयात मेथयेचो केला तो.'

'कसाय? किते? तो आनी कित्याक?

'तुमी पावसांत भिजले न्हय!'

'कसलें घेवन बसना गे! चार थेंब पडले आंगार आनी जीव मात्सो न्हिवलो इतलेंच.'

'आतां तुमकां तितलें लेगीत सोंसना हो.'

तिनसान जावन गेल्लें. मंगेश आजून घरा पावूंक नासलो. पांचां आदीं येवपाचो आसलो तो सात जावन आयले तरी पत्तो नासलो. कामाक्षेचो जीव वयर सकयल जावन गेलो. पयलीं तांणें काम करतां करतां भितर भायर करून ताची वाट पळयली. मागीर तें बाल्कनींत खांब येद निश्चल उबें रावलें आनी आतां तर तें सामकें भायर रस्त्यार वचून उबें रावलें. तातूंत आनी सांजेच्या पावसाक सुरवात जाल्ली. किदें जालें काय?... कामाक्षी रस्त्यार पावलें. तितल्यांत पयस नदर मारतना मंगेशाक सोदपाक लागलें आनी खिणाभितर सगळो हुस्को पयस करीत येतल्यान मंगेशाचो म्हूंस ताका दिसलो. लागीं लागीं धांवतच तो येतालो. पावसान चिंब भिजिल्लो. पयसुल्ल्यान तांणें कामाक्षेक पळयलें आनी चडूच वेगान धांवल्या भशेन चलपाक लागलो. पयस आसतनाच तांणें हात करून आनी आडूढून म्हळें 'आई, पावस येता पयलो. पळय'. आपल्या आंगार तांणें नदर मारली.

'कितलें उशीरां आयलो रे तूं! म्हाका हुस्को जालो...'

'आगे, हांव इश्टागेर गेल्लो. थंय मजा जाली'

'ती सदांच जाता. तुजीं पुस्तकां?'

'तीं बॅगेंत घाल्लीं. बरें केलें. ना जाल्यार भिजपाचीं न्हय?'

'पूण इतलो लेट कसो आयलो तूं?'

'आगे आयज वेगळीच मजा जाली. एक आजो सो मनीस हां. तोंडांत दांत नासल्लो वड मिशयो. सगळ्यां धव्यो हां. धवेंफुल्ल मुडलें. धवो फुल्ल सदरो. धवीच मिनिस्टराची तोपी..'

'आरे गांधी तोपी म्हणटात तिका.'

'तोच तो. तोणेंच पांच वर्सां आसपाची शयचनाय जयंत्यांक जायना'.

'फाजीलपणा नाकात. कसली भाशा रे ही. जाणटेलो मरे तो?'

'आई, खंयच्याय शाळेच्या जायंतींत ताका घेतल्यार जाता. ना जाल्यार कायदनराच्या. फकत धा सेकंद दाखोवचो ताका म्हयनो भर.. म्हालाचो डिमांड..'

'आडकथा नाका. सारकें सांग. आजोबाक वळखता तूं?'

'आदीं खावपाक दी. हांव वॉश घेवन येतां. मागीर सांगतां' अशें म्हणून [illegible] आंगातले भिजिल्ले थबथबीत कपडे ओडून काडीत तो बाथरूमान धांवलो. ताचे [illegible] कपडे, सॉक्स, बूट जाग्यार घालीत कामाक्षी विचार करतालें. हो आनी कोण [illegible] आसचो?

"आई. फाल्यां मॅच आसा. सकाळीं वेगीन आटांक [illegible]"

दोनूय गालांनी खाण चिड्डून भरीत आनी त्याच वेळार तोंडांत च्याचो घोंट [illegible] ताणें म्हटलें.

'आरे सवकास खा. सदांच तूं वाग फाटीक लागिल्ले भशेन किच्याक [illegible] आवाज करूंक जायना! आनी आजोबा म्हणटालो तो कोण? आनी मॅच खंय [illegible] सारकें आतांच सांग. फाटलें फावटीं सारको गोंदळ जावचो ना.'

"हांव सवकास खातां. तूं मात विचारीत सुटू नका फाटोफाट [illegible] केमिस्ट्रीच्या रावसरा भशेन. जाप नं. १ : सवकास खावप जमपाचें ना. म्हाका [illegible] भूक लागता. म्हाका तीन तोंडां आसल्यार बरें जावपाचें तुज्या [illegible]

'शू - देवाची फकाणां करीनात!'

'जाप नं. २ : खातना आवाज हांव करीना. आपशीच जाता.

'तो जावंक जायना. वायट दिसता तें.'

'वायट आयकूपाक येता म्हूण.'

'बरें बरें, शाणेपणा वाडलीं. मॅच खंय आसा?'

'आगे. आनां हांव ल्हान गे! हायर सेकंडरी म्हळ्यार [illegible]'

'म्हाका हुस्को जाता'

'बाबाक जायना तो!'

'तांकांय जाता. तुका खंय खबर आसा. पूण तो आजो [illegible]

[illegible] . [illegible]
[illegible] ...
'आरे, ते नाना मास्तर न्हय मरे?

[illegible]
आनी म्हटलें,

[illegible]
नो प्रॉब्लेम!'

[illegible]

[illegible]

[illegible]
स वर्ग जालीं'

[illegible]

[illegible]
आसलो...

[illegible] नाना मास्तर!' [illegible]

एक उडकी मारीत उठलो 'हे! कमॉन...' अशें म्हणत ताणें बॉलिंग घालपाची ॲक्शन केली आनी फाटोफाट तो बॉल बाऊंड्री लायनीचेर धाडपाची ॲक्शनूय केली. मागीर अंपायर जावन ताणें 'सिक्सर'ची खूण केली. मागीर ताणें कमरार हात दवरीत, आपले क्लासींतले एके सिस्टरीची ॲक्टींग करीत बारीक आवाजात म्हटलें,

'इतलो बोवाळ चलना हांगा. हांव लेक्चर कशें चालू दवरूं?' मागीर तकलेंत प्रकाश पडिल्लेवरी ताणें विचाल्लें,

'पूण नाना मास्तर तुमचे दोगांयचेय मास्तर आसले तर?'

'तुजे आईचे मास्तर. आनी म्हजे? म्हजे रिंगमास्टर, दी ताळी!' अशें म्हणत हांसून बाबान हात फुडें केलो ताजेर नेत्रान ताळी वाजयत म्हटलें 'ही घे ताळी'.

'खरी ताळी दिवपाक जाय म्हाका!' आईन म्हटलें.

'तुका कित्याक गो बाये?' साहेबी भाव तोंडार हाडीत बाबा.

'कारण हांवें तांकां दिल्लें उतर सारकें पाळ्ळें म्हूण. हांवेंय कंट्रोल दवल्लो न्हय!'

'पूण तुका तो पाळपाक कोणें दिलो? हांवेंय मगो?' बाबान आपलें म्हणणें फुडें घातलेंच.

'बरें, बरें तुमकां तर तुमकां दिवया. पूण मंगेश, मास्तर आजोबा खंय रावतात रे? पत्तो घेतला मरे? तांकां मेळपाक वतलों आमी. तुमी आयकतात मूं? ह्याच दिसांनी केन्नातरी रजनीचें, तांचे चलयेचें लग्न घडिल्लें. तारीक आसली ७ जून. म्हाका घट्ट याद आसा. म्हज्याच बांगडा शिकनाले तें बावडें. मास्तराक थर्त भिनालें.... मंगेश आयज तारीक कितली?

'आयज ८. कित्याक?'

'आरे, तशें जाल्यार फाल्यांच तो दीस. फाल्यांच मेळपाक जाय नाना मास्तराक.'

'आगो पूण फाल्यां'. बाबान सुरवात केली पूण मागीर म्हटलें, 'बरें. बरें फाल्यांच वचूया तांगेर. मंगेश खंय रावतात रे ते?'

'बाबा हांव पत्तो विसल्लों'.

'विसल्लो? इतलो धांदळी केन्नाच्यान जालो तूं? कॉलेजचें वारें लागलें रे तुका!'

'ना ना बाबा, हांव विचारपाकूच विसल्लों' आई आनी बाबा दोगांय खट्ट जालीं. दोगांय वग्गी रावलीं आनी सगलें वातावरणूच बदल्लें.

'सॉरी, पूण म्हाका कशें कळपाचें तुमका तांचो पत्तो जाय हें!' मंगेशान सादेपणान म्हटलें आनी तो वग्गी रावलो.

रातीं न्हिदचे आदीं कामाक्षीच्या धांपिल्ल्या दोळ्यांमुखार त्या सगल्या घडणुकांचो पट सर्रमिसळ जावन धुंवपाक लागलो. दोगांय एकटांय आसतना मास्तरान पळोवप. मागीर घरा आपोवन कांडिल्ली खरडपट्टी. मागीर तांकां दिल्लें उत्तर. मास्तरान दिल्ली ती सगल्या विशयांची फुकट शिकोवणी. करून घेतिल्ली तयारी. इतिहासाखातीर कामाक्षेक मेळिल्लें भांगरा पदक.. त्या फाटोफाट मेळिल्ली शिर्वीस. गोविंदाचीं तीं समाजिकार्यचीं. धीरगचीं उत्तरां. ह्या सगल्या फाटल्यान आसली मास्तरांची नदर. ती कडक नदर. ती नदर दिसभर खर्सी काडून रातीं अभ्यास करून घेताली. फांतोडेर उठयताली. मास्तरांच्या ते नदरेनूच आमकां आमची वाट दाखयली न्हय? कामाक्षेन आपल्याकूच विचाल्लें. मास्तर थंय पावना जाल्यार आमची वाट शेणपाची आनी सगली वाट लागपाची घडये.

एका रातीं केन्नातरी पावस पडपाचो थांबलो. फांतोड सोंपत आयिल्ली. पूण सकाळ अजून जावपाची आसली. अशा वेळार पयली जाग आयली सुकण्यांक. फाटोफाट उठलीं गोरवां. तीं गळ्यातलीं कार्नी काडपी. पाडकांक कुचपाक सोडून घालपी धनयाक सादवंक लागलीं. शेवण्यांच्या आनी कुकडांच्या आवाजान कोगळान आपलें सोंपतें सोंपतें गायन भरसून दिलें. केन्नाच वेगीन ना उठपी मंगेश, आई बाबाच्या फाटोफाट उठून बोवाळ घालीतूच रांदचे कुडींत पावलो.

'आई बाबा गावलो. युरेका - युरेका!'

'आरे, मागीर तें बाथरूमांतल्यान नागड्यांनी धांवत भायर येयत म्हणपाचें आसता खंय मरे?' बाबान मजेत म्हटलें.

'तुमी सकाळीफुडें त्या आर्किमिडीज कीं कोण ताचो उध्दार करूं नाका पळोवया! मंगेश तुका कितें मेळ्ळें?'

'आगे, तुमच्या मास्तराचो पत्तो मेळ्ळो म्हाका!'

'पूण कसो? तुवें तांकां विचारूंकच नासलो न्हय?'

'आगे म्हाका दिसलो!'

'बुदवंता तुका पत्तो दिसलो? दिसलो? तो दिसता केन्ना?'

'बरयल्लो आसत जाल्यार दिसता मगो!' बाबान ल्हवूच म्हटलें आनी ताळयेखातीर हात मंगेशाकडेन केलो. ताळी वाजयत मंगेशान म्हटलें.

'दिसलो. पूण ना बरयतां दिसलों. आगे, आमी सिनेमा पळयता तसो दिसलो!'

'तुमी बापूय पूत कितेंय बडबडात आनी ताळयो मारात. हांव चल्लें म्हज्या कामाक. म्हाका आयतार लागना'. अशें म्हणत कामाक्षी च्याच्या टेबलावयलें उठलें आनी कामाक लागलें.

'आगे, हांव सांगतां सारकें, कांय फावटीं हांवें तांकां बसींतल्यान देंवून त्या घरांत वतना पळयल्यात. तें तांचेच घर आसतलें. इतल्या तिनसांजच्या वेळार तो जाण्टेलो लोकांगेर कित्याक वतलो? विकासनगर स्टॉपाक सामकें लागीं आसा घर. दारांत बांय आसा. लाकडाच्या पट्ट्यांची गुणाकाराची खूण कशी नक्षी आसा फुडले पडवेक...'

'फुडलें हांव सांगतां' बावान मदींच म्हटलें 'बांयचेर वाळगून उदकांत आपलें रूपडें पळोवपी एक झाड आसा... कसलें आसतलें गो तें झाड?'

'तुमी मात्शे वग्गी रावात पळोवयां. सगलींच भुरगेपणा जातात. तुका सारकें खबर आसा मरे?' कामाक्षीन मंगेशाक विचाल्लें.

'हय तर, सारकें.'

'आनी तें आनीक कोणाचें घर आसलें जाल्यार?'

'परत येवपाचें! तातूंत कितें?' मंगेशान म्हटलें आनी ताळये खातीर हात फुडें

केलो. करवादून कामाक्षेन ताज्या हातार मारपाक दवलो काडलो तेन्ना तो वयलेवयर धरून बाबान दुसऱ्या हातान ताळी दिली आनी ते दोगूय धांवत भायर गेले आनी फाटोफाट पदर खोंचून कामाक्षीय धांवलें. सकाळीं फुडें तें घर हांसो आनी उमाळ्यांनी भरून गेलें.



पंदरा वीस सपणां चडून त्या घराच्या दारांत तीं तिगां पावलीं. तेन्ना धा वरां जावन गेल्लीं. मंगेशान मॅचीक वचपाचें आपणेंच कॅन्सल केलें आनी तो सायकलीन वचून आपल्या इश्टाक सांगून आयलो. मागीर ताणें बोवाळ घालून कामाक्षेक भायर काडलें. कामाक्षेच्या मनान कितें तरी खाण आपल्या हातान करून हाडपाचें आसलें. पूण ... ताणें ते जोडयेकडेन पळयलें. हांसून ल्हव आवाजांत दोगूय कितेंतरी उलयताले. कामाक्षेन परती वेळ दामली आनी कुशीक उलोवपी त्या दोगांकडेन गेलें.

'कितें चल्लां, कसली मांडणी?'

'कांयच ना. खरेंच ना, आई सकयल पळय. बांयचेर झाड आसा कसलें गे तें?'

'आरे, आसा मरे. तो धवो चांफो मरे! आमगेर दारांत आसलो धवो चांफो. ताच्या फुलांनलो भिनल्लो हळडुवो रंग इतलो सुंदर आसलो!'

'कुळारचो कावळो लेगीत सुंदर आसता खंय!' बाबान हांसून म्हळें आनी अपेक्षेन मंगेशाकडेन पळयलें. पूण ताणें ना ना अशी तकली हालोवन म्हटलें,

'बाबा, ग्राहित तत्व चूक आसा तुमचें. कावळो सुंदर नासता. हें विधान खरें न्हय!' हें आयकून बाबा फुडें कितेंतरी उलोवपाक वतालो. इतल्यांत आवाज करीत दार उक्तें जालें. दारांत दाट कंवचेचें वकल लायिल्ली सुकून वडी कशी जाल्ली साठेक वर्सांची वायल मनीस आयली. तिणें आपलें वकल दावे चिमटेन सारकें नाकार बसयलें आनी तिगांयकडेन एकेक नदर मारीत म्हटलें,

'कोण जाय?'

'नाना ... नाना मास्तर. हांगाच रावतात न्हय?' कामाक्षेन विचाल्लें. बाईक पळोवन

ताका किनेशेंच दिसलें. गडगंज आंगापांगाची वाई सामकीं वकें कशी जाल्ली. ती वाईच की आनीक कोण असोय दुवाव कामाक्षेक आयलो.

'आसात ते. तुमी भितर येवन वसात हां. आपयतां' अशें म्हणत ती भितर गेली आनी आवाजावयल्यान कामाक्षेन आपलो दुवाव कुशीक उडयलो. ती वाईच आसली पूण तिणें कामाक्षेक वळखूंक नासली. कामाक्षेक दिसलें, मास्तर लेगीत वळखना काय कितें कोणाक खबर!

ते फर्निचर, वण्टीवयलें टिळक, सावरकर, गांधी, सुभाषवाबू हांचे फोटो, एके चलयेचो व्हडलो फोटो आनी तिचेंच एक पुराय पोर्ट्रेट. पोन्नो रेडियो आनी वण्टीवयलें टिकिकऽऽ टिकऽऽ करपी घड्याळ. कामाक्षेक दिसलें, काळ हांगा थांबला. इतलें भितर मास्तर ल्हव ल्हव चलत भायर आयले. जाण्टपण आंगभर दिसतालें. पूण चाल वरी नीट उर्बा आसली. नदर मात्शी न्हिविल्ली. पूण मुळची कडकसाण आसलीच. वळखता काय पळोवया अशें मनात म्हणत कामाक्षी उठून चार पावलां चलून मास्तरांच्या फुड्यांत वचून उबें रावलें. पूण मंगेशाक कितें जालें कोणाक खबर ताणें व्हडल्यान बोवाळ घालीत म्हटलें,

'आजोवा, हांव कालचो मंगेश. आनी ही तुमची गुणी विद्यार्थिनी कामाक्षी!'

मास्तरांचे तकलेंत खिणभर कांयच प्रकाश पडलो ना. मागीर तांणी मंगेशाक वळखलो आनी वारीक नदरेन कामाक्षेकडेन पळयत म्हटलें,

'पोरा, सामकें वदल्लें मगो तूं! तुज्या चल्याक हांवें काल कसो गर्देतल्यान वळखलो तें सांगलें मगो ताणें? हें सगळें विलक्षण हां! पूण ताका हांगचो पत्तो दिवपाक. तुमचो घेवपाक हांव विसल्लों. तरी तुमी कशीं पावलीं? वसा वसा... हो तुजो घोव मगो? वा वा! खंयच्या खात्यांत आसतात तुमी?'

'हांव शिर्विस करीना. हांवें एक ल्हानशी फॅक्टरी घातल्या उद्देगीक वसणुकेंत. वरें चल्लां. वीस जाण कामाक आसात.'

'वा वा! वसा वसा! तुमी नांव काडलें म्हणपाचें. आमी आयुश्यभर मास्तरकी केली.... आजूनय चालू आसा...'

नीं बसलीं. मंगेशान आर्दांच भितर वचून व्हडल्या झोपाळ्याचो नावो घेतिल्लो आनी आवाज करीत तो नेटान धोलतालो.

कांय वेळ सगळींच वग्गी रावलीं. मंगेशान झोपाळो सोडलो आनी तें येदें व्हडलें घर भोंवून पळयलें. फाटले वटेनच्या आंगणामेरेन तो भोंवून आयलो. घर पोन्ने आसलें. पूण गडगंज वांदावळ आसली आनी उजवाडापरस काळोख घरांत चड आसलो. ही गजाल सोडली जाल्यार घर मंगेशाक खुबूच मानवलें. भायर पावसा पाणयाच्यो गजाली चालू जाल्यो आनी मंगेशान रंदपाकुडींत वचून वाईचे खनपटीक बसून किते किते विचारून घेतलें. वाई आर्दी उलोवपाकूच तयार नासली. पूण मंगेशाली मजेशीर वडवड आयकून आनी ताचें म्हातार वागप पळोवन ती केन्ना ताचेकडेन उलोवपाक लागली तिकाय कळ्ळें ना.

च्याचो ट्रे घेवन मंगेशूच भायर आयलो. फाटोफाट वचून ताणें वाईच्या हातांतलो खाणाचो ट्रे लेगीत आपणें घेतलो आनी म्हटलें,

'कोणाक च्या आर्दी उदक जाय जाल्यार.... हां. हां. आजये. तूं बस हांगा. आन्या मास्तरा लागीं. हांव एक फोटो काडटलों तुमचो'.

'आरे. फोटो सवकास काडूं येनां! तूं आर्दी च्या घे' कामाक्षेन म्हटलें.

'नाना. सवकाशेन करतां करतां ते उरना. आजये. तूं तिचें कांय आयकूं नाका तिचें सगलें सवकास आसता.'

'बरें बाबा!' अशें म्हणत वाई मास्तरालागीं पेटयेर मदीं जागो दवरून बसली. आपलो कॅमेरा दोळ्यांक लायत मंगेशान म्हटलें,

'ॲवशन प्लीज. च्या घेतना फोटो काडटां'. तांणी च्याचीं कोपां हातांत घेतलीं.

'आनी मात्शी लागीं येयात. ना जाल्यार तुमी झगडल्यांत अशें फोटवार येतलें!' मंगेशान व्हड्च म्हटलें तेन्ना कामाक्षेन करवादून म्हटलें,

'मंग्या. चड जालें. तुजें तोंड सांबाळ!' नाना मास्तर हांसले. आनी वाई हातान आसूं दी. अशी खूण करीत मास्तराच्या लागीं येवन बसली.

'आनी कशें जालें? रेडी? घेतां हां' कॅमऱ्याचो फ्लॅश पडलो आनी सगल्यांच्या

तोंडार हांसो फुल्लो कारण फोटो काडपाच्या खिणभर आदीं मास्तरान बाईच्या खांदार हात दवरून वरें मोगान तिचेकडेन पळोवपाची पोज दिल्ली.

खिणाभितर त्या काळख्या हॉलांतलें वातावरण मेकळें आनी घरावें जालें. मास्तरान आपल्या लयबध्द पध्दतीन उलोवपाक सुरवात केली. कामाक्षी आनी गोविंद केन्ना तांच्या उलोवपांत घुम्पल्ले कळळेंच ना. बाईन ल्हवूच कूस माल्ली. आनी तिच्या फाटोफाट ट्रे घेवन मंगेश लेगीत रांदपा कुडींत पावलो. भायर खबरी रंगार येनाल्यो तेन्ना भितरय बाईक एक वेगळीच मांडणी सुचपाक लागिल्ली. झेपनासतना लेगीत मंगेशाच्या कामाक्षेच्या तोंडात पडचें म्हूण तिणें साग्र संगीत रांदपाक कंबर बांदिल्ली.

मंगेशाक तिणें लागींच्याच दुकानार धाडून सगलें सामान हाडून घेतलें. नाल्ल फोडप, कांतप, भाजी धुवप, तांदूळ धुवप, वेलचेची पूड आनी काजुबियांचे कुडके करप असलीं कामां तर मंगेशान केलींच पूण वायनार वांटप लेगीत ताणें केलें. आवयक भितर येवं नाका म्हूण सांगपाक बाईन ताका भायर धाडलो तेन्ना पळय जाल्यार तीं तिगांय उलोवपांत इतलीं गुंग आसलीं, मंगेशाकडेन कोणेंच लक्ष दिलें ना.

मदीं एक फावट कामाक्षी वेगी वेगीन भितर आयलें. तेन्ना मंगेशान ताका रांदपाकुडीच्या दारांतूच आडोवन दोनय हात दरवट्यार दवरून म्हटलें,

'नो ॲडमिशन, प्रवेश ना कोणाकूच'

'तीं कुशीक सर रे. बाई हांव विसल्लेंच उलोवपांत. कितें करूं सांग. कांतून शिनून दिंव?'

'आगो तूं पैलीं भायर चल! हो तुजो पूत आसा तितलोच पुरो हांगा. ताका सगलें येता मगो? केन्ना शिकलो गो?'

'ताका सगल्योंच गजाली करून पळोवपाच्यो आसतात!' कामाक्षेन म्हटलें आनी अदमास घेवन तें भायर वचून वसलें. भायर गजालींक नेट आयिल्लो. वर्स संकीची संवकळ आसची तसो गोविंद उलयतालो. फाटल्यो सगल्यो गजाली आयल्यो. नाका आशिल्ल्या सामानान भरून कोठयेच्या काळखा कुडीत वडयल्ली पेट कोणेंतरी उत्ती करची आनी मागीर

सगल्यांनीच ते पेटेंतल्या एकेका वस्तुफाटल्यान घुम्पून वचचें तशेशें जाल्लें. कामाक्षी हातान खूण करून सांगता आसतना लेगीत गोविंदान मास्तराकडेन रजनीची गजाल काडली आनी मास्तरानय थोडें भितर कशें किते घडलें तें सांगलें.

'म्हाका व्हडलेशें कळना' गोविंदान सुरवात केली. 'तुमी पिरायेन आनी ज्ञानान व्हड. म्हजें काय वय ना. तरी पूण एक गजाल हांव मानतां म्हाका ती पटल्या म्हूण!'

'किते तें? सांग तूं मेकळेपणान. ज्ञान हें कोणाय कडल्यान घेवचें'' मास्तरान म्हटलें.

'जीण खेळा भशेन आसता. खेळांत एक गडो आवूट जाता तेन्ना ताची सुवात दुसरो गडो घेता आनी खेळ चालू उरता. सोंपमेरेन खेळ चालू उरता. बरें, खेळटना आवट जाल्ल्या गड्याची चिंता करीत रावल्यार खेळावयलें लक्ष वता आनी खेळाची वाट लागता''

त्याच वेळार मंगेशान म्हटलें, ''म्हाल्ल्या सगल्यांनी येवन पाटार बसपाचें. बाबा, तूं म्हाका मरे सकाळीं?'' सगळीं जाणां हांसलीं. आनी कामाक्षेन दोळे मोटे केले. बाबान ल्हावंना अशी खूण केली आनी मंगेशानूय 'जेवण ना' अशी खूण केली.

'मंगेश चड जाता हां! कसले हे मोन्यांचे खेळ?'

'खेळ! हां. आतां जेवचे आदीं पानार बसून एक ल्हानसो खेळ खेळपाचो आसा. चला उठात, म्हाका भूक लागल्या.'

'हाका भूक सोसना गो कामाक्षे?' मास्तरान उठत म्हटलें.

'हय नाना, सामको आग खांव वो इंगळे खांव अशें करता तो भुकेवेळार'

'बरी भूक लागता ताका! बरें लक्षण तें! चलात, वसूंया जेवपाक न्ही?' अशें म्हणत मास्तर मान्ल्यांत हात पांय धुंवपाक गेले. मदल्या सालांत पंगतीचो सगलो थाट केल्लो लायनीत पाट पानां मांडून, रंगोळी घालून पंगतीच्या दोनूय वटांनी उजवाती लावन, देवाच्यामुखार निरंजना पेटोवन माईन आनी मंगेशान सगलें वातावरण प्रसन्न करून दवरिल्लें. मास्तर, गोविंद हातपांय धुंवन भितर सल्ले आनी हें सगलें पळयतच रावले. मास्तरान म्हटलें,

'वा वा! हें सगलें कोणे केलें? इतलें सगले जेवण, हो थाट?'

'माईन एकटेन केलं हें' कामाक्षेन म्हटलें, 'म्हाका भायर धांवडायलें'.

'ना हां, मंगेशाक लागून जालं हें सगलें. सगली मजत ताचीच जाल्या. पानांर वाडपाची कल्पनाय ताचीच. रांगोळी फकत हांवे घातल्या' माईन सांगलें.

'तशें जाल्यार आतां मंगेशालें आयक. मंगेश, माईक पानार बसय. हांव वाडटां तुमकां. जालें?'

चड अनमन करतासतना माई पानार बसली. मास्तरान निवेद्य दाखयलो. काकोळ घातली. आनी पानार बसून 'वदनि कवल घेतां...' म्हटलें. 'सवकास जांवदी सगल्यांचें' अशें सांगत तांणी सुरवात केली. चार गोंटे पोटांत वचून जीव मात्सो थाळोशी जाल्या उपरांत मंगेशान आपली खेळाची कल्पना सांगली. जण एकल्यान एक गाणें गावप ना जाल्यार ज्योक सांगप ना जाल्यार नक्कल करप. ज्योक सांगून ताणेंच सुरवात केली आनी तो इतलो गोंदळलो की तो सोडून सगलीं जाणां हांस हांस हांसलीं. मागीर गोविंदान एक पोन्ने हिंदी गीत म्हटलें. तेन्ना सगल्यांनी तोखणाय करून आनीक एक म्हण म्हटलें. ताचेर गोविंदान म्हटलें 'म्हाका हें एकूच गीत येता. तेंच हांव सगलेकडेन म्हणटा!'

कामाक्षेन मास्तरान शिकयल्ले दोन श्लोक म्हटले तेन्ना मास्तरान मान हालोवन दाद दिली.

'नाना, आतां तुमी!' कामाक्षेन म्हटलें आनी सगल्यांनी हय हय म्हणत ताची री ओडली. हय ना, हय ना म्हणत निमाणें कडेन मास्तरान एक श्लोक म्हटलो. मदींच तांकां खोकली आयली. आनी कामाक्षेन तो खणखणीत आवाजांत पुराय केलो. तेन्ना मास्तरान हात करीत वा वा म्हटलें.

'आतां पाळी बाई आजयेची! ती तुमकां एक गीत... न्हय?' मंगेशान न्हय हें ल्हव आवाजांत आजयेच्या कानांत सांगचे तशें म्हटलें. तीन चार वरां भितर बाई आनी मंगेश हांची इतली संवकळ जाल्ली पळोवन कामाक्षेसकट सगल्यांकूच अजाप जाल्लें. बाई तशी अघळपघळ उलोवपी न्हय. पूण मंगेशाकडेन ती सकाळसावन सारकी वडवडत आसली. आनी मंगेश तर आपली हक्काची आजी आसची तशी एकेक गजाल मागत सुटिल्लो.

'आजये. आतां म्हण न्हय!' मंगेशान नाक वांकडें करीत म्हटलें.

'म्हण म्हण! सुचना जाल्यार हांव सांगता. किते रे मंगेश, तुजी आजी आदीं कविता करताली हां" मास्तरान सांगलें.

वाइंन हें आनी किते सुग्गोपण अशा अर्थान मास्तराकडेन पळयलें. मंगेशान उचंबळ जावन म्हटलें,

'कितें? कविता? तुजीच कविता म्हण तर!'

'म्हण तूं. तो तसो सोडचो ना तुका!' मास्तरान सुचयलें.

'तुवें केल्ली ती तुमच्या भाटांत गवपी शेतकाराची म्हण तूं!'

'शी ऽऽ तें विडंबन गीत आसलें एक'

'ना ना म्हण तेंच तूं आजये' मंगेश खुनपटीक बसलो आनी आजयेन बरो अं करून आपणाक जायतो सूर लायल्या उपरांत मटीं मटीं थरथरपी आवाजांत आपलें गीत म्हटलें.

रायालीं सर्वय सुखां खोंपटे आंगणां ॥धृ॥
वाव शितळ व्हांवता व्हाळ
पाश्टांतल्यान पावस येवन
भरता आयदणां ॥१॥

वर्सायेक पायणे हांगा
देवाली देण न्हयगा
तोण दितलो हात दिता
कित्याक काटुकपणा ॥२॥

दोगांयजणा गाळटा हूम
पोरांतारां पेजे कुयण
धोल्क्या तालार रानचीं सुखान
काणचीं भजना ॥३॥
रायाल्यी सर्गसुखां खोंपटे आंगणा॥

सगळेंजण बाईचें सुरेलपण तिच्या आवाजांत आसलें. पद सोंपलें आनी बाईलें टेवणाय थंयच थांबलें. खूब वेळ कोणूच उलयले ना. मॅरेश लेगीत. बाईचो आर्त आवाज सगळ्यांच्या कानांत सादत आसलो.

मास्तरान अजापान बाईकडेन पळयलें. रजूचे वडगुके उपरांत केन्नाच तिच्या तोंडार असो हांसो फुलूंक नासलो.

❑ ❑ ❑

रस्तो

गोंय स्वतंत्र जाल्यावर जायते गोंयकार , गोंयाभायर रावताले ते गोंयांत रावपाक येयले . ताच्यांतलोच एक आमच्या गांवचो सुपुत्र कॅप्टन बाळासायब नायक . मिलिटरींतल्यान तरणे पिरायेर पेन्शन घेवन बाळा आपले जमनीच्या मोगान ओडून येवचो तसो येयलो आनी आमच्या सुस्त न्हिदून पडिल्ल्या गांवान मानशी [illegible] . आमच्या गांवांत पयलें झेंडावंदन , पयलें भाशण बाळान केलें . लोकांनी भाशण आयकलें . ताळ्यो वाजोवप हें लोकांक कांय जाणांक खबर नासलें . गांवाखातीर उदकाची सोय [illegible] जाय . शाळा जाय . रस्तो जाय . वैजकी सेवा जाय अशें तो आपल्या भाशणांत उलयलो . लोक आयकून घेवन आपापल्या घरा गेले . गांवच्या तीन झरींची आनी [illegible] उदकाची [illegible] देखरेख बाळान केली . पियेवपाच्या उदकाची नितळसाण राखपाखातीर वेगळी तजवीज केली . हें सगळें लोकांनी आयकून घेतलें आनी खंयचोच विरोध करिनासतना त्यो येवजणी चालीक लागल्यो . पूण जेन्ना वयल्या वाड्यार रस्तो करपाचो प्रस्न बाळान लोकांमुखार मांडलो त्या वेळार वयल्या वाड्यावयल्या सात घरां भितरल्या पांच घरांनी खूब विरोध केलो . सगळे घर आसलें देवळ्यालें . तणीं रस्त्याक आपणाली मान्यताय दिवंक [illegible] आपणाली जमीन रस्त्याखातीर गेली म्हूण तांची कांय हरकत आसची ना अशें [illegible] दिलें . मात्शा म्हळ्यार गांवांतल्या भाटकारांत सगळ्यांत गरीब म्हळ्यार उणो [illegible] आसलो . [illegible] आनी तिमाणें घर बाळलेंच आसलें . सकयल्या वाड्यावयल्यान वयल्या घरांमेरेन रस्तो करतलोंच अशें बाळान उलोवन दाखयलें . तो सरकाराकडेन रस्त्याखातीर खटपट करता हें आयकून वयल्या वाड्यावयल्या पांचूय भाटकारांचें पित्त [illegible] . काल पयर गांवांत आयिल्लो हो पोर आमकां शाणपणां सांगता ? कॅप्टन जालो म्हूण कितें जालें ? असो सूर तांणीं लायलो . शामूकाका आनी गुणेवाव हे वयल्या वाड्यावयले

दोन खडेगांठ खडपां. दोगूय झगडाळ आनी एकामेकांचे दुस्मान. तांची अर्दी इदाद देमांदांनी गेल्लीं. ताणी तरतरांची आडमेळीं हाडपाक सुरवात केली. काजींचे दोंगर आनी हेर झाडां वाटेक लावन आमकां रस्तो नाका. रस्तो जाल्लेवरावर तरातरांचे लोक ह्या वाड्यार पावतले, मागीर चोरयो वाडटल्यो: पिड्डुककार, आयस्फूटकार न्हय न्हय तसले पसरकार गांवांत भोंवपाक लागतले. मागीर बायलां भुरग्यांक घरांतल्यान भायर सरपाक भिरांत दिसतली. रस्त्याच्या धुल्लान काजू आनी सुपारेंचे पिकावळीक तरातरांची धाम लागतली. असल्यो कितल्योशोच गजाली तांणी गांवभरच्या लोकांच्या कानार घातल्यो. सरकारा मेरेन ह्यो कटकटी गेल्यो आनी निमाणेकडेन सरकारान ह्या रस्त्याची येवजण कुशीक वडयली. वयल्या वाड्यावयलो रस्तो जायना ही वदंता गांवभर जाली. सकयल्या वाड्यावयल्या तीसचाळीस घरांक ह्या रस्त्याचें कांयच पडूंक नासलें. वाळपय सावन थंय मेरेन म्हळ्यार सादारणसो रस्तो आसलोच. व्हाळांक पूल नाशिल्ल्यान पावसांत गांवांत गाडी येनासली. पूण प्रस्न आसलो तो फकत वयल्या वाड्यावयल्या सात घरांचो. वयलो वाडो सकयल्या वाड्यापसून बरो अडेज तीन कि. मी. पयस आसलो आनी तीग दोंगुल्ल्या मदल्यान दोन व्हाळ आनी तीन व्हाळकुटी हुंपून थंय पावप त्या वेळार मोटें कठीण काम आसलें. वजें घेवन चलपाचो प्रसंग. अनवळखी मनीस आनी तें भायर ती जर काळखी रात आसत तर मागीर आनीक काय व्हयां म्हाज्या झिला!

वयल्या वाड्यावयल्या लोकांक एकटुकेपणान रावपाची सवंयूच जाल्ली. ती देगणावयली आनी व्हाळांच्या खांचींतली वाट तांकां संवकळीची जाल्ली. कुळागरांनी आनी भाटांनीं कामां आसतालींच. गिमांत काजी पिकले उपरांत तर उसरपत नासताली. काजू, पणस, आंबे, घोटां, भिण्णां सगळें आदापन करतां करतां लोक खर्शेताले. पावसाचे सादारण तिनेक म्हयने मात्सो सुसेग आसतालो. चडूच वाज येयल्यार कोणा एकल्यागेर इस्पिकांचो खेळ दवरताले. बरो सणसर्णीत चण्यारांस आनी तांदळांच्यो भाकऱ्यो मेळ्ळयार त्या वेळार हे लोक रातीच्यो राती इस्पिकांनी खेळत बसताले. न्हय न्हय, तसलो खेळ न्हय. सादो. जिखतल्याक इस्पिकेंतलीं तांबडीं पानां आनी हारतल्याक काळीं पानां मेळटालीं. एकामेकांक व्हडल्यान कुकारे घालून आपयताले आनी सादारण रातच्या साडेणव धा मेरेन खेळ सुरू

जातालो. बरो रंगल्यार फांतोडे मेरेन चलतालो.

ते रातीं लेगीत अशेंच फांतोड मेरेन इस्पीक खेळून गेले निमाणें शाणूकाकागेरूच जिखले. हेवटेन खेळगडे न्हिदले आनी तेवटेन वाळान आपले मिलीटरी पध्दतीन आपल्या 'ऑपरेशन डोझर' मोहिमेक, सगळे जाण घाल आसाशे पळोवन अकस्मात सुरवात केली.

ती गजाल अशी जाली. पावसाचे दीस म्हूण कांयच उपाय नासलो. हातार हात दवरून वाळा दोन तीन म्हयनें वगी आसलो. पूण व्हाळाचें उदक उणें जालें तें पळोवन ताणें आपली 'ऑपरेशन डोझर' कारवाय हातांत घेतली. पयलीं वयल्या वाड्यावयल्या जण एकल्यागेर वचून ताणें आपूण डोझर हाडटलों हें तांकां सांगलें. डोझर म्हळ्यार कितें अशें सगळ्यांनीच विचारलें. वाळान सांगलें, तें एक मिशीन जमीन सारकी करपाचें.

'तें कित्याक हाडटा? खंय हाडटा?'

'म्हजे जमनींत हाडटां. जमीन नितळ करपाक!'

'हाडटलो कशें? उखलून?'

'पळोवया!' अशें म्हणून वाळा वगी रावलो. हे सगळे जाण एक फावट गुणेबाबागेर अशेंच इस्पीकांनी खेळटा आसतना ताणें परतून एक फावट सगळ्यांक विचारलें. सगळ्यांनी वाळाच्यो फकाणां मारलीं. आपलें पांय धडपणान घेवन चलप हें वाटेन जमना आनी हो मिशीन हाडटा. बहु बावड्डो! सगळे जाण हांसले. इस्पीकांनी खेळना म्हूण तांणी वाळाची फकाणांच मारलीं आनी ती गजाल ते विसरून गेले.

त्या दिसा तिनसांजे जातना वाळा वाळपयच्यान येतनाच डोझर घेवन येयलो. डोझराच्या रोंरों आवाजान सकयल्या वाड्यावयलीं सगळीं भुरगीं धांवून येयलीं आनी तांणी डोझर वता आस्पार धांवचल्लो थंय पयसुल्ल्यान एक कोंडाळें कशें केलें.

कांय जाणटे लोक लेगीत डोझर पळोवपाक थंय पावले. ड्रायव्हर आनी वाळा थंयच्यान गेले उपरांत भुरगीं लागीं आयलीं. तांणी हात लायन ती हळडुव्या कोरची विचित्रशी, गव्यारड्याभशेनची वस्त सांरापून पळयली. भिरांत इल्ली उणी जाले उपरांत सगळीं भुरगीं वयर चडून सिटार, दांतूय पट्यांर, फुडल्या खोर्यांत बसलीं. कांय जाणांनी डोझराच्या

खोऱ्याचे दांत हालोवन पळयले. कांय जाणांनी दिवे पेटोवपाचो यत्न केलो. तांच्या आवयांनी तांका हाताक धरून ओडीत व्हर मेरेन तीं भुरगीं थंय आसलीं. त्या दिसा तांकां ती नवी वस्त पळोवपाक, सांसपुपाक मेळ्ळी. काळखांत लेगीत त्या दिसा तांचे दोळे लिकलिकताले. खूबशा जाणांनी त्या दिसा सपनांत तो डोझर बरो झेतान चलयलो आसतलो.

ते रातीं सादारणशें चान्नें आसलें. त्या उजवाडांत बाळान ड्रायव्हराक तो सगळो वाटार दाखयलो. बाळा लेगीत तसो गांवांत नवोच. पूण ताचो भागेली रामगो वस्ताद आसलो. त्या वाठारांतल्या सगळ्या थिकाणांनी आनी भाटांनी काम करतां करतां तो ल्हानाचो व्हड जाल्लो. शिमेचो निसान नीस ताका खबर आसलो. 'उण्यांत उण्या त्रासाभितर कसो रस्तो जांव येता तें नोटेशन मी दाखयतां तुमकां!' अशें म्हणत रामग्यान आंकडेचो कोयतो काडलो आनी सरी वेणीत फुडें सरलो. ताणें वेणून काडिल्ले वटेन ताचे फाटोफाट बाळा आनी ड्रायव्हर सिताराम चलत रावले. ते बाळागेर पावले तेन्ना रातची इकरां वरां जावन गेल्लीं. बाळाची म्हातारी आवय पडवेर लापयांव दवरून वणटीक तेंकून वाट पळयतां पळयतां न्हिदिल्ली. जाग येतकीच ती मात्शी भियेवन उठली. एकटुक्या घरांत रावपाची तिची सवंयूच गेल्ली. बाळाच्या हटाक लागून ती सगळें सोडून परती गांवांत येवन राविल्ली. तिणें चिंतेस्त सुरांत विचारलें,

'बाळा, केदी रात जाली! खंय आसलो? आदीं सांगोन कित्याक वचना पापया!'

'आवय, त्या रस्त्याच्या कामाक लागून लेट जालो. हो सिताराम. डोझर चलयता तो!'

ती कांयच उलयली ना. मातशा वेळान तिणें तीन ताटां हाडलीं. बाळाचें ताट बाळाच्या जाग्यार, रामग्याचें ताच्या जाग्यार आनी नव्या पावण्याचें एका वेगळ्याच जाग्यार दवरलें. बाळान आपले सदचे सवंयेक धरून रामग्याचें ताट आपले उजवे वटेन पंगतीक ओडून घेतलें आनी सितारामाचें दावे वटेन घेतलें.

'आतां ही पंगत सारकी जाली' अशें म्हणून ताणे दरवट्यार उबे आशिल्ले आवय कडेन हांसून पळयलें.

'कॅप्टन सायब, आतां सुरवात करात!' अशें आवयन म्हटलें, आनी तीय हांसली, तेन्ना कॅप्टन वाळा अजापभरीत जालो. खरे तर आवयक दुसरे जातिच्या लोकांक पंगतीक घेवप आवड नासलें. आपली आवय आजूनय सारकी बरी आपणाक समजूंक ना, अशें मनाकडेन म्हणत ताणे उंडी घेतली. तांचे पंगतीक जेवतना सदां भशेन रामगो खांकुडपाक लागलो तेन्ना ताणे सदांभशेन ताचे मांडयेर पोकें थापट ठो करून मारलें आनी रामगो हा हा करून हांसलो.

दुसऱ्या दिसा झिळमिळटना कॅप्टन वाळाचें ऑपरेशन डोझर सुरू जालें. सिताराम आपल्या कामांत खांपो गडो आसलो. जाता तितलीं झाडां वाटावपाचो तो यत्न करतालो. तरीय आसतना कांय काजी लंवडुच्योच पडल्यो. फटफटीत उजवाडटा मेरेन सितारामान दोन पालसणां मानशीं खणून सानाठ काजी, आंबुल्यो आनी हेर झाडां कुर्शाक काडून बरो एक उलोभर रस्तो तयार केलो. पूण म्हणटा म्हणसर सगळो वयलो वाडो धडपडत जागो जालो. शाणुकाका, गुणेवाव आपापली पुडवीं सांबाळीत पालसणांत आवाज जाता ते दिकेन धांवले. तेवटेन आवींकाका, दामोदर आनी तेचे चारय झिलगे, हेवटेन नारो आनी तेची झगडाळ वायल गाळींचो शिंवर करीत डोझराचे दिकेन वचपाक लागली. सकयल्या नानूली म्हातारी लेगीत वडी तेंकयत हाप हाप करीत देंगण चडपाक लागली. खरें म्हटल्यार तिची घरांत गरज आसली. तिची भरलेल्या दिसांची सून घरांत कश्टावताली. जायू वैजिणीक आफोवपाक पलतडच्या वाड्यार मानाय गेल्लो आनी तिचो पूत नानू, वायलेक धरून बसलेलो. तिका थातारतालो.

'हें आतां बंद कर. बंद कर तें मिशीन!' शाणुकाकान व्हड्या आवाजांत म्हटलें आनी डोझरामुखार वचून तो उबो रावलो. तें पळोवन सगळेजाण फुडें सरले आनी थंय उबे रावले.

'पळोवयां आतां. वाळा, तूं आसा आनी आमी आसात!'

'पूण तुमी म्हाका डोझर व्हरपाक मान्यताय दिल्या.'

'पूण असो रस्तो करपाक दिवंक ना. झाडां कात्रूंक दिवंक ना.'

'चार काजींचे रोंप कापचे पडल्यात. व्हडलीं झाडां तोडूंक नात.'

'शाणपणां नाकात. देंव सकयल रे तूं' अशें म्हणून कोणेतरी सितारामाचो हात धरलो. तो मोन्यांनी सकयल देंवलो.

'होर्या होर्या' सगळ्या तरनाट्यांनी हुश्श घातली. ती हुश्श आयकून वाळाचें पित्त खवदळ्ळें. दांतवोंठ खायत तो डोझराचेर चडलो आनी एकदम रेस करून फुडलें खोरेंच ताणें वयर उखल्लें. त्या आवाजाक भियेवन कांय जाण फाटीं सरले, कांय जाण पळून गेले. ती संद सादून वाळान कमकमायत रों रों आवाज करीत डोझर रानधुकराभशेन घसघसायत फुडें काडलो. एका पोतान सगळे कुशीक सरले आनी तरांतराच्यो वेंचीक गाळी घालपाक लागले. पूण त्या डोझराच्या आवाजांत आपलेंच आपणाक आयकूंक येना जालें. निमाणें ते सगळे वरें सादभर कुशीक वचून भासाभास करपाक लागले. शाणो गुणो त्या वेळार लेगीत झगडले. निमाणें एका घरांतलो एक अशें पांचजाण पुलिशांत केस करपाखातीर वाळपयची वाट चलपाक लागले. उरलेले कांयवेळ हेवटेन तेवटेन पळयत रावले. चार गाळी मारल्यो आनी निमाणेकडेन भूक लागली म्हूण भाकरी खावपाक आपापल्या घराकडेन गेले.

सगळे गेल्याशें पळोवन सितराम परतो वयर चडलो आनी ताणें रामग्याच्या पाल्वान तीं पाल्सणां आनी दोंगुल्ल्यो गव्यारेड्याभशेन किरावपाक सुरवात केली. तिडक आयिल्ले वरी तें इंजीन आवाज करीत रावलें आनी आडवी येता ती वस्त चिड्डीत माड्डीत फुडें वचत रावलें. दनपारां वरभर त्या तिगांनी आनी मिशिनान मातसो सुसेग घेतलो. म्हणटा म्हणसर कोणेतरी खबर हाडली, पुलीशेची जीप येवपाची आसा. पुलिस येवपाचे आदीं डोझर व्हरून वाळाल्या घराक लावपाकूच जाय अशी होलट रामग्यान कोयतो हातांत घेवन मारली. तीं उतरां आयकनाफुडें सिगार ओडीत पणसाच्या पाळार तकली तेंकोवन विसव घेवपी सितराम उठलो आनी तेणें इंजीन सुरू करून पोखरपाक सुरवात केली.

सांजचीं पांच वरां जायसरेन जिवाच्या आकांतान सितारामान काम केलें. रामग्याल्या कोयत्यान विसव घेतलो ना. वाळान आपलें सगळें शाणपण कसाक लावन चडांत चड झाडां वाटायलीं. निमाणें कडेन तो रस्तो सामको वचून वाळाच्या खळयाक लागलो तेन्ना रामग्यान व्हड्या आवाजांत बोवाळ करून आवयक आपोवन हाडली आनी सांगलें,

‘वाळा आवय! जालो हां रस्तो! हो पळय... दारांत पावलो!’

इतलें म्हणसर पुलीसांची जीप वयल्या वाड्यार येवन पावली. नव्या रस्त्याचें उद्घाटनूच करपाक आयिल्लेवरी ती सोर्दीन सोर्दीत वाळाच्या घरामेरेन पावली. पुलीसांची जीप पळोवन आवय काचावूल जाली. रामग्याची दांतखिळी बसले भशेन जाली. बाळान आपलें कार्ड दाखयलें. तांचे वांगडा येवपाची आपली तयारी आसा हेंय सांगलें. म्हणसर बोंवाळ करीत दोग तीग जाण धांवत येतात तें दिसलें. सगळ्यांत फुडें नानू आसलो आनी तो सोंपलें सोंपलें अशें म्हणत, धापेवन धांवतालो.

‘सायब. सायब. उप... उपकार करात.... म्हाजी बायल मरता तिका मातशी वाळपय पावयात... भुरगें आडवें आयलां!

जीप येयली तशी गेली. दोन पुलीस वाळाची जवानी बरोवन घेवपाक लागले. शाणुकाकाल्या मानायान येवन वाळाक सांगलें. ‘वाळाप्पा. तुका शाणूकाकागेर आपयला. थंय मिटींग आसा’. कांय उलयनासतना वाळा तांचे बरावर गेलो. थंय वयल्या वाड्यावयले चडशे सगळेजाण आसले. तांणी सकाळची तिडक काडली. सगळ्यांनी वोड काडून वाळाक तापयलो. कॅप्टनकी वयर काडली. दादागिरी करता? कायदो हातांत घेता? अशें उलोवपाक लागले. वाळान नमळीकायेन म्हटलें. ‘म्हजी चूक जाली.’ ते वगवर लोकांक आनिकूय नेट चडलो. सगळो बोंवाळ जालो. वर देडवर अशेंच गेलें. काळोख जालो. व्हडल नानूले बायलेक घेवन गेल्ली पुलीसांची जीप परती आयली. सगळ्यांत पयलीं नानू उडकी मारून देंवलो.


‘चेडूं जालें म्हाका. चेडूं जालें. साकर वांटात, बर्फी वांटात’ तो धांवतच वाळाकडेन येवन पावलो. म्हणपाक लागलो. ‘कोणतरी साकर नाजाल्यार गोड. कितेंतरी हाडात वेगीन!’ ‘हो घे गोडाचो डबोच हाडलो!’ अशें म्हणत शाणूकाकालें बायलेन हांसत हांसत गोडाचो डबोच हाडून नानूच्या हातांत दिलो.

‘पयली गोडाचो खडो वाळाप्पाक! वाळाप्पाक लागून आयज म्हजी बायल आनी चली म्हाका मेळ्ळीं. घे वाळाप्पा, देव शंबर वर्सां जगोवं तुका. ही केसर्वीस सगळीं फकाणां. आमकां रस्तो जाय आनी तो तुवें करून दिला.’

□ □ □



कावून व्हेऽऽलेऽऽ



तचो हातरूणार पडतकीच तो दिस, ती रात भोंवतणी घुंवपाक लागता. मागीर त्या दिसा मळवांतली सगलीं कुपां खंयच्या खंय नाशींय जालीं. सांजवेळारूच आमच्या घरांत चान्ने अचळय देंवलें. साळोरेच्या पाखट्यांनी पिलावरी जावन त्या दिसा हांव उवेक वग्गी पडून रावलो... श्वास-उस्वासांनी ती ऊब अणभवत...

...मागीर त्याच दिसा रातीकडेन तें सगलें... परती एक फावट सगळ्या घडणुकांची विस्कटावणी करूंक जाय. रानी फाटल्यान राती उक्त्या दोळ्यांनी भुताभशेन एकटुक्यानी सारतना मनाक कितें तरी वावर दिवक जाय. म्हज्या मना जा दोतोर आनी कर त्या रातीच्या सगल्या घडणुकांचें शवच्छेदन. हय पोस्टमार्टेम करपाकूच जाय त्या रातीचें आनी ह्या मनाचेंय. फिशाल दोतोरा भशेन शम्त्रां चलोवन मनांतलो सगळो घुस्पा गोंदोळ सोडोवंक जाय. वेळ पडल्यार दोन नसो कापून उडोवंक जाय. गरज पडल्यार मनाचो इल्लो कुडको कापून उडोवंक जाय. तशीच वेळ आयल्यार सगलें अख्खें मनूच कात्रून काडून उडोवंक जाय. घडये ताका लागून ही जीण मात्शी सोसूं येता इतली जायत...

... परती एक फावट सगल्या घडणुकांची विस्कटावणी करूंक जाय. पूण फुडलें फाटीं. फाटलें फुडें अशें जाता. खंयचें आदीं आनी खंयचे मागीर हंय कळना. फाटलो काळ, फुडलो काळ, चालू काळ सगलें सरभरस जाता. सपनांतल्यान जाग येवन उठून पळय जाल्यार उठप हेंच सपन आसता!

.... त्या दिसाची सारकी याद आसा. कसल्यातरी साद्या कारणाक लागून दिवाळे आदीं चार दीस ही म्हजेकडेन झगडल्या... जांव आमचें झगडें जाला म्हणूंया. सदच्यो सगल्यो ट्रिकी करून पळयल्यो. ही कशीच वदना. दिवाळी सामकी येवन तेंकल्या. ही हूं

का चूं करीना. निमाणो आनी रामबाण उपाय मागीर हांव त्या दिसा करतां... हय, आमच्या घरांन अचळय चान्नें दॅविल्लें त्याच दिसा... घरच्यान सदच्या भशेन कामाक म्हूण भायर सरतां. घरांत कांयच सांगीना. उलवणें बंद आसल्यार लॅगीत म्हत्वाचें कितेंय सांगपा पुरतें आमी तोंड उघडतां... वाऱ्यार सोडून दिवचें तशें एक वाक्य सोडून दिवपाची आमची पध्दत आसा. न्हय आशिल्ली. ऑफिसांत फोन करता. त्या दिसा कॅज्यूअल लीव्ह घेतां. सगळीं कामां मनासारकीं जातात. मागीर ऑफिसांत वचून पंद्रा दीस लीव्ह पास करून घेतां. ट्रॅव्हल ॲजंसी गांठता. टूर प्रोग्रॅम थारायतां. विमानाच्यो तिकेटी मेळयतां. फावोरान फ्रॅंडाकडल्यान कॅमेरा हाडटां. सगलें जाग्यार घातल्या उपरांत हांव तिच्या खासा घोस्ताच्या ऑफ व्हायट कोराची प्यूअर सिल्क साडी घेतां. सोनू आशूक कपडे-बूट घेतां. आशूक गेम जाय आसता तो घेतां. झगडीं नाका म्हूण सोनूकय एक तसलोच गेम घेतां... तरी आसतना झगडीं हीं जातलींच... 'आनी तुका कितें घेतलां? आं? कांयच ना मरे? म्हाका खबर आसा तुजो सभाव....' अशें ही खात्रेन म्हणटली म्हूण म्हाका डझनभर लॅस घेतां. अशें सगलें टाकटीक करून हांव चारांकूच घरांत रिगतां. रिगतांच जेवणाचो डबो जेवणासयत खंयतरी उडो ही याद जाता आनी वेळ पडल्यार कितें बंडल मारप हाचो विचार करीत हांव बूट काडटां. भुरगीं खंयतरी शेजरा गेल्लीं जावंक जाय... बरी गजाल... इल्लें ग्वातंच्य घेवपाक मेळटलें हिका मनयतना. खरें सांगपाचें जाल्यार हें मनवपाचें, राग काडपाचें काम म्हज्या भोव घोग्ताचें. हिका मनयता आसतनां म्हज्या आंगातल्या विंगड विंगड कलांक मान्शी संद मेळटा... हांव कामाक लागच्या पैली वांगीक सारिक गजाली सांगून वातावरण निर्मिती करतां. मागीर भुरग्यांचे कपडे-बूट गेम्स... सगलें दाखयतां. उमळशिकेन तांचेविशी उल्यतां .. ही फकत एक नदर वयर करून पळयता आनी आपल्या कामांत गुल्ल जाता. रांदचे कुडींत कसलें इतलें काम करीत रावता कोणाक खबर! 'अब हम पेश करते है हमारा एकदम नया आयटम यानेकी प्यूअर सिल्क मॅजिक.... स्पेशल इफेक्टस् वाय ऑफ व्हायट कलर' अशा गजालीक जी वदना ती वायलच न्हय. ओंटांचे कोनशे रूंद जातात आनी नदर थिरतायेन साडयेर पडटा. पूण परतें काम चालू... सुरी आनी ताट मुखार घेवन फ्लॉवर सुटो करपाचें काम चालू करता. आतां म्हजें पित्त मात्शें खवळटा.

'आं? कोणाखातीर? हांव म्हणटां कोणाखातीर हाडल्या ही इतली उंची साडी? म्हाका न्हेसपाक? आं? नाका न्हंय? नाका न्हंय तुका? ही घे मारता शेंवटून भायर...?'

अशें म्हणून किचनात बसला थंयच्यान साडयेचें पार्सल भायर हॉलांत शेवटून मारतां... खरें म्हळ्यार जनेलांतल्यान भायर मारपासारकी तिडक आयिल्ली. पूण म्हटलें भायर सदासर्वकाळ शेजाऱ्यांली गाय पडिल्ली आसता. पार्सलासकट साडी खावन उडयतली...

... ती उट्टा. पार्सल हाडून परतें हांव बसलां थंय डायनिंग टेबलार दवरता... एक फावट म्हज्या नदरेक नदर दिवन परती काम करपाक लागता. तिडकीच्या नेटाभितर सुरी तिच्या बोटाक लागता आनी दोन थेंब रगत येता. सूंऽ सूंऽऽ करीत ती हात झाडटा. हांव तिचें बोट तोंडात धरतां.

'पळयलें? सुरी लागली. लक्ष खंय आसता?'

'सुरी आदोळी लागताच. सदचेंच तें. सदां तें तुमच्या लक्षांत तरी येता?'

'सदां हांव खंय किचनात आसतां... चल कितेंतयरी लावया बोटाक.'

'कांय गरज ना'.

'म्हाका आसा!'

'तुका आयज गरज आसतलीच!'

'आयजूच कित्याक?'

'आयज मस्को मारपाचो आसा म्हाका म्हूण!'

'कित्याक तर? म्हाका कसली गरज मस्को मारपाची?'

'ना मरे? ना मरे?' अशें म्हणून हात वोडून घेवन ती पैस वचपाक लागता. परतें हांव बोट तोंडात धरतां. एका हातान तिकाय धरतां आनी तशींच, बोट तोंडात आसतनाच तिका वोडून भायर व्हरतां.

'ही बॅग उगड म्हजी आनी पळय कितें हाडलां तुका तें. तुका आवडटलेंच. आवडपाकूच जाय... जाय जाल्यार बेट मारूया.'

तिच्या मुखामळार पैलेच फावट मात्शी खोशी दिसता. बॅग एका हातान उगडपाक येना. हांव ती उगडून दितां. खीण चार खीण ती विमानाचे तिकेटींकडेन पळयत रावता. मागीर म्हज्या तोंडातलें बोट वोडून काडून झपय मारून दोनाय हातांनी तिकेटी धरून ल्हान भुरग्या भशेन नाचयत,

आवयसऽऽ विमानान वचपाचें? सगलें थल्लें?'

'मार्गीर? दुखाव आसा काय कितें तुकां?'

[illegible] जालें? [illegible] जालें?'

[illegible] भरा!...'

[illegible]

चार? आयच्या एका दिसा जमयलां हें सगलें!

[illegible] तेंन [illegible] की...

[illegible]

[illegible] पळोवया तोंडात. कितें आसा?'

[illegible] सेर!

[illegible]

'जेवपाक विसरलो!' खरें मूं?'

'हय तें खरेंच... पूण आयज मात्शें चडूच जालें.'

'कितें?

आयज डवाय विसल्लो खंयतरी

[illegible] करतां.' अशें म्हणून म्हजो कान वोडलो.

[illegible] फाटल्यान हांव ल्हान भुरगोसो जावन.

[illegible]

देडपांच! ही वरां सांगपाची पध्दत सायूचीच. अशी सायूची याद खिणाखिणाक जाता. सायू बगर जीण हो विचारूच केन्ना मनाक शिंवलो ना. सायू-सोनू आश्विनी हांचोच विचार ह्या वर्सांनी तकलेंत आसतालो. संसाराच्या गोड, म्होवाळ पागांनी हांव इतलो ह्या वर्सांनी घुस्पून गेल्लो कीं केन्ना असो विचार लेगीत मनाक आफूडलो ना कीं फाल्यां समज कितें अरिश्ट आयलें जाल्यार... पुण संसार वाटेवयल्यान चलतां चलतां अशें एक मोड आयलें कीं.....

भायर रस्त्यार कसलो तरी व्हड आवाज जालो. कसल्याशा इंजिनाचो फूल रेस जावन उरिल्ल्याचो आवाज जांवये. तो आवाज चडत गेलो. कसलो आवाज व्हो? ॲक्सिडेंट जाला काय? उठून पळोवपाक जाय.... आवाज वाडत वता. रों रों आवाजान तकले भितर कितेंतरी जाता. तें जावपय जिवाक वरें दिसता. केन्ना केन्ना घड्याळीची टिकटिक जाव पायांर पांय वडोवन हालयत रावपांतली लय बरी दिसता. एक तंद्रीशी लागता. केदोळ सावन उजवाडाची एक कीट फॅन भोंवता ताज्या पात्यांर पडून कापत आसा. पायांर पांय वडोवन हांव ती कीट धोलयत रावलां. उजवाडाची कीट पात्यांवांगडा धोलत रावल्या. पांय हालयतां हालयतां हांव पळयत रावलां. टेलीफोनाच्या सरये वयल्यान उदकाचे थेंब ल्हव ल्हव फुडें सरतात. खिणभर सूर्याच्या किरणातले सप्तरंग आंगभर माखून लक् करून लिकल्किनात आनी फुडल्याच खिणाक टप करून जमनीर पडटात. थेंब्या फाटल्यान थेंबे... थेंब्या फाटल्यान थेंबे... एक एक खीण जाणविकायेच्या पटलार.... जीण म्हटल्यार कितें? काळ आनी जीण चालू आसता. घड्याळीचे कांटे भोंवतात. खिणाक जोडून खीण येता. दीस आनी रात सोंपता हें खिणाकडल्यान खिणामेरेन जगप हेंच खरें? जालें तें जालें म्हणप सोडून दिवप आनी फुडलें कांय चिंतप ना... कित्याक तर तें नासता कोणाच्या हातात? खऱ्यांनीच आसता कितें आमच्या हातांत काय? हात पांय धाडावपाचे. सपना आनी हावेस. उर्बा आनी कितें कितें... खंयच्यान तरी सूं्ऽ करून बाण येवप. कावार.... मागीर पोस्टमॉर्टम कुडीचें आनी घडणुकांचें.....

'ए, मात्सो ऊठ पळोवया. सोनूचें पोट फुगलांशें दिसता?' सायू बोवाळ करता. तें म्हाका सपनांतल्या भशेन आयकूपाक येता. सायू म्हाका धरून हालयता पूण हांव न्हिदेक इतलो गाढ केन्ना सावन जालों? शेवण्याभशेन म्हजी न्हीद शिटूक. उरफाटें सायू कुंभकर्णाचो

अवनार. म्हाका चट करून जाग येना. पूण त्या दिसा आयली ना.

'आरे आयकुपाक येना? भुरगें तळमळटा. पोट फुगलां'.

'आगो. फुगलां जाल्यार भितर व्हर. कितेंयतरी पाचक दी पियपाक. फुगडी कित्याक घालता? आशू उठतलें!' हांव नेटान सांगता. आश्विनीक लागी घेवन थापटितां. तिडकीन कितें तरी फडफडें घालीत सायू भितर रांदचे कुडींत वता. फाटोफाट हूं हूंह करून रडत सोनू वतासो दिसता. हूं हूं आवाज हांवे आयकला मागीर म्हाका झांपडी लागता... कितलो वेळ? खिण भर? दोन खीण?... कशें कळटलें? सगळे खीण सारक्याच लांबाये रुंदायेचे आसता थोडेंच! मागीर तो सगळो आकांत एका खिणाभितर जाला जावंक जाय. पयलीं सायलीची व्हड्या आवाजान किळांच आयकून उठतनाच म्हज्या आंगार कांटो फुल्लो. हें कितें. कित्याकूच भिता. आसतलो हुंदीर बिंदीर असो विचार मनांत येता आसतना सोनूचो व्हडल्या आवाजांतली बोबाट .... मम्मा.... मम्मा... आतां अंदिल्ल्या गळ्यातलें ते उतर काळजांक पळय तासतना फाटीक लागता 'मम्माऽ मम्माऽऽ....' धडपडत आपटत जाता तितलो वेगीन हांव घरांत धांवपाक सोदता पूण पावचना... धांवता धांवता.... पावचना. कितलें खिणां आदींच पावलां जावंक जाय. पुण ताच्या आदींच सगळें सोंपून गेल्यासारखें जाल्लें. किचनाचें अर्दें उगतें दार, गॅसाचो वास आनी कूडभर उजोच उजो. मदीं दोगां दोन ज्योतीं कशीं एकमेकांक घट्ट कवळून सायू आनी सोनू. सोनूच्या कपड्यांचो उजो पालोवपाक सायू धडपडटा. सायूच्या अख्ख्या आंगाचो पेटून वात शी जाल्या. म्हज्या गळ्यामुखार आसतात. हांव कांयच करीना?... कितें करतां? करतां कितेंय तरी. आंगावयलो उजो पालोवंक सोदता धडपडटां तांच्या आंगा भोंवतणी रग गुठलायतां. म्हजे हात पेटूंक लागतात. म्हणसर धांवून आश्विनी येता. मम्मी म्हण सायूच्या आंगार घालून घेता. हांव आश्विनीक फाटीं वोडटां. व्हरून बॅडरुमांत बंद करून घालतां. दोतोरांक आर्दी फोन की शेजाऱ्यांक आर्दी आपोवप. आर्दी सायूचो काय आर्दी सोनूचो उजो पालवप.. हांव सगळेंच बरोबर करूंक सोदतां. सगळें करतांय वी... पूण ताकाय म्हण कांय खीण लागतातच! कितले खीण? दोनचार खीण... पुण सगळें सोंपपाक कितलें खीण लागतात?...

तेच रातीं सोनू... आनीक दोन दिसांनी - दिवाळे दिसा फांतोडेर सायू... वतना

ताका भ्रमच जाल्लो म्हणपाचो. फकत सोनू सोनू म्हणटालें. चार झोपांचो संसार रूख. दोन धगीन करपून गेलीं. उल्यांत दोन...

चार वर्सांच्या आश्थीनीक ते सगळें पळोवन कितें कळ्ळां काय? कितें कितें भोगला काय?... आनी... सोनूक? त्या निमाण्या खिणामेरेन ताका कांयच कळूंक ना काय?.... फकत आपणाक जोर आयला, आईन कपलार थंड उदकाची पट्टी दवल्ल्या अशें दिसलां काय... तशे दिशिल्लें आसल्यार पुरो.

एक ल्हानसो भुरगो खेळत बसला. आपल्या माणकुल्या हातांनी तो एक एक वस्त घट्ट धरता. तिका दोळ्याकडेन व्हरून पारखीत. हातांनी सांस्पून पळयता. आपटून आनी वाजोवन पळयता. तरीय कांय समजना म्हूण ती वस्त तोंडात घालून चाखून पळयता. तरतरांनी यत्न करून ती वस्त पारखूंक सोदता, अणभवूंक सोदता....

मागीर खंयच्यान तरी कोणाचो तरी हात येता. ल्हवूच भुरग्याक कळनासतना ती वस्त उखलता. अस्सो हात हालयता, म्हण्टा,


'ओऽ पळय काऊ आयलो... काऊन व्हेऽऽले...आ! पळय? ना...? आपलो रिकामो हात त्या भुरग्यामुखार नाचयता, भुरगोय आपलो हात नाचयता आनी म्हण्टा. 'आ ऽ ना!'

काऊ केन्ना आयलो? म्हाका कसो दिसलो ना? केन्ना ताणें झपय माल्ली? आपल्याक फटयलो काय? कित्याक काय?....

❑ ❑ ❑

८

मिनी, टायगर आनी ग्रॅनपा



तल्लेसोच वेळ सांतान, मिनीक - आपले धाकटुले नातीक न्हिदोवपाचो यत्न करतालो. मिनीं रडपाचें थामनासलें. रड्डां रड्डां म्हर्दीच हुंदक्यानल्यान तें विचारतालें, 'ग्रॅनपा, टायगर कसो येतलो ? टायगर खंय वतलो' ताका थानारतां थानारतां सांतानाक नाकां पुरो जातालें. आठ वर्सां लाडांत आनी सगल्यांच्या मोगांत वाडिल्लें अपुरबायेचें पोर- आपल्या म्होवाळ उतरांनी आनी गुणेस्त सभावान जीव जिखून घेवपी- म्हातारपण म्हटल्यार कितें मुणो म्हातारो किल्याक जाता... मनीस म्हातारो किल्याक जाता... म्हातारपण वायट किल्याक.... देव सगल्यांक वोरें किल्याक कोरीना!... हजार प्रस्न विचारून ताणें सांतानाची नकली सामकी विरार केल्या. तीं सादीं गजालं त्या ल्हान भुरग्याच्या सामकी काळजांत रोमल्या. आपलें रडें थारोवन सूंक सूंक करून, आतां तें न्हिदलां. पुण ताच्या नकसूद तोंडावयल्यान आनी मोव मोव केंसानल्यान हात फिरयतना आतां सांतानाकूच रडपाक येवंक लागलां. तें काळजांत सांवाळून दवरप आतां कठीण जालां. त्या रडणुकेचो एक वेगळोच अर्थ आतां सांतानाक खोलायेन कळपाक लागला...

सांजवेळार वेळेर येवपाक सगलीं तयार जालीं तेन्ना आयज लेगीत मिनीन मांयची फाट घेतली.

'मांय, आयज टायगराक व्हरूंया!'... मांयन दोळें मोटे केले, तेन्ना मिनीन पायक सांगलें. आनी पायन म्हटलें, 'ओके ओके!' 'पाय, खऱ्यानीच व्हरूंया न्हूं?' मिनीन अजापान विचाल्लें. ह्या दिसांनी टायगराक घरांत लेगीत घेनासली.

गॅरजीत एका कोनशाक ताका बांदून दवरतालीं. सगलींजाणा भायर वचपाक तयार जाल्या उपरांत टायगर भूंकून भूंकून आकांत करतालो. गाडयेंतल्यान भोंवडेक वचपाची ताची इतल्या वर्सांतली सवंय. भोंवडेक वचपाखातीर जिवाच्या आकांतान सांखळ तोडूक पळयतालो. पुण आतां तें ताका जमनासलें. आता तो म्हात्रो जाल्लो. आंगावयली ल्हंव झडून गेल्ली आनी चावपाखातीर दात लेगीत दाढेंत नासले. आतां टायगराक सारकें दिसनासलें. एक दीस तो पायच्याच आंगार धांवून आयलो. तेन्नाच्यान आतां ताका कुशीक बांदतात. मिर्नीक तें मात लेगीत मानवलेना. एकदोन फावट ल्हवूच वचून मिर्नीन ताची सांखळ सोडली. पुण आतां ते टायगराक सोडींत जाल्यार.... मिर्नीक मांयच्या दोळ्यांची खूप भिरांत दिसता. ती दोळे तांवडे करता तेन्ना सामकी परकी परकी शी दिसता. आपली मांय न्हय. ही खंयची कोण अशें दिसता... पापा मात बरो. पापा परस लेगीत ग्रॅनपा! ग्रॅनपा केन्नाच तापना. चाळोवन आंगार येयना! पापा लेगीत माल्सो ग्रॅनपा कसोच. दोगांचीय नाकां लांब आनी दोगूय मोगान उलयतात...

सगलीं जाणां गाडयेंत बसलीं आयज मिर्नीक लागून सांतान लेगीत येयलो. सांतानाक येंवचेंच पडलें. ताच्या हातीक धरून मिर्नीन ताका ओडून हाडलो आनी गाडयेंत बसयलो. मागीर मुस्तायकेवयल्यान लॅरा फडफडे घालपाक लागलें. देखून सांतानान नवे कपडे घातले. सगल्यां वांगडा सांतान केन्नाच वचनासलो. ताका तें मानवनासलें. कशायकशी मुस्तायकी कशायकशें न्हेसप लॅराक मानवनासलें. आनी आंगार काश्टेवगर दुसरें कसलेंच लुगट चड वेळ दवरपाची सांतानाक सवंय नासली. आतां म्हातारपणात सुनेक लागून सुट लेगीत ताका घाल्चो पडटालो.'

'पाय. टायगराक काडीना तर?' मिर्नीन याद केली. 'मिनी कितले फावटी सांगले तुका? टायगर दुवेंत आसा. ताका व्हरपाक जायना. खबर ना तुका?'. मांय तापली तशें मिर्नीन तकली सकयल घाली. पुण ल्हवूच एका दोळ्यान पाय कडेन पळयलें.

'ओके ओके व्हरूया ताका!' पायन म्हटलें आनी मांयच्या कानाकडे तोंड

व्हरून कितेंतरी सांगलें. 'बरें आसा तर! तूं आतां सुदाल्लो म्हणपाचो!' अशें मायन म्हटलें आनी झेतान वचून गाडयेंत बसली. मांय सदांच पापालागीं फुडल्या सिटार बसताली. मिर्नीक फुडल्या सिटार बसपाचें खूब धोस्त आसलें. पुण मायलागीं बसपाक ताका बरें दिसनासलें.

'टायगर कम फास्ट. कम फास्ट' मिर्नी म्हणटालें. पुण टायगराच्यान चलपाक जायनासलें. पायांक गुंडे तोंपताले. ह्या दिसांनी चलपाची ताका सवंय नासली. फाटल्या सिटार आपणालागीं घेवन मिर्नी टायगराक तेंकून बसलें आनी ताचेर हात भोंवडावपाक लागलें. मांयन दोळे तांबडे केले पूण मिर्नीन पळयलेनाशें केलें तेन्ना मांय तापली. 'स्टॉप इट मिर्नी... ताका धरू नाका ही इज सिक - ताचें आंग सूज जालां पोय कसो वास मारता तो ताच्या आंगाक....

'ना माय! ही इज माय टायगर'

'शट अप मिर्नी.... फुडें उलयताय? चोड सुवेज जालां तूं... जाणाय मुरे व्हिक्टर, आमी हाका काडून घाल्या बोर्डिंग स्कुलांत... चड सुवेज जालां तें. आनी ताजो ग्रॅनपा ताका आनीक सुवेज करतलो... फट सांगना हांव' कितें लॉग? कितें उलयताय तूं... आजून सारकीं आट वर्सां जांवकना मिर्नीक... ल्हान आसा तें.' 'ल्हान आसतनाच देख दाखोवपाक जाय भुरग्याक...' 'ओके ओके...' पायन म्हटलें आनी दाव्या हातान फाटीर थापटून ताका समजायलें. मिर्नीन सोगाळ नदरेन आपल्या पाय कडेन पळयलें. अशावेळार मिर्नीक पायची खूब व्हडवीक दिसताली. मिर्नीन ग्रॅनपाकडेन पळयलें. तो सिटार तकली दामून दोळे धांपून बसलेलो.

'ग्रॅनपा' मांय आता कितें म्हणटाली तुका?' म्हणून मिर्नीन विचाल्लें. न्हिदेचें सवंग घेवन ताका ओगीच रावचें पडलें. आट वर्सांच्या ह्या आंगट्या येद्या चेडवाक कितें सांगतलो?

टायगर सांगाताक आसल्यान मिर्नी आयज वेळेर पावतरीत खोसयेन नाच

नाचलें. टायगराच्या फाटल्यान धांवपाक सोदलें. पुण टायगराच्यान धांवपाक जायनासलें. मागीर मिर्नीन टायगराक रेवेंत वसयलो आनी ताच्या आंगार रेंवचो दोंगोर बांदलो. वेळेवयल्या कुल्ल्यां फाटल्यान मिर्नी आयज खूब धांवलें. टायगरान दोळे धांपून आनी कान हालोवन तें आयकून घेतलें. मागीर मिर्नीन सांयची नदर चुकोवन ल्हवूच टायगराक उदकाच्या लागीं व्हेलो. पुण आयज तो उदकांत देंवपाक तयार नासलो.

'यो न्हू टायगर....' उदकांत बोडलो देखून दोन पावलां तो उदकांत गेलो आनी थंयच रावलो. मिर्नीन ताका न्हाणयलो. ताचें ल्हंव गेल्लें आंग चोळून काडलें. टायगर परतो परतो आंग झाडपाक लागलो. खाऱ्या उदकान ताचें आंग चुरचुरपाक लागल्लें. मिर्नीच्या हातांतल्यान गुटून तो उदकाभायर आयलो आनी रेवेंत लोळलो मिर्नी ताका परतें ओडून उदकांत व्हरतालें. सांयची नदर पडली आनी तिणें तापून सांगलें.

'मिर्नी कम हिअर.... उदकांत वचपाची गरज ना'. मनांत नासतना रेगीत मिर्नीक उदकांतल्यान कुशीक. सगळी वसल्या थंय चेंवचें पडलें.

'ग्रॅनपा खंय आसा?' मिर्नीन विचाल्लें. सांयन नदरेनूच दाखयलें ते सायडीन मिर्नीन पळयलें. ग्रॅनपा एका वाकार पांच वयर घेवन बशिल्लो.

'ग्रॅनपा ग्रॅनपा' मिर्नी ताच्या फुडयांत धांवत गेलें आनी विचारपाक लागलें.

'ग्रॅनपा, ही ल्हारां खंयच्यान येतात?'

'पयशिल्ल्यान - दर्यावयल्यान!'

'आनी मागीर फाटी फाटीं खंय वतात?'

'तीं वयतात आपापल्या घरा'

'खंय आसात तर तांची घरां

'पैस.. दर्यांत!'

'दर्यांत घरां! आवयस!.... तांच्या फाटीर बसल्यार आमी लेगीत पावतली तांगेर न्ही?'

'ह्य.... ना..... मिनी.... चल मांय आपयता' ग्रॅनपाक आपली सुटका करून घेवचीच पडली.

मागीर सगलीं जाणां भेळपुरीवाल्याकडेन गेलीं आनी बांकार बसलीं. मागीर पायन जायतें खावपाक घेतलें. रगड पॅटीस- भेल- पुरी पानीपुरी... सगल्यांत आदीं खावपाक मेळ्ळें टायगराक. मिनीन पैली प्लेट काडून टायगरामुखार दवल्ली. तेन्ना भेळपुरीवाल्लो कितें तरी बडबडपाक लागलो. तें पळोवन मांयन दोळे तांबडे केले. आनी मिनीन मान उमथी घाल्ली. पुण पायान रोखडेंच म्हटलें, 'ओके. ओके... हम तुम्हारा प्लेटका पैसा देगा! तुम डरना नहीं!' भेल पुरीवाल्यान मान हालयली. मांयन वोंट आनी नाक वांकडे करून मान हालयली. पापा हांसलो आनी तांणे मिनीकडेन पळयलें. मिनीन म्हटलें, 'थॅंक्यू व्हेरीमच पापा-' खोसयेन मिनीचें हडें भरून आयलें.

'ओके ओके!' पापान परतें म्हटलें आनी आईस्क्रीम कोन घेतले. आतांय पयलो कोन टायगराक मेळ्ळो. टायगराक आईस्क्रिम आनी केक खूब आवडटालो. मिनी जाल्लें त्याच दिसा टायगराक हाडिल्लो. ही गजाल मागीर एकदा मिनीक कळ्ळी. हालींच्या दोन तीन वर्सांनी आपल्या बड्डे वांगडा मिनी टायगराचोय बड्डे करपाक लायताले. मिनी ताका ताच्यो वाती फुंकून दितालें आनी ताचो हात हातींत धरून तातूंन सुरी धरून केक कापपाक सोडतालें. पुण त्या आदींच टायगर केकाक तोंड घालून एक व्हडलो कपचोच काडटालो तेन्ना मिनी आनी हेर भुरगीं हांसून सामकीं जार जातालीं.

'यू वॉट मोअर टायगर?' मिनीन विचाल्लें. 'पापा... टायगराक आनीक दी.' मिनीन पापाक सांगलें. मांय कितें तरी सांगूक सोदताली पूण पायन म्हटलें.

'ओके ओके... लॅरा. आसूं गो.... खांवदी.... एक दीस खातलो'.

खाण जाल्या उपरांत पापान आपलें व्हडलें पाकीट काडलें आनी पैसे फारीक केले. तें पाकीट जेन्ना पाय भायर काडटालो तेन्ना मिर्नीक ताची खूब व्हडवीक दिसताली. तो केन्नाय हें घेंव नाका.... तें खांव नाका अशें म्हणनासलो.

गाडयेंत परतें मिर्नी टायगराक लागीं घेवन बसलें. मांय तापार जाली. मागीर पापालें ओके ओके म्हणप. मिर्नीक खूब हासूंक आयलें. ताणेंय व्हडल्यान म्हटले. 'ओके ओके!' आयज तें खूब खोशी आसलें. आयज पापान ताच्या मनाप्रमाण सगळें केल्लें. थंड वाऱ्यान आतांच वयर आयिल्लो चानीमामा पळोवन ताचो जीव सामको भुल्लसून गेलो. चंद्रीमाकडेन पळयतां पळयतां रोखडीच ताची तंद्री लागली आनी तें वचून नखेत्रां आनी चंद्रीमाकडेन खेळपाक लागलें.

अकस्मात म्हळीच कार थांवली आनी मिर्नीची तंद्री भंगली. पाय मांय, दोगांय भायर देवलेलीं.

'मिर्नी... भायर यो' मांयन साद घातली. देंवपाचें मनांत नासलें. पूण मांय तापतली हें खबर आसल्यान मिर्नी सकयल देंवलें. तें देंवलें ते पळोवन टायगर सकयल देंवलो आनी तोंड भर आळस दिवन, चार पावलां फाटीं वचून कवाथ्याच्या मुळार मुतपाक लागलो. तो मुतता तें पळोवन मिर्नीकूय मुतपाची याद जाली पूण इतल्या भितर मांय पाय बसलीं आनी ताणीं दारां मारून घेतलीं. मांयन म्हटलें-

'मिर्नी धांवत यो.... कम फास्ट' मिर्नीक कांयच समजलें ना. पूण मांय व्हडल्या आवाजांत आपयता तें आयकून धांवत वचून तें बसलें पूण ताणें दार उगतेंच दवल्लें.

'टायगर कम फास्ट... टायगर धांव मार... तें आयकून टायगर येवपाक लागलो. पूण इतल्या भितर पायन कार सोडली वेगींत. मिर्नीन गडबडून म्हटलें. 'पाय... पाय... टायगर.... पाय... टायगर....' ताणें काकूळतायेन पाय कडेन पळयलें. पूण कार थांवली ना. मांयन फाटीं हात घालून खडांयच करून दार मारून घेतलें आनी धांवून आयिल्लो टायगर भायरूच उल्लो. गाडये सांगाताक

टायगर जिवाच्या आकांतान धांवपाक लागलो.

'टायगर ... टायगर.... पाय .... गाडी थांबय.... पाय गाडी थांबय.... ग्रॅनपा.... तूं पापाक सांग.... तुजें तो आयकतलो... पापा...'

पूण कार थांवली ना... सिटार उबें रावून फाटीं पळोवपी मिनीन खर्शेत धांवून येवपी टायगराक वोल्तामेरेन पळयलो आनी मागीर तो दिसनासो जालो. 'पापा.... ग्रॅनपा' मिनीन सिटार घालून घेतलें आनी हो हो करून रडपाक लागलें.


'मिनी मिनी'..... ग्रॅनपान मिनीक सांसपिलें.

'डोन्ट टच मी... डोन्ट टच मी' मिनी किंचाळपाक लागलें... माय टायगर... माय पूअर टायगर.... आतां तूं खंय वयतलोय? आतां तूं खंय वयतलोय?' 'स्टॉप इट मिनी.... आय से, स्टॉप इट' मायन तिडकीन म्हटलें. मिनीन आपले हात तोंडार धल्ले आनी ल्हव ल्हव आवाजांत वावडेशें जावन रडत रावलें.

मागीर घरां पावल्या उपरांत ते कोणाकडेन उलयलें ना. ताणें कांय खाल्ले ना. ताणें कोणाचो हात आपल्या आंगाक लावन घेतलो ना. सोफार बसलां थंय तें लवंडलें. मागीर मोठ्या यत्नान ग्रॅनपा सांतानान ताका समजायलें आनी आपल्या कुडीत हाडून न्हिदयलें. ग्रॅनपा, ग्रॅनपा करीत हजार प्रस्न विचारून ताणें सांतानाक खरस हाडली. आतां तें कवळें ल्हान पोर आपल्या न्हिदेच्या राज्यांत गुल्ल आसा. पूण आतां सांतानाक घुस्मटमार जावपाक लागला. चारांय वाटांनी काळोखभार ताच्या खरखरीत आंगार येवपाक लागलो आनी तो आपली जुंग म्हातारीकूड ओडीत ओडीत वाट सांसपूक लागलो.

❑ ❑ ❑

संवसार


नसांज जायत आयल्या. अशावेळार तें घर चडूच वावडेशें जावन वोग्गी वसून रावता. घर आनी भायले उपते पडवेवयलो दादू. फाटल्या पंदरा दिसांसावन दादू चडसो ह्या सोंप्यारूच आसता. रातचो थंयच न्हिदता. दिसाचो मुखावयल्या मळाकडेन पळयत रावता. लोक म्हणटात ताचे तकलेर पुताच्या मरणाचो परिणाम जावन तो थतरवितर जाला.

आतां लेगीत दादू सोंप्यार वसून रावला. मळावयले वाटेन एक मनीस चलत येता तो दिस्टी पडटा. पूण दादूचे तकलेंत तें सारकें वचना. तो मनीस खळ्यांत पावता. उलो करता.

'कितें दादू, बसला?'

मागीर दादू हांसता. ह्या दिसांनी तो आवाज करिनासतना आपलें दांत नाशिल्लें तोंड फांकून हांसता आनी मळवाकडेन हात दाखोवन सगळी ताची करणी अशी खूण करता.

'अशें कशें जालें हें?'

आयिल्लो मनीस विचारता. कशें जालें, कितें जालें, हें सगळें ताका खरें म्हळ्यार खबर आसना. एकाद घेवन वचपी मनशान सांगिल्लें आसता. पेपरार आयिल्लें आसता. दादू गंवडेकाम करपी. राजाराम ताचो पूत. केन्नाच बापाय वांगडा कामाक वचनासलो. तो घरचें शेतभात सांबाळटालो. त्या दिसा धाकलो नासलो म्हूण दादून राजारामाक कामाक व्हेलो. खंयतरी वांय वांदपाचें काम चलतालें. काम चालू आसतना, वांय कोसळ्ळी आनी राजाराम, दादू हांचे सयत

आनीक तीगजाण फातर आनी मातयेपोंदा चिड्डले. एकल्याचो पांय मोडलो. दादूक खूब मार लागलो. राजारामाचे तकलेर फातर पडलो. पूण तो रोखडोच शाबुद्दीर आयलो. दादू तीन दिसांनी सावशीत जालो. सगळ्यांक खोस जाली. पूण त्या दिसा अकस्मात राजारामाच्या नाकातोंडांतल्यान रगत व्हांवपाक लागलें. दोतोरांनी जाता तितलें सगळें केलें. पूण राजाराम वांचलो ना. लग्नाक दोन म्हयने जावंचे आदीं बायलेचें [illegible] कुंकम तो पुसून गेलो. त्या दिसा गांव रडलो आनी राजारामाचे बायलेन तर आकांत केलो. ही सगळी गजाल खबरीक आयल्या त्या सोमाजीक खबर आसा. पूण विचारपाची तरा आसना म्हणून तो विचारता, 'अशें कशें जालें हें?' दादू मळबाकडेन बोट दाखयता. तें पळोवन शांताबाय भितरल्यान येता. सोमाजीक पळोवन तिका रडपाक येता. खुणेनूच ती सोमाजीक बसपाक सांगता.

'तेका कांय इचारूं नाका तूं! तेची नकली जाल्या इरार! रातदीस हांगा सोप्यार आसता बसून.... हांव सांगतां तुकां.' अशें म्हणून शांताबाय सांगपाक सुरवात करता. तिची बडबडपाची सवंय पून भायर पडल्या त्या दिसासावन मातशी चडूच जाल्या. कोण ना कोण खबरीक म्हूण, पाचारपाक म्हूण येता आनी शांताबाय ताका सगळें सांगत बसता... 'असो कर्मान डाव सादलो.... जालें... हो शाबुद्दीर येयना... मंगळार गेलो- बुधवार गेलो... ब्रेस्तार उजवाडलो.... हांव देवामुखार बसून आसां- जेवण ना खाण ना फकत देवाचें नांव. राम राम राम राम.... बसल्यां हांव. इतलें म्हणसर धाकलो येवन पावलो पणजेच्यान. हांवें इचारलें काचावून जावन. कितें रे बाबा? कितें जालें? तर तो म्हणपाक लागलो [illegible] भियेवं नाका आई. दादू बरो जालो... दादू शाबुद्दीर येयलो.... हांव [illegible] घाबळ जालें... सगळ्यांक सांगलें हांवें... पळयलें. हांवें सांगूं नासलें? [illegible]व इतल्या गगार जावंचो ना म्हाजेर. म्हाका खबर आसलें, म्हाजें तो आयकलेबगर रावचो ना. म्हा[illegible] कृ[illegible] तो साल्वार करतलो. देवान इतल्या वर्सांची म्हाजी सेवा पावोवन घेतली. तेणेंच म्हाज्या घोवाक साल्वार केलो. पळयलें मरे सोमा? देव ना म्हणटा न्हय तुमी? मागीर कशें आयकलें तर तेणें म्हाजें?'

भितरले कुडींतल्यान हें सगळें सुनेन आयकलां. आयकून आयकून तिचे कान किटल्यात. आतां हें सगळें आयकून तिच्या कळजाचो घाय भळभळा व्हांवपाक लागला. सोंसू नज जावन ती धांवत भायले पडवेर येता आनी म्हणटाः

'हय व्हय आसा तो. बसला तो सगळ्या संवसाराचे बरें करपाक. तुजे सारक्यांचे कुकूम साल्वार करपाक! मागीर म्हजो कुकूम कित्याक नर तेणें व्हेलो पुसून? लग्नाक धड दोन म्हयने जावंक नासले.... आंगावयली हळद धड देवूंक नासली. कित्याक तुज्या त्या देवान म्हाज्या घोवाचो घांस घेतलो? कित्याक तेणें म्हाज्या घोवाक गिळ्ळो?'

'आगो पापणी, तिनसांजच्या वेळार देवाक अशें खेंपचें न्हूं!'

'पुरो पुरो तुजें. म्हाका रीत शिकोवं नाका. म्हाका व्हडली रीत शिकयताय मगे आनी तूं? तुका कांय रीत भात लागना? आपल्या घोवाक साल्वार कर म्हूण तूं देवामुखार मार उपासाक बसली. तुज्या चेडयाचो- तेका साल्वार कर म्हूण मागपाचो विचार केन्ना येंयलोच ना तुजे तकलेंत? कित्याक तुवें मागलें ना देवाकडेन तुज्या चेडयाखातीर? म्हाज्या कुकमाखातीर....' दूख सोंसू नज जावन ती जमनीर बसली आनी कपलार हात घेवन हो हो करून रडपाक लागली.

आदीं शांतावायचे तकलेंत हातुंतलें कांयच रिगूंक ना. जेन्ना तिचे तकलेंत तें गेलें तेन्ना अविस्वासाचे नदरेन तिणें आपले सुनेकडेन पळयलें. '...ही कितें म्हण्टा? म्हाज्या पोटच्या पोराखातीर हांवे देवाकडेन कांयच मागलें ना. ताका साल्वार कर म्हूण सांगलें ना अशें हिका दिसता काय?' आतां तिचो अवतार सोंपले भशेन तिणेंय जमनीर बसकण मारली आनी जमनीर कपलां धाडावन म्हणपाक लागली, 'देवा! कितें केलें हें तुवें? जुंग म्हाताऱ्या माडाक दवरलो आनी कंवळ्या कवाथ्याक उबारलो? आनी म्हजे सुने! राजाराम कायवरो आसलो, उलयतालो. तो अकस्मात रगत ओकीत आनी असो भरलेल्या घरांतल्यान उठून वचत अशें सपनांत तरी आसलें कोणाच्या? सांग म्हाका!'

सून उठली आनी आपले कुडींत वचून रडपाक लागली.

इतलो वेळ वोगी आशिल्लो सोमाजी आतां धीराची दोन उतरां उलोवपाक सोदतालो. खरें सांगपाचें जाल्यार तो थंयच्यान जाता तितले बेगीन वचपाक सोदतालो. पुण ताका वचपाक वस नासली. हें एक कारण आनी दुसरें म्हत्वाचें कारण म्हळ्यार ताच्या मनांतले सादपाक ताका अकस्मात संद मेळिल्ली. तो चिंततालो. सांगू नज... सुमन आतां एकाद्रें हय म्हणत... तशें जाल्यार ताचें सपन पुराय जावंक शकतालें. लग्नाक दोन म्हयने लेगीन जावंक नासले.... सगळें विसरून सुमनाच्यान परतें लग्न करूं येतालें. आतां ना म्हणपाक ताका कांयच कारण नासलें. सुमनाच्या कुळारच्यांची कांयच आडखळ नासली. सुमनाच्या घरच्यांचेय कांय आडमेळे आसपाचे कारण नासलें. फकत प्रस्न आसलो तो खासा सुमनाचो. ताका दुख्ख जातलेंच. पूण येदोळ हो हो करून रडटालें ताचें वरसून कांयच कळना. आतां तें हय म्हणपाची शक्यताय आसा. ना जाल्यार येदोळ म्हाका पळयना वगवर तें म्हाका धांवडावनच दिवपाचें... आतां ताका कळळां आसतलें. ह्या संवसारांत कशें आसता तें... म्हजें सारको गडगंज आस्पतिचो मनीस तुका मागून व्हरपाक येयलो जाल्यार तुवें सगळ्यां हुजीर म्हाका सांगलें की 'तुजें परस फातराकडेन लेगींन जायत हांव लगींन म्हूण!' म्हजे परस फातर लेगींत बरो न्हय? भोग आतां आपल्या कर्माची फळां... आंगांत हुशारी येवन आतां सोमाजी नेटान उलोवपाक लागलो.

'हें पळयात वाप्पा. आई जालें तें जालें. तें कशें जालें, कित्याक जालें, असले प्रस्न विचारून कितें फायदो? रडत रावून जावपाचें ना. आयज पंदरा दीस जावन गेले. गेल्लो राजाराम परतो येवपाचो ना. आतां फुडलो विचार करपाक जाय... काम धंद्याचो हेचो तेचो नेन्ना हांव कितें म्हणटा... धीर धरून काम करपाक लागूक जाय. जालें तें जालें. आतां फाल्यांचें कितें तें पळोवंया, अशा नेटान सगळें सोसून फुडें वचपाक जाय... मुद्दाम हांव सुमनाक हेंच सांगपाक येयलां कितेंय जालें तरी तें मामालें चेडू म्हज्या. ताचें अशें जावप म्हटल्यार.. पूण कितें

करूंया! जालें तें जालें.'

'आई हांव मातसो भितर वचून सुमनाक समजायतां.'

'कितें म्हणटा? समजायता? बरें आसा!' अशें म्हणून शांताबाय लेगीत भानार येवन उठली आनी भितर गेली.

कुडीच्या दारांतल्यान एक पासय मारून सोमाजीन अदमास घेतलो. कुडीचें दार धांपून घेतिल्लें. पूण खिळी घालूंक नासली. ल्हवूच दार धुकलून सोमाजीन कुडींत नदर मारली. टेबलार तकली दवरून सुमन सुंक सुंक करून रडटालें. कुडींत काळोख आसलो. ल्हवूच भितर वचून सोमाजीन सुमनाच्या हातीर हात दवरलो. ते बराबर तो झिडकून सुमनान रागान ताचेकडेन पळयलें.

'सुमन... अशें तिनसांजच्या काळखांत रडूं नाका.. काळखांत रडचें न्हय.' ताणें समजावणेचो सूर काडलो.

'आनी काळखा कुडींत दुसरी बायल मनीस एकटी आसतना परकी दादल्यान लायट लायनासतना कुडींत येवप हें बरे?' सुमनाच्या सटासट उतरांनी सोमाजीचें तोंडूच बंद जालें. ताणें बेगीबेगीन दिव्याचो बटण सोदून काडून दिवो लायलो.

'सुमन रागार जावं नाका. हांव वायट विचार मनांत धरून कुडींत येवंक ना. हांव तुका समजावपाखातीर मुद्दाम येयलां. कितें आसता संवसारात एकदां बरें जाता. एकदां वायट जाता... नशीब कोणाच्या हातींत ना. तुका खबर आसा...'

'हय... म्हाका खबर आसा तें... आनी तूं कित्याक येयला तेंय खबर आसा म्हाका.... तूं भायर उलयतालो तेंय आयकलां हांयें.... आतां तुका हांव निमाणे सांगतां... हेन फुडें तूं म्हाजे वाटेक वचपाचो यत्न करूं नाका. हांव तुजो संवसार करपाचें ना. ती गजाल तूं विसरून वच. आनी तुकां सांगतां... तूं आतां ह्या घरांतल्यान भायर सर.'

सोमाजीन आपली पोती उबारली आनी तो वाटेक लागलो. आतां तो

आपणाक समजायतालो, संवसारांत अशेंच आसता. एकेकदां बरें जाता. एकेकदां वायट. पूण ताचें मन बावडेशें जावन ताकाय विचारतालें .... हें अशें म्हाकाच कित्याक जाता?


सुमनाक मांय तापयताली. तिची उतरां कानार पडटालीं. पूण अर्थ कळनासतना. सुमनाक आतां दिसलें... सोमार्जीक हांव आवडटां हातूंत ताचो तरी कितें गुन्यांव आनी तो म्हाका दोळ्यांमुखार लेगीत नाका ... जाल्यार हांयें तरी कशें हय म्हणपाचें ताका? हो संवसार असोच चलपाचो काय? तिरपागडो?

भायर सोप्यार वसून दादू आवाज करिनासतना मर्दी मर्दी हांसतालो आनी एक बोट वयर दाखोवन खूण करतालो.

❒ ❒ ❒

१०

जीण



मनीस जिणेचेर विचार करतात आनी तत्वगिन्यान सांगतात तांकां ल्गीत जायत्या फावटीं जगप कशें तें समजना. पूण एकाद्रो येसवंता सारको अन्नाडी मनीस जिणेचें तत्वगिन्यान आपल्या जगपांतल्यान सांगून वता..

खरें सांगपाचें जाल्यार त्या दिसा येसवंताचेर हांव सामको तापिल्लों. 'बायल वरी ना, वखदाक पयशे दी' अशें सांगून पयशे घेवन तो गेल्लो. पंदरावीस दीस खंय नासोच जालो. म्हज्या घरा सदां येवपी मानाय तो. भाटाचें काम करपाचें आसलें तें येसवंताक लागून तशेंच पडिल्लें. दिसानदीस मानायपण करपाक मनीस मेळप कठीण जालां देखून ह्या लोकांच्यो मिजासक्यो चल्ल्यात. वरो तापयले बगर हो जाग्यार येवपाचो ना. अशें थारावन हांवें येसवंतागेर वचपाचो वेत केलो.

सकाळीं उठलो आनी चलपाक लागलों. तागेर वतलो जाल्यार वरभर चलचें पडटा. दोंगराच्या माथ्यार आसा ताचो गांव. म्हाका इतली वाट चलपाची सवंय ना. पूण कामाक लागून चलचेंच पडिल्लें. वतना येसवंताचोच विचार करतालों. हो मनीस म्हटल्यार एक कुवाडेंच. केन्ना तो कोणाकडेन धड उलोवपाचो ना. 'हय! ना!' इतलेंच! काम करपाची ताची तरा सुशेगाद. केन्ना ताकतीक लागिल्ली हांवें पळोवंक ना. केन्ना केन्ना तिडकीन हांव म्हणटालो :

'येसवंत, अशेतरेन काम केल्या दिसावड्याक कशें परवडपाचें? आंग म्होडून काम करपाक नाका?'

'आंग म्होडुनच करतां हांव. तो सांगता.

'इतलें सवकास?'

'हांव सवकास करिना. माजे रितीन करतां!... तो थंडपणान जाप दिता...

विचार करतां करतां हांव तागेर वचून पावलों. तेन्ना सामको खर्शेवन गेल्लों. येसवंताचे खोंपी मुखार वचून उबो रावलो.

येसवंताची म्हातारी सकयल मान घालून मोन्यानी मिर्सांग वांट्टाली आतां ती सामकीच लागीं आयिल्ली. हातांची सुटिल्ली कात फाटीफुडें हालताली. खिणभर ती म्हाका पळयत रावली. मागीर तिचे वोंठ वांकडे जाले. दोळ्यांतली दुकां बावळ्यान पुसून ती परती मिर्सांग वांटपाक लागली.. येसवंताचो व्हडलो भाव पडवेर बसून बिटीबिटी दोळ्यांनी हेवटेन तेवटेन पळयतालो. ताचो हो भाव मोनो आसा. पयलीं पयलीं कितेंय सांगिल्लें काम करतालो. एक फावट भेंडार नाट पडलें. कांय म्हयने हांतरूणार उरलो. बरो जालो पूण ताणें काम करपाचें सोडलें. येसवंताचें तो आयकना. येसवंत ताका उलोवंक शकना. ताकाच कित्याक? घरांतल्या कोणाकूच तो एक उणें उतर उलयना. घो मेले उपरांत ताची भयण आपणाल्या ल्हान भुरग्याक घेवन येसवंताकडेन रावपाक आयली. येसवंत वोगी रावलो. ती आतां येसवंताकडेन रावता. तोंडान उलोवपाक ती खबलदार आसा पूण कामाक आळशी... मोन्या भशेन येसवंत संवसाराचो गाडो ओडीत आसा. सकाळीं कोयतो कुदळ घेवन कामाक वचपाचें. कितें मेळटा तें हाडून घरांत घालपाचें. दुसऱ्या दिसा परतो जेवणाची भुती घेवन येसवंत भायर सरता... तेका खळबळ करतना, झगडटना कोणे केन्ना पळोवंक ना. तो कोणाचे वाटेक केन्ना वचना... कोणे चार उतरां सांगल्यार तो एकूच सांगतालो. ना जाल्यार हांसून वोगीच रावतालो.

'ओ येसवंत... येसवंत...' हांवे उलो केलो.

हांडीर भुरग्याक घेवन येसवंताची भयण दारांत येवन पळोवन गेली.

'आजे, येसवंत खंय गेला? कितें जालां? वोग्गीशी तुमी? येसवंताचे बायलेचें कशें आसा? हांवें विचारलें.

'पुता, भायर पडली रे ती! भुरगें पोटांत घेवन गेली रे बाबा... तिगां चेडवांक सोडून गेली रे सायबा' हो हो करून म्हातारी रडपाक लागली. ती गजाल आयकून म्हजें

काळीज हाल्लें. खिणाभितर म्हाका परिस्थितीची जाणविकाय जाली आनी हांव काचावूल जावन गेलों. हे फावटी पूतच जातलो अशें घाडयान येसवंताक सांगिल्लें. फाटले फावटी हांव आयिल्लो तेन्ना वेतांच्या बेळांनी तो पाळणे सारकें करतालो ती म्हाका याद जाली आनी नकळटना हांवे खोंपीत पळयलें... वाशाक पाळणें वांदून दवरिल्लें म्हाका दिसलें. म्हज्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवली. येसवंताक उवंत उडोवन ताची घरकान्न भायर पडिल्ली. सांगाताक येसवंताचें पुताचें सपन लेगीत ती सोंपोवन गेल्ली...

येसवंताची वाट पळयत हांव खळ्यांतूच उबो रावलो. भोंवतणी हेर घरां आशिल्लीं. मनशां आपआपणालीं कामां करतालीं. भुरगीं नाचतालीं, धांवतालीं, वोवाळ करतालीं. हें घर मात कुशीक काडून उडयल्लेवरी सामकें मोन्यांनी आसलें.

खुबशा वेळान खंयच्यान तरी येसवंत आयलो. ताच्या वावड्याशा तोंडाकडेन पळयतलो कसो? ताचे कडेन पळयनासतनाच हांवे विचारलें...

'कशें जालें रे अशें? कितले म्हयने जाल्ले तिका?'

'सात'

'हॉस्पिटलांत व्हरूंक ना?'

'व्हरतनाच तिची जीववाचा गेल्ली... मागीर व्हेल्ली म्हणून पावयली हॉस्पिटलांत.'

'कितें सांगलें दोतोरान?'

'हांवें सारकें आयकूंक ना. भुरगो आसलो खंय... तितलेंच आयकलें हांवें...'

'आरे रे... भुरगो आसलो न्हय!' हांव चुरचुरलो. तें पाळणें म्हज्या दोळ्यांमुखार हालपाक लागलें.

'येसवंत' ताच्या खांदार हात दवरून हांव उबो रावलों. तो पयस खंयतरी पळयतालो.

'येसवंत, जिवाक सांवाळ... जालें तें जालें... दैवाफुडें शाणपण ना. हे घे... बोल्सांत दवर' अशें म्हणून हांवें म्हज्या बोल्सांतले पयशे ताच्या बोल्सांत घातले...

'येतां रे हांव'

'खंय म्हणून आयलेले?'

'खबरीक रे.'

'तें जालेंच... पूण काम कसलें? भाटाचें?'

'हय.. तें आसूं. सद्या सुशेग घे तूं. मागीर सवकसायेन यो कामाक' अशें सांगून हांव थंयच्यान भायर सरलों.

दीसभर येसवंताचेच विचार मनांत येताले. ताच्या माणकुल्या भुरग्यांचें आतां कशें जातलें? कितलें वायट दिसलां आसतलें तांकां! आनी खासा येसवंत! अख्खी जीण आतां तो एकलो एकसुरो रावन कशी सारतलो? पन्निशेक वर्सांची ताची पिराय.... सट करून मनांत आयलें. म्हजी घरकान्न अशीच भायर पडिल्ली जाल्यार ह्या विचारान लेगीत हांव काचावून जावन गेलों. उठलों आनी ही खंय आसा तें आदीं पळयलें... तिका हांवें सांगलें. ती कांयच उलयलीना. तिका तो विशय उलोवपाचो नाशिल्लो दिसता त्या वेळार...

मागीर रातीं आमी येसवंताचीच गजाल उलयत रावलीं. तिका ती गजाल आदींच कळिल्ली. तिणें ती म्हाका सांगूंक नासली. असल्यो गजाली हांव चड मनाक लावन घेतां म्हणून. आमचे भितर आमी अशें थारायलें की येसवंताक जाता तितलो आदार करपाचो. पयशाचो, उतरांचो... वायलेन एक व्हंकल लेगीत येसवंताखातीर सुचयली. लग्न जाले उपरांत तिचो घोव रोखडोच भायर पडिल्लो. तिका घरचीं मनशां जाचतालीं. वायलेन सांगलें हें लग्न हांव जमोवन हाडटां. आमचेपरीन अशेतरेन आमी येसवंताच्या प्रस्नार उपाय सोदून काडलो.

दुसऱ्या दिसा हांव वेगीनूच उठलों. च्या पिवन भायर पडवेर आयलों आनी म्हाका अजाप जालें. खळ्यांत येसवंत सकयल मान घालून निसाण्यार कोयती घांसतालो. आंगठ्यान सांसपून ताणें धार पळयली आनी परती कोयती घांसपाक लागलो...

'येसवंत? हें कितें? तूं कामाक आयलो काय कितें?' हांवें अजापान विचारलें.

'तर कितें! कामाकूच येयलां... पंदरा दीस खाडे गेले.. आयच्यान कामाक सुरवात

करतां... आदीं वंय करून काडुंया... मागीर....'

'आरे पुण, कित्याक येयलो तूं?' चार दीस राव सुशेगाद घरा...'

'घरा कित्याक? घरा रावन आमचीं पोटां भरतात?'

'आरे हांव आसा मरे... तूं कित्याक भियेता...'

'तुमी आसाच... पूण मनशान काम करूंक जाय... मनीस आयज आसा फाल्यां ना. मेल्ल्या मनशाखातीर रडप ना. रडत रावलें म्हणोन बायल काय परती जिती जातली?'

'ना जावं जिती! तुका दुसरें लगीन करूंया... तुजे खातीर एक होलमिल्या चली आमी...'

'दुसरें लगीन? एक भोगली ती खूब जाली!'

'आरे पूण तूं तरणो आसाय आजून. कशीं काडटलो वर्सां?'

'वर्सां आपशीच वयतात. सकाळ जाली काय दनपार जाता. मागीर सांज जावची रावता?'

'खरें आसा, पूण तुज्या धुवांचें कितें? त्यो ल्हान आसात'

'जातल्यो मोट्यो... पूण दुसरें लगीन केल्यार तिचीं भुरगीं आनी हीं भुरगीं हेंच्या झगड्यांत माजो जीव वयतलो. तेपरस आसा तें बरें आसा.'

'आरें... पूण तुका भुरगो जाय आसलो मरे?'

'भुरगो कोणाक नाका जाला? पूण तो नशिबांत ना जाल्यार? दुसरे बायल्रेक चेडवांच जाली जाल्यार?'

'तेंय खरें आसा. पूण भुरगो म्हणून नाका रे वंशाक?'

'तशें पळोवंक गेल्यार आमी सगळे गांवकार एकूच न्हूं? माजो म्हणोन आनीक कसलो वेगळो वंश काय कोण तो? आमी सगळे एकूच. आनी भुरगे आसले म्हणोन जालें ना, ते रीतीन आसल्यार बरें! ना जाल्यार त्या नारायण गांवकारा भशेन नांवाची मात घाण जातली. आनी तो भयणीचो आसा, तो कितें म्हाजो न्हू जाला? भुरगो तो भुरगोच!

तिगः चेडवां वांगडा तोय म्हणटा म्हाका वापूय!'

'मागीर तेकाच पोसको घेतल्यार जाल्ले तुवें!'

'हांव तेका पोसतांच! आनीक पोसको घेवन म्हणोन कितें जातलें? वचपाचो जाल्यार पोसको घेवन लेगीत तो वचत!'

'खरें आसा. आरे, पूण तुज्या घरांतलीं मनशां, तो मोनो, तुजी भयण ही कामाक आल्ल्यो.... तुका... खबर आसा तुज्या नाडच्यार खानात नीं!' हांवें म्हटलें. हें तरी तो आयकतलो आनी म्हजी सांगणी मानतलो अशें म्हाका दिसल्लें...


'खांव दी... सांगल्लें मनशाक समजना जाल्यार कितें करतलो? धोराक दांवें आनी मनशाक उतर. आमच्या हेंका उतर लागना... कितें कल्ल्या? सभाव तो ... पणसाचो सभाव शेपराद... आंब्याचो शेपराद... कोडू काजऱ्याचो शेपराद.'

केन्ना न्हय तो येसवंत त्या दिसा उल्यतालो आनी केन्ना न्हय तो हांव ताचें तें तल्लीनतायेन आयकतालों. मागीर कोयती घेवन तो सवकास आपल्या कामाक गेलो. हांव म्हजे म्हाकाच हांसलो आनी मनांतल्या मनांत म्हज्या त्या अन्नाडी गुरुक हांव पायां पडलों.

❐ ❐ ❐



सुखी मनीस



मी सुखी मनशाक केन्ना पळयला ? पळोवंक ना ? हांवें पळयला. म्हजो एक इश्ट आसा. शाम. तो आनी हांव आदीं एकाच ऑफिसांत काम करताले. कांय वर्सां फाटीं हांवें ती शिर्विस सोडली आनी दुसरी धरली. मागीर ती सोडली आनी ही तिसरी धरली. ही शिर्विस लेगीत सोडपाचो म्हजो विचार आसा. शाम मात आजून त्याच ऑफिसांत तेच कदेलीर बसून तेंच काम करीत आसा. होच तो सुखी मनीस.

ताचें तोंड हांसकुरें आनी ओटांर सदांच कसलें तरी पद. तो दिसपाक गोरो धवो. आंगान मोटकुळोच. मात्सो गिड्डोच आसा. पूण ताका ते विशीं केन्नाच निर्शेवणी ना. ताचीं फकाणां जायते जाण मारतात. पूण शाम तें केन्नाच मनार घेना. तो आपलेच तंद्रेंत आसता. आपलेच भितर गुल्ल जावन ऑफिसांतल्यान जेन्ना तो घरा वता तेन्ना दिसपट्टें कितेंय तरी सूख मेळोवन तो तें घरा व्हरून दवरता जावंक जाय. ताचें हें सुखाचें भांडवल केन्ना सोंपत अशें म्हाका दिसना.

सामके आंतीक अशे आमी चार जाण इश्ट. तातूंतलो एक शाम. शामाली वायल शिर्विस करिना. हेर तिगांयच्यो बायलो शिर्विसो करतात. आमी तिगूय जाण दोन दोन हातींनी जोडटात अशें शाम म्हणटा. पूण म्हाका दिसता, एका हातीन जोडून लेगीत आमचे भितर खरो सुखी तोच. घोवाच्या पगारांत कशें भागोवपाचें हें शामाची वायल बेस वरी जाणा. ताचे बायलेक कितें येना म्हणपाचें ना. तिका सगळें येता. कपडे तर ती बेस बरे शिंवता. केन्नाय वच ती मिशिनार दिश्टी पडटा. शिंवपाच्या तिच्या हावेसाक लागून शाम तिकाच मिशीन म्हणटा.

"ना. आयज फावना. मिशिनान लिस्ट दिलां. तें सामान घेवपाक जाय. आयज मिशीन वरें ना. मात्शें बेगीन वचपाक जाय". पूण शाम जेन्ना वेगीन वचपाक जाय म्हणटा त्या दिसा हटकून ताचो खबरींक मूड लागता. दर्याचे वेळेवेल्यान थंड रेवेंत उपत्या पांयांनी चलप रावप - तें लेगीत शामासारक्या समाधानी मनशावांगडा - हें संवसारांतलें एक व्हड सूख. मनासारकें भोंवून जातरीच ताची नदर काजुल्याभशेन लुकलुकता. अशा वेळार तो चड उलयना. मदीं मदीं म्हज्या तोंडाकडेन पळयता आनी हांसता.

म्हाका वडवडपाची सवंय. शाम मेळ्ळे उपरांत तरतरांचे प्रस्न हांव ताचे मुखार दवरतां. ऑफिसांतले प्रश्न- घरांतले प्रस्न- तो म्हजें सगळें पुराण आयकून घेता. मदीं मदीं मात्शें तोंड घाल्ता आनी मागीर सदचींच जाप दिता- आरे. हें अशेंच चल्पाचें. तें धरून वसपाचें न्हय. सोडून दी! चल एक च्या मारूंया हुनहुनीत- मागीर एकाच जाग्यार वसून तो तीन - तीन. चार-चार च्या पिता.

ताणें कितेंय तरी सायड-बिझनेस करचो म्हूण हांवें शंबर फावटीं सांगलें. तसलें तो कांयच मनींत धरना. गणीत विशयांत तो वरो आसल्लो. अभ्यास करिनासतना ताका शंभरांतले शंभर मार्क मेळटाले. कांय भुरग्यांक ट्यूशन तरी दी अशें खूब फावटीं सांगलें. पूण ताणें आयकलेंच ना. एक फावट हांवें वळखीच्या दोन भुरग्यांक शामाचो पत्तो दिवन तागेर धाडले. ट्यूशनाची तांकां गरज आसल्ली. शामान तांका आर्वाशिवा करून एक म्हयनोभर ट्यूशन दिलें. भुरग्यांक ताचें ट्यूशन खूब मानवल्लें. पूण एक दीस शामान तांकां सांगलें, फाल्यांच्यान तुमी येवं नाकात. त्या भुरग्यांनी ती गजाल म्हाका सांगली. हांव शामाक मेळों आनी विचारलें. तेन्ना ताणेंसांगलें, सांजवेळार आपणाक भोंवपाक आवडटा. त्याच वेळार ट्यूशनाची भानगड घेवन वसचें पडटा. तें वंधनशें जाता. आपणाक बंधन उपकारना. शिर्विस हेंच एक व्हडलें बंधन. पूण तें तोडपाक जमना. तेभायर तरी आनीक कसल्यो कटकटी फाटल्यान नाकात... ते उपरांत मात आनीक कसलो धंदो कर अशें हांवें ताका केन्नाच सांगलेंना. ताचो सुखांतलो जीव दुख्खांत घालपाचें पाप म्हाका

कित्याक ?

पयशांचे वेव्हार ताका जमनात. पयशे वसूल करून घेवप तर ताका सामकेंच जमना. ऑफिसांतलो एक प्यून म्हयन्याम्हाल ताचेकडल्यान पयशे उठयता. थोडेशे पयशे पावते करता आनी परते उश्णे मागून व्हरता. तो मागत रावता, हो दीत रावता. हे विशीं शामाक विचारपाची माणसुकी ना. तो शांत चित्तान सांगतलो- जाचो घांस आसता तो खावन वता- कित्याखातीर रडपाचें? देवान कितें उणें केल्लां आमकां?

तो अशें म्हणटा तेन्ना म्हाकाय वी दिसता- खरेंच, देवान कितें उणें केल्लां आमकां? पूण हें दिसप विसप त्या दिसापुरतेंच. दुसरो दीस उजवाडचे आदींच, फांतोडेर हांतरूणार जेन्ना जाग येता, तेन्ना येदें व्हडलें लिस्ट दोळ्यांमुखार उबें रावता. रेशन वेगीन हाडपाक जाय, नाजाल्यार वरो तांदूळ सोंपतलो- नवो साक फोडून दी म्हणून सांगपाक जाय- धाकल्याचो अभ्यास घेवपाक जाय, नाजाल्यार ताचो नंबर सकयल वतलो. दूदकान्नीक तापोवपाक जाय- आमकां सदांच दूद लेट मेळटा- शेजरा मात आदीं दिता- तांकां सदांच कशें आदीं मेळटा? सांजच्या वेळार सायव नासतलो- एस. टी. डी. वयल्यान बॉंवे कॉल लावपाक जाय- निताकडेन उलोवपाक जाय- हिचेखातीर दोन मॅक्सी हाडपाक सांगूंक जाय; थंय बऱ्यो सवाय मेळटात. आर्नीक कितें कितें हाडपाचें तें हिका आतां उठ्ले बरावर पयलीं विचारपाक जाय. बॉंबेकारां हांगा आयिल्लीं तेन्ना वरे तीनशें - एक रूपया आमी खर्च करूंक नात? पयशे कितें वाटेर पडल्यात?

पूण असल्यो वारीकसारीक संवसारीक कटकटी म्हज्या इश्टाक केन्नाच लागनात. आदीं आदीं म्हाका दिसतालें, शामाचें तें हांसप आनी ताचें तें सुखी रावप सगळें अडेचें. संवसारांतलो खंयचोच मनीस केन्ना सुखी आसूंक शकता? सुखी मनशाचें रूपडें तोंडार चडोवन हो सुखाचें नाटक करता जावंक जाय. पूण म्हजो हो दुवाव हालींच एके घडणुकेक लागून आपशींच कातरून गेलो. फाटीं ताचेर एक वगलांट आयलें. ऑफिसांत पॅटीकॅशवूक शाम सांबाळटालो. असलीं कामां जाचीं

ताणें करप. पूण शामाचो कारभारूच वेगळो. प्यूनासकट सगळे जाय तसो तो वूक वरयतालें. तातुंतल्यान एक प्रकरण निर्माण जालें. एक प्यून आनी शाम अशे दोग जाण सस्पेंड जाले. तेन्ना हांव काचावूल जालों आनी म्हज्या इश्टागेर धांव मारली. ताच्या घरांतले वातावरण कल्पनेंत म्हजे नदरेमुखार उबें रावलें. तें सोसपाची तयारी दवरून आनी वोल्सांत चडशे पयशे घालून हांव गेलों. थंयच्यान परतो येतना पयशे ताच्या हातींत दवरप असो हांवें विचार केलो.

पूण ताच्या घरांत जें वातावरण दिसलें तें पळोवन हांव सामको अजाप जालों.

ताची बायल सदचे भशेन मिशिनार बसून शिंवताली. तिका पळोवन मात्सो धादोशी जालों. उमथी मान घालून ताची चली अभ्यास करताली आनी शाम दोन वर्सांच्या आपल्या चल्याक घेवन सुरू उदारें न्हिदिल्लो. ताच्या उकत्या पोटार गुटगुटीत चलो न्हिदिल्लो. चलो नागडोच आसलो. दोगूय सुस्त न्हिदिल्ले. शामाचें पोट संथ लयींत वयर सकयल जातालें. आनी तेच लयींत चलो वयर सकयल झेलतालो.

"हें कितें करतावाय? असोच न्हिदता काय कितें हो सदांच चल्याक पोटार घेवन?"

"हय. तो बगर त्या दोगांकूय न्हिद लागना. इल्लोसो आसत सावन हांणी ताका सवंय केल्या. आतां पोटारूच न्हिदतलो म्हणून तो हट्ट धरता."

त्या दिसा हांवें सस्पेंशनाचो विशयूच काडलो ना. तो विशय काडून तें घरावें वातावरण म्हाका इबाडपाचें नासलें. पूण शामानूच तो विशय काडलो. सासके सादे तरेन ताणें तें म्हाका सांगलें. तो हाल्ूंक नासलो हें दिसतालेंच. येतना हांवें ताका सांगलें. 'कितेंय गरज लागल्यार सांग. अनमनूं नाका.' तो फकत हांसलो. त्या दिसांनी म्हाका फकत ताचोच हुस्को आसलो. फुडें कितें जातलें? ताची शिर्विस वचत जाल्यार? म्हाका सपनां पडटालीं. ताका डिसमिस केला- ताचो सुखी मनशाचो पार्ट कावार जाला - ताची सामकी दैना जाल्या - हांव ताचो संवसार सावरून धरतां

- ताका शिर्विस लायतां...

एक दीस ऑफिसांत ताचो फोन आयलो. "कितें म्हणटा, कसो आसा?" हांवें भियेभियेत विचारलें. ताणें सांगलें, "आरे तेंच सांगतां. हांव कामार हाजीर जालों. तें पॅटीकॅश प्रकरण मिटलें."

"मिटलें? बरें जालें. पूण कशें मिटलें?"

"आरे, तें मिटपाचेंच आसलें. हांवें पयशे खावंक नात हें म्हज्या दुस्मानांनी लेगीत सांगलें. बरें? तें आसूं. सांजचो मेळ. पयस वरे पासयेक या." अशें म्हणून ताणें फोन दवरलो. आनी हांव आयची सांजभर तरी एक सुखी मनीस जातलों, ह्या विचारान खोशी जालों.

❑ ❑ ❑

व्हॅरा

भोंवून आयल्या उपरांत बायलेन विचाल्लें

'तें चली कोण?'

'खंयचें?'

'तुमकां पळोवन हांसलें ते....

'केन्ना गो?'

तें हाग्गूंक ना... मिगमारा... लांब नाकाचें... गोरेंच....

'हां हां तें गो, तें व्हॅरा....'

'कोण व्हॅरा?'

'हांव आदीं Accounts खात्यांत काम करतालों. थंयचें कलीग तें.'

'कितलीं वर्सां काम करताले तुमी?'

'पांच वर्सां. कित्याक?'

'ना. हरशींच विचाल्लें.... तें हांसता बरें.... पूण तें मात्शें चड हांसलेंशें दिसना तुमकां?' हिणें विचाल्लें... ही इतली खोदून खोदून कित्याक विचारता?' हिका डावट आयला काय किते? कोणाक खबर!

आयज कितल्या दिसांनी मेळ्ळें व्हॅरा... आनी मेळ्ळें तेंय वी ही वांगडा आसतना.... खरेंच व्हॅरा... हांव तुका थल्ल्याप्रमाण मेळपाक शकलो ना.... तुका हांवें लग्नाक लेगीत आपोवंक ना... व्हॅरा... तूं म्हाका समजून घेशी?'

एकाऊंट्स सोडून हांव MPT त कामाक लागलों आनी मोटया यत्नान व्हॅराक विसल्लों. ताचो उगडास काडून रातभर जागप, तें वरांची वरां उलयत बसप.... ऑफिसांत कागदाचे गुटले करून एकामेकार मारप... घरचे प्रॉब्लेम आयले तेन्ना व्हॅराचें तें वागप... व्हॅरा... खरेंच हांव ताका केन्ना सारकें समजूंक शकलोंच ना. ताका विसरपाचो हांवें यत्न केलो. साधारणसो ताका विसल्लेलो लेगीत. पूण एक दीस वास्कोचे बशींत म्हाका तेंकून व्हॅरा. आदीं लक्षांतूच नासलें आमच्या कोणाच्याच; पूण मागीर पळय जाल्यार व्हॅरा.

'व्हॅरा! हेवटेन खंय गो?'

'आरे विस्नू! कसो आहाय? OK नो?'

'आसा. तूं खंय हेवटेन?'

'वास्को ट्रान्सफर जालां. कसो हा तूं? got married?'

'ना. तूं?'

'तूंच सांग. तुका कितें दिसता? जालांशें दिसता. हातींकोंडे पोव नाका... you guess...

'नाशें दिसता.... जालां गो?'

'oh विस्नू... आतां लेट जालो... आतां आंकवारूच उरपाचें हांव'

'कितें उलयता गो! तुका आनी लेट? you still look teenager...'

'फरगेट इट.... म्हाका सांग, आतां सुधाल्ला मुरे तूं मात्सो? oh you are still the old Vishnu...'

'छे छे ... आतां सामको मॉडर्न जालां हांव'

'कितलोसो?'

इतल्या म्हणसर ताजो स्टॉप आयलो. हात करून हांसत हांसत तें देंवलें.



त्या दिसा दनपारच्या जेवणावेळार व्हॅराची याद, ताका फोन केलो. तें जेवपाचें आसलें. म्हजें टिफीन प्यूनाच्या सुवादीन केलें. टॅक्सी केली. व्हॅराक घेवन जेवपाक गेलों. चिकन बी खालें. व्हॅरा हांसपाक लागलें.

'कितें? कित्याक हांसता?'

'तुज्या हातींत कोंबडेचो दोंको! I Could not have even imagined it. दोन वर्सांफाटी... good... keep it up...'

'तुकां किनें दिसता हांव तो विष्णू उल्लो म्हणून?'

'one who tried to commit suicide on the eve of results...' व्हॅरा हांसलें... खूप वेळ....



एक दीस व्हॅराक हांवें फोन केलो. ताका मेळल्याबगर रावूं नज जाल्लें म्हणून. ऑफिसांतल्यान मात्सो वेगीन भायर सल्लों. व्हॅरा म्हजीच वाट पळयतालें. दोनापावला वचून बसलीं. तळपांनी मुखार दर्या. सूर्य मावळपाची तयारी करतालो. तळपांची हूनसाण आंगाक कळटाली. लागीं व्हॅरा. ताच्या आंगाची हुनसाण कळपाइतलें लागीं. ल्हवल्हव मंद मंद वारो येवपाक लागलो... काळोख लेगीत मुयेच्या पावलांनी लागीं लागीं येता..... म्हजी तकली जाग्यार ना... व्हॅराक कवळून धरचें... ताका आंगान भिडोवचेंशें दिसता. ताजो हात हातींत घेवन हांव दामतां, खूप नेटान.

'विस्नू.... हाय! दुखता मुरे.... कितलो नेटान दामताय हात....'

'आनीक नेटान दामचोसो दिसता.... व्हॅरा....'

'सांग' तें म्हजेच कडेन पळयतालें.

'हांव एकलो पडलां व्हॅरा. म्हाका कोणूच ना... you know व्हॅरा, तूं म्हाका पयलींपासून वळखता...'

'हांव सामकें वळखतां तुका .... you are Vishnu'

'ना व्हॅरा ... I am serious about it...

खरें सांगूं व्हॅरा ...

'कितें? कितें जालां तुका ....

'म्हाका तूं जाय ....'

'हें चो, आसा तुजे बोगला हांव .... I am yours

'तूं जाय म्हाका व्हॅरा'

'you mean sex?'

हांव वोगीच रावलों ....

'कमॉन विस्नू .... I give what you want... I love you Vishnu... you know it very well.'



पूण त्या दिसा व्हॅराकडल्यान हांवें कांयच घेंवक ना. हांव घेवंक शकलोंना. तें तयार आसलें ... म्हज्या सभावांत तें बसना जालें ... पाप करता शें दिसपाक लागलें ... पूण व्हॅरा काय तकलेंतल्यान वचपाक तयार नासलें. एकदीस ताका सांगलें,

'व्हॅरा ... I cannot forget you... I tried to...

'मागीर .... What is the problem?'

'पुण व्हॅरा कशें जातलें आमचें?'

'म्हुटल्यार कितें विस्नू! If you like me, if you love me जाल्यार मागीर विसरपाक कित्याक सोत्ताय तूं म्हाका?' खूप वेळ तें वोगीच रावलें. मागीर ताणें सांगलें-

'एक सोल्यूशन आसा.'

‘कसलें ?’

‘you get married to a girl... काजार जा आनी चोय... तूं जाग्यार येतोलोय . . . you want something. . तें तुका मेळपाक जाय . . . मागीर तूं धादोशी जातोलोय . . .

'How will I forget you'?

‘ आपशींच . . . After marriage, things change a pretty good. तूं म्हाका चार दिसांभितर विसोत्तोलोय .’

‘ना व्हॅरा, हांव तुका केन्नाच विसरचोना .’

‘विस्नू . . . विस्नू पिशें किन्याक पांगुत्ताय . . . Do you love me Vishnu?'

‘तुकां कितें हांव फकाणां करताशें दिसता ?’

'I love you so much, What about you?

‘तूं जाणाय तें वोरेभाशेन . . जाल्यार मागीर लेटस् गॅट मॅरिड . . फर्गेट एव्हरीथींग . . . . Your mother, your family... your caste, your religion...'

‘तूं तयार आसा ?’

‘म्हाका कांयच प्रॉब्लेम ना . . . म्हजो पापा मॉडर्न आसा . . . आनी हांव लोक कितें म्हुणटात तें वॉदर कोन्ना . . . What about you?'

'I am ready. पूण हांव तुका खऱ्यांनींच जाय मुगो ?’

‘कितें हें विस्नू ? One must have faith in himself... मागीरूच तूं दुसऱ्याक पात्तेवपाक शिकतोलोय’.

‘आमी लग्न करूंया व्हॅरा . . . I have come to this conclusion'

‘विस्नू . . . you have to think throughly well... तुज्या जिविताचो तो प्रस्न जावन आसा . हांव एक आयडीया सांगतां . पळय उपकारता जाल्यार . . .

‘कितें . . . .

‘आतां स म्हयने मेरेन आमी एकमेकांक मेळूंया नाका.... मागीर लेगीत तुका दिसलें काजार जावंचें, जाल्यार आमी काजार जावंया’.

‘स म्हयने कित्याक रावप?’

‘हांव जाणो.... तुजो डिसीजन सामको जावंक ना.... तुज्या माथ्यार जायते प्रॉब्लेम्स आसात... घडये तुका हें काजार वऱ्याक पडचेंना.’

'What about you? तुका हें सगळें.... I mean, how can you think all these things so thoroughly well?'

‘म्हाका सवंय आसा... I can separate sense and sentiments.'

‘तूं फिलॉसॉफर बी काय कितें गो?’

‘जोण एकलो फिलॉसॉफर आसता आपले जिणेचो.’

स म्हयन्यांभितर एक फावट तें म्हाका मेळलें. पूण उलयलें ना. एक फावट हांवे ताका फोन केलो. वयल्यावयर उलोवन ताणें फोन बंद केलो.

व्हॅराचो विचार मनात आसलोच. पूण मदीं हांव दोन म्हयने कामाखातीर भायर उल्लों थंय एक वळख जाली. तो मनीस म्हाका बरो दिसलो. हांव ताका आवडलों. मागीर गोंयां येतकीच ताणें म्हाका प्रपोजल हाडलें... चली तार्चीच आशिल्ली. ताचो ब्लॉक आशिल्लो. तो चलयेच्या नांवार करपाक तो खोशी आसलो. चली शिर्वीस करतालें. चलयेक भावबीव कोणूच नासले. आवयबापायलें एकलेंच चली. ना म्हणपाक म्हजेकडेन कारण नासलें. ल्हवल्हव हांव घुस्पलों. ब्लॉक... प्रॉपर्टी... कीं तें गोरें धवें चली कोणाक खबर.. व्हॅराचो उगडास त्या दिसांनी म्हाका जालोच ना... आमचें लग्न थल्याउपरांत एक दीस व्हॅरा दिसलें... ताणें म्हाका हटकुपाचो यत्न केलो. पूण हांवें ताका पळोवन पळोवंक नाशें केलें... त्या दिसा म्हाका ताचो खूप उगडास आयलो. आनी स म्हयने जावन गेल्यात हेंय म्हज्या लक्षांत आयलें... आतां वोगीच रावप होच उपाय आशिल्लो. हांव वोगी रावलों. लग्नाचें आमंत्रण सांगपा वेळार परती व्हॅराची याद आयली... पूण ताका ना


आफवपच बरें असो विचार करून परतो वोगीच रावलों...

आयज व्हॅरा मेळलें.... ताका कळ्ळें... म्हजें लग्न जालां. ताणें बायलेक विश केलें.. ताणें कांयच दाखोंवक ना.... ताका कितें दिसलां आसतलें कोणाक खबर... आयज म्हाका दिसता हांव व्हॅराच्या लेव्हलाक केन्नाच वचूंक ना... ताणें म्हाका समजून घेतलो, गायड केलो, पेट्रोनायज केलो... व्हॅरामुखार हांव ल्हान भुरग्यासारखो अवखळ वागलो... खरेंच व्हॅराची maturity म्हाका केन्ना येतली काय? आनी व्हॅरा म्हाका विसरूंक पावलां कांय? हें म्हाका केन्नाच कळपाचें ना...

❐ ❐ ❐

१३

दूधसागर



लेज हॉस्टेल. राघू खाटीर न्हिदून आपल्याच मनाकडेन पळोवपाचो यत्न करतालो. आयज सुटी. पूण आयज सकाळसावन ताका कितें जातालें ताकाच कळनासलें. सुटी आसून तो घरा गेलो ना. कितलें फावट तो उठलो आनी परतो खाटीर पडलो. फिरत्या पंख्याच्या आवाजाकडेन - दर्याच्या गाजीकडेन लक्ष दिवपाचो ताणें खूप यत्न केलो. पूण मन सामकें अच्पळ जाल्लें... कितें करचें हांवें? सांबाळपाचें, थातारपाचें तरी कितलें म्हणून ह्या मनाक...?

करचें तरी कितें? वचचें? असोच धांवोन वचून... खंयतरी स्टिव्ही वंडर हाचें फामाद गीत परतें परतें वाजता.

I just call to say
I love you s s... ...
.. ... And I mean it
from the bottom of my heart...

• • •

सायकल घेवन सगलें शार ताणें चाळून काडलें. दोन-तीन जार्दिनां, सुटयेच्या दिसा उकती आसपी एक लायब्ररी, शर्शीच्या फ्रेंडाचें - आदितीचें घर... थंय तर दाराक कुलप... तिडकीन ताणें कुलपार एक मूठ घातली. कुलप मान हालयत धोलत रावलें... खंय आसत काय हें अवजाळें पोर?... दर्या वेळेर? थंय आसत? सायकलीर उबो रावून तो चलयतालो. दोन तीन मैलांची ती वेळ ताणे वारीकसाणीन

सोडपाचो यत्न केलो. तें खंयच नाशिल्लें. वेळवयल्यान तो परत आयलो तेन्ना आंगांतल्यान घामाच्यो पावळ्यो व्हावताल्यो. आतां तर सायकलीची गती आनीकूय मात्शी वाडिल्ली.



हॉस्टेलार परतून आयिल्लो त्या वेळार तो घामान भिजून गेल्लो. पार्टनर चीट दवरून आपल्या घरा गेल्लो. बरें जालें... आतां ताचे चौकशेच्या तडाख्यांतल्यान सुटलों. ना जाल्यार विचारपाचो... खंय गेल्लो? कितें जालां तुका? तुजें लक्ष खंय आसा? हे चल्लां तें वच्याचें? तुका पास जावपाचें ना? चलयांच्या भागनडींत एक फावट पडल्या उपरांत कोण सुटला तातुंतल्यान?... राघूक हांसूंक आयलें... भानगडी खंय.. एकेक फावट अशें जाता... ताच्या शिवाय कांयच नाका जाता... तें... फकत तें... ताच्या वगर दोळ्यांक कांय दिसना.... कानांक कांय आयकूंक येना. हाका तू भानगड म्हणटा? हांव भानगड करपी नसल्या भुरग्यांतलो?... पंखो फास्ट सोडून तो खाटीर उमथो न्हिदलो. पंख्याच्या आवाजाचो सवंय. ताचो आवाज आयकुपाक बरें दिसतालें... त्या आवाजाच्या लयीर आपलें मन जाग्यार हाडपाचो तो यत्न करपाक लागलो. मागीर केन्नातरी ताका न्हीद लागली.

आपल्याच भितर गुणगुणत. वाऱ्यार हुवत येवचें तशें शशी आयलें. दार उकतें आनी पंख्याचो आवाज तर पयसुल्ल्यानूच येतालो. घपापून तें कुडींत आयलें. आंगावयल्या कपड्यांसयत राघू खाटीर उमथो... कपडे... पुस्तकां हांगा थंय शिंपडून पडल्यांत... कितें जालां काय आयज? वारा फाटोक लागिल्लेवरी व्हडल सायकल धांवडायतालो. हांवें मारिल्ले उलें लेगीत आयकले नात. आयज कितें नवें तकलेंत भल्लां कोणाक खबर. दिसपट्टें कितें तरी नवें पिशें जाय हाका. आयज हायकिंग फाल्यां स्विमिंग- परा ट्रेकिंग... राघू... How can I accompany everywhere? तुज्या दर एक पिशेपणांत वांटेकार जावपाक म्हाका आवडत... पुण दरएक फावट हांव कशें येवंक शकतां तुज्या वांगडा? चलयांचें - बायलांचें

[illegible]... [illegible]... [illegible] तुका गवू.
[illegible] ह्या [illegible]... पूण तुका
तें कशें पटोवपाचें?....

'गवू ... गवू ऽऽ'

तें गवूक [illegible]. गवू हूं ना हूं करीना 'गवू. कमॉन... वॉ अ गुडबॉयऽऽ'

तो उठपाक तयार ना. तें गवूक [illegible] करता.

'ओ! [illegible] हो तूं... [illegible] हुनेन! [illegible]! किते पूण [illegible] तुज्या [illegible]! [illegible]... तुका [illegible]... दोन दोन. तीन तीन [illegible] तुका [illegible]... [illegible]... [illegible]. सामको [illegible]! [illegible] कोंडांत [illegible]... गवू... उठ... तुजें [illegible] तुजें [illegible]... उठ पळोवया आतां' तरी लेगीत गवू उठपाक तयार नाशिल्लो.

'गवू... तूं उठना... [illegible]... हांव [illegible]... [illegible]...' अशें [illegible] शशी [illegible]. शशी [illegible].

ताच्या [illegible] आवाज आयकून गवू आवाज करी [illegible] उठता आनी मालगाच्या पावलांनी ताच्या फाटल्यान ताका वेंग मारपाक तयारेंत वता. गवू झडप घालता. पूण शशी ताचे वेंगेंत गावना. तिसऱ्या खिणाक शशीक गवूची सुलूस लागता आनी तें धान्ये भशेन अचळच हुडकी मारून गवूक चुकयता. तें गवूक चाळयता... चाळोवन चाळोवन हांसता.

आतां गवूक तिडक आयल्या. भायर गॅलरींत वचून तो पयस उद्यांचे दिकेक पळयता. ताची नदर खुंवतना पयस चुकता. शशी ताच्या फुडयांत येवन उबें रावता... मनांत कांय वेळान गवूचें लक्ष ना अशें पळोवन ताका तेंकून उबें रावता. पावस धोग्यांनी पडटा. वाऱ्याच्या [illegible] वांगडा वाज़झड आंगार वसता. शशी शिंत्रांनी आनी मनातल्यान भिरभिरून वता. पांवळेचें पोसोभर उदक घेवन तें सप

करून राघूच्या चेऱ्यार मारता. राघू ताचेकडेन पळयत रावता...

'खंय आसलें? कितलें सोदलें तुका?'

'हांवें पळयलेलो तुका!'

'आनी तरीकूय तुवें म्हाका हटकिलो ना.'

'सामकें फट... उरफाटें तुवेंच म्हाका हटकूंक ना. सामको फुड्यांतसून तूं पासार जालो. म्हजो उलो लेगीत तुवें आयकूंक ना.'

'हांव तुकाच सोदतालो' खूब वेळ राघू शशीच्या दोळ्यांत पळयत रावता. मागीर आकांताच्या नेटान ताचे दोनूय हात आपल्या हातांत घेता.

'शशी, ऽ शशीऽ'

'अं?'

'शशी, I want you... चल - आतां यो म्हज्या वांगडा!'

'खंय?'

'खंयूय! हांव व्हरत थंय'

'हूँ.

'चल - या - आता वचूंया दूधसागराक.'

'खंय? दूधसागर? आता रात जातली. दूधसागर खूब पयस आसा मरे?'

'तूं ना म्हणूं शकता शशी!'

'पूण राघू'

'येता काय ना इतलेंच सांग..'

'येता!' शशी ल्हवूच म्हण्टा. आतां शशीचें काळीज धडधडपाक लागता. ताच्या वांगडा रातच्या टायमाक भोंवपाक वचप...! थ्रिल आनी ... भिरांत लेगीत... कितें आसत काय ताच्या मनांत...? रातच्या वेळार अशा पयसुल्ल्या

सुवार्तीचेर .. आतां पावस आनींकूय वाडला. दर्याची गाज ताका लागून आयकुपाक येना... काय दर्याची गाज वाडल्या? तिचोच हो आवाज? कपडे पॅक करपाची राघू ताकतीक करपाक लागला आनी शशी ताका फकत पळयत खूंट कशें उबें.

कांय वस्तू राघून सॅकांत धुकल्ल्यो. कांय काडल्यो. तातूंतल्यो कांय परत्यो धुकल्ल्यो.

'आठ वरां जावपाची आसात आजून.. पांच मिनटांभितर भायर सरतां... निमाणी बस धरूंया' अशें म्हणून राघू कपडे बदलपाक लागलो. कपडे बदलतना तो मात्शें भायर वच अशें सांगपाक विसल्लो काय? शशी विचार करता. तें परतें वचून भायर गॅलरींत उबें रावता, दाराकडेन फाट करून.

'चल या... निमाणी बस धरूंया..'

'दूधसागर वचपाक डायरेक्ट बस आसा?'

'आगो, वास्को वचप. थंयच्यान ट्रेनीन दूधसागराक'

'केन्ना पावतली? रातीं खंय रावतली? तूं आदीं पावला थंय?'

'तसो पावूंक ना. ट्रेनीन थंयच्यान पासार जाला! oh! कितली सोबीत ती सुवात... तो धंडथंड दोंगरांचो ओडलायणो वाटार आनी तो उदक आनी फेण हांचो खेळ! जुल्मी सुल्तानाभशेन थंय पावस आपलो शेक गाजयता. चक्रम जाल्ल्याभशेन पावस घसघशांनी वोतत आसता... शशी, पावसाचो सभाव असो विचित्र कसो?'

'तें तुकाच बरें खबर आसतलें!' शशी म्हण्टा आनी इतल्या वेळा उपरांत पयलेंच फावट राघू हांसता. मनातल्यान हांसता. ताजो मूड आतां बदल्ला. ताच्या चेऱ्यावयल्यान शशीक कळटा...

तीं दोगांय पावलीं तेन्ना निमाणी बस वताली. राघू वशी मेरेन पावलो. तो वशींत चडलो लेगीत. मागीर ताच्या लक्षांत आयलें. शशी अजून खूब फाटीं आसलें. बस दोन मिनटां रावली. मागीर कंडक्टरान ताका देंवपाक सांगलें.

'आसं नये तुज्या मनाप्रमाण ?' इतलें म्हणसर खुर्शेंत बसटांगार पावेल्ल्या अशोक नाण तिडकून विचाल्लें. अशोक हांसपाक आयलें. ताचो गोरो चेरो खुशेवन तावडोच जाल्लो. तो आनांकूच माल्लो तांबडो जालो.

'चुकली तर चुकली. तूं किल्याक आइता ?' नाणें विचाल्लें.

'आता कसो वचप ? गो ! तुमी तनस सगळो वायर अशीच.' अशोको शाळ्ल्यांचो जान तुजेर मनसपणाक ओंगल्ल्यान इकमारीन वाट पळयत रावतली अशें समजून तुज वायलो हयच्यामेजेन धोंवत धोंवत नयकास - सत्र कामं चलतात- ' खरें उस्चलो! नशीब दवर, संसार चल्ता तो आमच्या सारक्याक लागून. ना जाल्यार तूं सारके हुतहुते जल्ले गोसांयच राज्य पुरयतलें आसलें. तूं जाल्यार नसताच हुतहुतो. . करो तूं पाव म्हयते पाव तोस. . . ' अशोकें अधार सोडून आशा हास्पें आनी रघवाचो नवो गूज पळोवन ताका आनांकूच हांसुक आयलें.

रघवान रेनकोट काडून वयर भिरकावन माल्लें आनी तें अस्मनाहें सोडून धावनेक बसचे नाकें बसलो, पायसात भिजत, दोळे धांपून.

'रघू ! किल्याक भिजता ? थंडी जावचीना ?' हें ओनिक करसें नवें आवटंपण ?'

लागीं वचून ताचेर शर्शीन सत्री धरली.

'राघू. भिजता किल्याक? थंडी जावचीना?'

'वच करें. आताक वायल्यानजांत पोटच्या पोंगाखाणेर सलयवून वचपी एक उदक आस्स हें म्हाका बरें कल्लन खबर आसा. तुज सच्या तुजे मांयचो नवो मांल्गी चाटो वे. घोंगोय म्हाका आत्ताच तल्याक आंपल्या गेडक्या नांवेन जावपाक नाका. मन्गो कुशीक दवर तुजी ती माया. . .?'

'तसें जाल्यार तूं मार इक !' अशें तिडकेन म्हणत आनी पांय आपटीत अशो उक्या रस्त्यान फाटीं परतून वचपाक लागले. पांच-धा पावलां पावलो राघून

वाट पळयली तरी शशीन फाटी पळोवंक ना.. ताची चाल मंद जाली ना... मागीर मात राघूक दिसलें खऱ्यांनीच राग आयला दिसता हाका. आतां कितें करचें असो विचार करीत तो उठ्लो. इतले म्हणसर वास्कोवटेन वचपी एक कार लिफ्ट मागून शशीन थांबयली लेगीत.

'दोगाजणांक वास्को सोडशात? वस चुकली आमकां!'

कार आर्दीच पॅक आसली. चलोवपी धरून फुडें तीन मनशां- एक जोडपें जांवचें. फाटल्यान तीग जाण तरनाटे आशिल्ले.

'फकत हाकाच मान्शी सुवात दियात' राघून फावोर मागलो.

'आनी तूं कसो येतलो?' किळांच मारून शशीन विचाल्लें. अकस्मात लिफ्ट मेळ्ळी ती पळोवन शशी खुशालभरीत जाल्लें.

'हांव फाटल्यान बसतां - डिकयेंत.'

'पूण फाटल्यान आर्दीच दोगजाण भल्यात आमी!' त्या तरनाटच्यांतल्या एकान सांगलें आनी सगळेजाण हांसले.

'तशें जाल्यार कारी फाटल्यान धांवून येवपाशिवाय दुसरो उपाय ना म्हाका- दोगांत तीग जाण तेय वी डिकी सारक्या प्रायवटे जाग्यार तरी नाकाच!'

'तशें कित्याक? आमी तुका टपार वांदतात! मार वयर हुडकी!'

हांसत खेळत तीं रेल्वेस्टेशनार पावलीं. ट्रेन सुट्टां सुट्टां गावली.

'राघू! कितलीं भुरगेपणा हो! इतलो वोवाळ करून आजूच. तेंय रातच्यावेळार थंय वचपाची कसली गरज आसली!'

'It's thrilling... हातूंतच मजा आसा.'

टी. सी. आयलो. उत्सुकतायेन शशीन ताका विचाल्लें.

'दूधसागर स्टेशन कितल्यांक येतलें?'

'बारा बजनेके पहले.'

'वहाँ कौनसा लॉज अच्छा है रहने को?'

ह्या प्रश्नाचेर टी. सी. केंगीत हांसलो. राघवान हांसून ताळयो पिटल्यो.

'तुमी हांसले कित्याक? क्या हुआ?'

'यू. सी... दूधसागर को सिर्फ वाटरफाल है. वहाँ स्टेशन है! उसके सिवा कोई घर नहीं हैं। पहाड में लोनली जगा है।

'राघू, मागीर आमी रावतली खंय?'

'रावूया गो, स्टेशनार बसून रावूं या'

'नहीं साब... आपको कॅसलरॉक जाकर रहना पडेगा। वहाँ बडा स्टेशन है। वेटिंग रूम में रहना। दूधसागरको तुम बैठनेको भी नहीं सकेगा...? ताणें भायर पळयत म्हटलें.

'मगर दूधसागर अच्छा स्पॉट है। कल जल्दी सुबह को दूधसागर वापस आना। बहुत अच्छा दिखता है। बिल्कुल शंकरभगवान जैसा।' अशें म्हणून ताणें दोळे मिटून घेतले आनी पांयां पडलो.

भोंवतणीं पावस. सरभोंवतणी गच्च रान. तोडून दवरिल्ल्या व्हडल्या व्हडल्या रूखांची नाटां. तांच्यो रशीच्या राशी हो एकूच रजाल मनीस वावुरतात अशें दाखोवन दितालें. बाकी सगळें चारांयवटांनी रानूचरान. रातच्या एकाक गाडी कॅसलरॉकाक पावली. स्टेशनमास्तर बरो आशिल्लो. हजारपंदरा रजाली ताणें विचारून घेतल्यो पूण तांचे खातीर फस्टक्लासाचो वेटिंगरूम उक्तो करून दिलो आनी सांगलें,

'आरामसे रहना. यहांसे तुमको मालगाडीपर बैठकर दूधसागर जाना पडेगा। यहांसे पॅसेंजर ट्रेन नहीं है। अब आराम करो। अंदरसे दरवाजा बंद करो। इधर एक चोर आता है।' अशें म्हणून तो गेलो आनी राघवान दार बंद करून घेतलें. अजापान शशीन राघवाकडेन पळयलें. राघवाची नदर ताका वेगळीच दिसली. ती ल्किल्किताली. कितें आसा काय हाच्या मनांत? ताका दिसलें राघवाक

मांगचें दार उक्तेंच दवर म्हणून... पुण ताका तें इन्सल्टिंग दिसलें जाल्यार...?

'तूं ह्या ओल्तेरांत न्हीद... हांव वाचत बसतां' राघवान सांगलें. शशीक शियांचो कुडकुडो आयिल्लो. ताचेकडेन आंगावयल्या कपड्यांशिवाय कांयच नासलें. राघवान सॅकांतल्यान आपलो बॅगी शर्ट काडून ताका दिलो. तो घालून तें दोळे धांपून पडलें.

'शशी, ह्या शर्टांत तूं सामकें क्यूट दिसता मगो?' शशीन दोळे उक्ते केल्लेनात. तें वोगीच रावलें. कांय वेळान ताका न्हीद लेगीत लागली.

तें घुस्मटमार जावचो तशें जावन जागें जालें. पळय जाल्यार राघवान ताका घट धरिल्लें आनी राघवाचें तोंड सामकें ताच्या तोंडामेरेन लागी पाविल्लें...

'हें कितें राघू...?' धडपडून तें उठपाक लागलें. पूण राघवान ताका आनीकूच वेंगेत घेतलें. आनी ताणें चुकोवपाचो यत्न करून लेगीत ताच्या ओंटांर आपले ओंट तेंकयले. ओंटांच्या स्पर्शान राघवाचो तोल गेलो आनी शशीक ताणे वोडून सामकें कवळून धल्लें. ताचे मिटयेंतल्यान जितलें तें सुटपाचो यत्न करतालें तितलो राघवाक आनीक नेट चडटालो.

'शशी, फकत एकूच फावट... only once....'

'ना ना केन्नाच ना राघू... सोपूत आसा तुका.'

'नो.. आयज सोपूत लागना म्हाका.... आयज सोपूत घालूं नाका... आतां म्हाका समजून आयलें सकाळच्यान म्हाका कितें जातालें तें... शशी... एकूच फावट... फकत एकूच.... प्लीज...'

'राघू.... राघव कितें हें? तकली जाग्यार आसा तुजी?' कळवळ्यान शशीन विचाल्लें. पूण खऱ्यांनीच तकली जाग्यार नाशिल्ल्यान राघवाक तें आयकुपाक आयलें ना. ताणे शशीच्या कपड्यांक हात घालो. शशीक कळ्ळें आता हाका थांबोवपाक एकूच उपाय म्हटल्यार बोवाट मारप. पूण ते तशें करूंक शकनासलें.

'राघू ... राघू... नाकारे... पायां पडटां तुज्या हांव...' शशीन निमाणे

एक फावट सांगून पळयलें. राघू मात्सो जाग्यार आयलो.

'राघू तुका सांबाळ...'

'हांव सांवाळूक सोदतां शशी... पूण... पूण...

त्याच वेळार दारार कोणेतरी खटखट केलें. पयले फावट राघून आयकूंक ना शें केलें. पूण मागीर रोकडेंच नेटान वाजलें आनी एक सारकें वाजत रावलें. चडफडत राघून शशीक सोडलें आनी दार उगडपाक गेलो. खिळयेक हात घातल्या उपरांत ल्हवूच चोर नदरेन ताणे शशीकडेन पळयलें... तें पळयना ती वेळ साधून... आनी ताणें कपडे सारके केल्यात तें पळोवन मागीर दार उघडलें. त्या बरावर एक गुंड कसो दिसपी मनीस भितर घुसपाक लागलो. ताका खेंटून एक बायल मनीस आसली. पानान तिणे आपलें ओंट आनी दांत तांबडेच केल्ले. दार उकतें करिनाफुडें तो भितर घुसलो. ताच्या तोंडाच्या वासाक लागून राघव फाटीं सल्लो. त्या मनशान बायलमनशेक हाताक धरूनच खस करून भितर ओडली तेन्ना ती दांत दाखोवन फेचे फेचे करून हांसली.

'ये फस्क्लास रूम है।' तिडकीन राघवान सांगलें.

'हमकू मालूम है' अशें म्हणून त्या दादल्यान बायलेकडेन पळयलें. आनी दोगांय हांसलीं.

'तुम आराम करो... हम भी आराम करेगा. तुम फिकिर नहीं करना...' अशें सांगून तो दादलो आवांनाद कदेलीर बसलो. ते बायलमनशेन वेगोवेग आपलें कुबेर्ड काडले आनी थंयच्या बांकार ती न्हीदली लेगीत.

'शशी... आमी हांगा सल्ल्यान भायर या' राघवान शशीकडेन पळयनासतना म्हटलें.

'नाका. भायर काळोख आनी पावस... हांगा उजवाड तरी आसा.'

त्या दादल्यान बोल्सांतल्यान धाकटी बाटली काडली. ती मात्शी आपल्या तोंडांत उमथी कली. इयेतान पांय वयर घेवन तो बसलो. राघवाक ताची खूप

तिडक आयिल्ली. पूण कितें करचें हेंच ताका समजना जालें. त्या दादल्यान झेल्पत उठून दार बंद केलें. दिवो पालयलो आनी तो त्याच बाकार लवंडलो. मागीर तीं दोगांयजणां कितेंतरी फुतफुतलीं. जनेलांतल्यान मात्सो उजवाड भितर येतालो.

'तुका भिरांत दिसना मगो?' शशीकडेन पळयनासतना राघवान विचाल्लें.

कांय उलयनासतना शशी राघवाच्या लागीं येवन वसलें.

'शशी, I am sorry?' राघवान घोगऱ्या आवाजात म्हटलें त्यावराबर शशी हुंडकेवपाक लागलें.

'कितें जालें शशी?'

मान हालोवन कांयच ना अशें शशीन सुचयलें. पूण तें ल्हव ल्हव हुंदकेत रावलें. ताचे फाटीर हात भोंवडावचो अशें राघवाक दिसलें. पूण ताका परतो हात लावप लेगीत राघवाक लजेचें दिसलें. व्हदळची ताची नदर याद जाली आनी राघवान मनातल्या मनात आपलेंच तोंड फोडून घेतलें.

ल्हव ल्हव त्या दादल्यान आपले चाळे करपाक सुरवात केली. ती वायलमनीस फेचे फेचे हांसताली नाका नाका म्हण्टाली पूण... त्या दादल्याचो कुवेर्दातल्यान भोंवपी तो हात....

शशी आनी राघव एकाच वरावर थंयच्यान उठ्लीं.

'आमी भायर या हांगच्यान राघू.'

'हांव तुका तेंच सांगूक सोदतालो केन्नाच्यान... पूण भायर काळोख आसा... आनी म्हजेर तुजो आतां....'

'राघू सोपूत आसा तुका'. अशें म्हणून शशीन राघवाच्या हातार थापटिलें. तीं दोगांय थंयच्यान भायर सर्ल्नीं. तेन्ना त्या दादल्याचो व्हडल्या आवाजांतलो हांसो आयकून राघवाचें आंग शिरशिरलें...

ट्रेनीन फांतोड जातना तीं दोगांय दूधसागराक येवन पावलीं. राघवाची तकली

जाग्यारूच नासलीं. ताका मान्शी-न्हीद लागली. ट्रेनींचे लयींत तो झेमतालो. परतो परतो तो दादलो हांसतालो आनी दांत दाखोवन शशीकडेन लाल घोटींत पळयतालो.. हें चित्र परतें परतें दोळ्यामुखार दिसपाक लागलें. मागीर ताच्या जाग्यार राघवान आपणाकूच पळयलो आनी तो घामाघूम जावन खडायंच करून जागो जालो. तेन्ना शशी ताका उठयतालें.

'राघू... ऊठ... पावलीं... पळय भायर- उजवाडपाक लागलां निकतेंच' कांय उलय नासतना तो देंवलो.

आतां पावस थांबलो आनी सरभोंवतणच्या पांचव्याचार दोंगरांक उजवाडाची सुलूस लागल्या. रेल्वे लायनीच्या कडेकूच एक गवारेडो आपलेच भिरकेंत चरतालो. ताचे लागीं राघव पावलो. मान्शें फाटीं आशिल्ल्या शशीन मोट्यान आड्डून सांगलें.

'तो पळय राघू कोण तो... आंगार येयत तुज्या!' तें धांवून राघूलागीं आयलें. राघूक ताची खबरच नासली. तो सरळ आपलेच भिरकेंत फुडें गेलो आनी तो गेलो हें पळोवन जीव मुठींत धरीत शशी थंयच्यान धांवलें.

न्हावन धुवन शुध्द जाल्यासारको तो सैम पांचव्या कोराच्यो तरतरांच्यो शेडस् आनी तो फातोडेची एकान्त वेळ. राघवचें मन शांत शीतळ जालें आनी ताणें रातच्या त्या प्रसंगा उपरांत पयलेंच फावट शशीकडेन पळयलें. ताच्या निवळल्ल्या मनाचें प्रतिबिंब ताच्या चेऱ्यार शशीक दिसलें काय? शशी ताच्यालागीं आयलें आनी ताणें ल्हवूच राघवाच्या हाताक स्पर्श करून म्हळें....

राघू... I am sorry..'

अजापान राघवान ताचेकडेन पळयलें.

'किते पळयता... आवाज येता तो आयकूंक येना...? चल सडसडीत.' दूधसागराचो आवाज इतल्या मोट्यान येता आसतना आपणाक तो आयकूंक कसो आयलो ना इतलो वेळ? अजाप करीत तो नेटान चलपाक लागलो. फुडल्याच मोडणार

तो आसा म्हणपाचें खरें लेगीत दिसनासलें. दूधसागरामुखार तो उबो रावलो आनी ताका टी. सी. ची याद जाली.

- बिलकूल भगवान शंकर जी जैसा- तो घनगंभीर आवाज आनी तें शुभ्रधवल रूप.

'शशी... शशी' ताणे शशीचो हात धरलो. शशीन ताच्या दोळ्यांत पळयलें.

'शशी.. रातीं त्या मनशाक लागून... आनी तुकाच लागून खरें म्हटल्यार..'

'राघू... कसलें हें पिशेपण... म्हाका विश्वास आसा तुज्या निर्मळ मनाचो... ह्या वाठारासारकेंच तें आसा. म्हजो विश्वास आसा.'

'मागीर. शशी... रातीं म्हजें वागप... हांव...'

'तो खरो तूं न्हय. राघू, तो जुवान रक्ताचो हुंवार...'

'शशी तुका केन्ना येना असो हुंवार?'

'म्हज्या राजा राघू, हांव खंय सुटलां ह्या हुंवारांतल्यान? म्हाकाय येता... पूण'

'पूण कितें?'

'आमची बायलांची गजाल मात्शी वेगळी. ती गझल खबर आसा? मात्सो बदल करून सांगचे जाल्यार.'


उधर तो जल्दी ही जल्दी है

इधर आहिस्ता - आहिस्ता-

असो आमचो सभाव राघू... कळ्ळें मरे? देखून आमची चाल तशी. कशी? 'कळ्ळें! कालचे भशेन.... इतश्च इतश्च...'



सोद



वल्हव तिळसांज जशी गडद जाता, तशें एकटुकेंपण लेगीत कुसाकुसान वाडत वता हें आयज परथून एक फावट केशवाक कळून आयलें. सरभोंवतणच्या दोन-तीन कोसांमेरेन मनीस जातीची खूण लेगीत मेळप कठीण आसलें. कणकीच्या बेटांतल्यान वाट काडून एक दोंगर तो चडलो आनी जीव मात्सो विसवपाखातीर तळपाचे फाटीर पातळ्ळो. माथ्यावयल्या मुंडाशाचें उशें करून, मात्सो दोळो धांपता म्हणसर भालवेन आपली हुयेल माल्ली आनी तिचो आवाज मुखावयल्या पालसणात आपटून परतो आयलो. त्या प्रतिध्वनीन ताज्या आंगार कांटो उबो रावलो. धडपडून उठून तो बसलो आनी परतें एक फावट अजापान आनी भयान ताचें शिरंतर शिरशिरून गेलें. मुखार पन्नास पावलांर एक म्हालम्हातारो वड शेकानशेक पातळिल्लो आनी ताज्या मुळांत एक पडींग घर काळखांत हय-न्हयशें दिसतालें. ताज्या पाडसार आनी पडवेचे जमनीर लवंडून पडिल्ल्या पांख्यार तणाच्यो राशी मातलेल्यो. कितलीशींच वर्सां त्या घराक मनशाचो हात लागूक ना हें सत कोणाकूय समजपासारखें आसलें. त्या घरांत पांय दवरपाच्या विचारान लेगीत केशवाचो जीव हुमकळयाभशेन जालो. पूण आयची रात ह्याच रानात काडपाची आनी ती लेगीत ह्या घरांत, हें ते रातीचें आपलें भविश्य केशवाक पुराय कळ्ळें. जेन्ना दुसरो उपाय ना जाता तेन्ना मनीस काळीज निबर करता आनी सोंसू नज तसलें दुःख, आकांत हाडपी प्रसंग लेगीत भोगता आनी तातूंतल्यान लेगीत कितेंयतरी देख घेवपाक सोदता... चिंतता कि तिचो जिणेच्या फुडल्या मोडार केन्ना ना केन्नातरी उपेग जातलो. मुखार वाडून दवरिल्लें दुख भोगप एक वेळ सोंपें पूण दुख भोगपाची कल्पनाच चड भिरांकूळ आसता काय? जेन्ना भोगपाचो प्रसंग येता

तेन्ना मनीस कमर बांदता आनी त्या दुखांचे फातर फोडपाक लागता.

केशव त्या घरामुखार पावमेरेन सामको काळोख जाल्लो आनी संधीप्रकाशांत घराफाटलो वड भिरांकूळ दिसतालो. ताजीं पाळां सरभोंवतणी पातळिल्लीं. धव्या म्हांयडोळाभशेन ती विळख्या-विळख्यांनी जमनीक घांस मारूंक वताली. तांचे ते पिळवटे आपले फाटीकडसून येवन आंगाभोंवतणी पट्टले आनी मागीर आपल्या ताळ्यांतली किळांच लेगीत तोंडातल्या तोंडात शिरकून उरतली अशें ताका दिसलें.

तो भायले पडवेंत सल्लो. पडवेचें पाखें केन्ना सकयल देंविल्लें कोणाक खबर. मदले दोन खांवे आपल्या बोडार रूजून आयिल्ले. तणाचे चोंबे मार झेतान मुंडाशा भशेन मिरयत द्वारपाल कशे उबे आसले. तांच्या मदल्यान वतना केशवाक अचकीत तांच्या हातांतले काल्पनिक भाले खंयतरी तोंपले. पडवेर नळयां आनी नळकुटयांचो शिंवर जाल्यार कितलीशींच वर्सां जांवक जाय. आतां पडवेर धिपर भर तण मातलेलें. आश्विन सोंपपाक आयिल्लो आनी तणाची फुलां सामकीं भारार आयिल्लीं. नळकुटयांतल्यान नळकुटयांचे सारें करून तण अजापाचें मातिल्लें. केशवाक दिसलें, सगळया हावेसांत जगपाचो हावेस व्हड काय कितें ह्या संसारांत?

आतां रातभर त्या रानार काळखाचें शिंयाळ राज्य चलपाचें आसा हें कळून आयल्या उपरांत शिंयाळ वारें आंगाक चडूच चाबपाक लागलें. वालींनी अर्द्यामेरेन बंद केल्ल्या दरवटयांतल्यान ताणे भितर पळयलें आनी काळजात खप्प जालें. भितल्ले कुडींत उजवाड दिसतालो. तो हालतालो; चड करून रान्नीचो ना जाल्यार पल्ल्याचो. तो हालतालो आनी ताज्या वांगडा सावळयो हालताल्यो; तातूंत ती एक मनशाची सावळी आसली. भयान केशवाच्या आंगार कांटो फुल्लो आनी फाटकरून थंयच्यान पयस धांवत सुटचें अशें ताका दिसलें. ताणें फाटीं वळून पळयलें. वीणण काळखीरात... खंय वतलो...एका हात पारखून भविष्य सांगपी मनशान सांगिल्ल्या ताच्या भविष्याची केशवाक याद जाली... आपूण तेन्ना खूब हांसलेलो... ताणे सांगिल्ले .... वाट चलतां चलतां तुका मरण येतलें. तुज्या घरादारापसून पयस खंयतरी. रान आसत ना जाल्यार तळपटो सडो आसत... पूण लागीं लागसाराक

मनीस आसचोना.... मार्गीर फकाणांनी केशवान विचारिल्लें.

"मार्गीर म्हजे कुडीचें कितें जातलें तर? तूं म्हणटा तसल्या रानात आनीक कोण पावचोना न्हय?"

"तूं मेल्या उपरांत कुडीचें तुका कितें पडलां?" भविष्यकारान म्हटिल्लें. तें सगळें केशवाक येवजून आयलें आनी दिसलें... तो ताणें सांगिल्लो खीण होच काय? जर ती घटका आयल्याच जाल्यार मार्गीर भिवपांत तरी कितें अर्थ आसा? आतां जानां तें जावं अशें मनात म्हणत केशवान पावल फुडें घानलें आनी वालींच्या विळख्यांत घुस्पनासतना तो अचळय भीतर सल्लो. मदल्या दारांत तणांत लिपिल्ल्यो फातरांच्यो राशी आशिल्ल्यो. तांच्या वयल्यान दांग घालून तो फाटल्यान पावलो आनी तेन्नाच थंय आशिल्ले आकृतायेक केशवाची सुलूस लागली. कोणतरी फातरांचो आवाज करीत धांवून गेलो आनी एका म्हाताऱ्याचो कांपऱ्या आवाजांत धेंगसो आयलो.

"कोण तो? कोण आसा थंय? उलयना कित्याक?"

चुलींतलें लांकूड घेवन एक जुंग म्हातारो कडकडत फुडें आयलो आनी घामान थवथवून निचेश्ट उबो आशिल्ल्या केशवाक, कोलती सामकी ताज्या तोंडाकडेन धरून तेळपाक लागलो.

"कोण वामन? कित्याक आयला हांगा? म्हजें भांगर उटोवपाक? आतां कांयच उरूंक ना म्हजेकडेन... खऱ्यांनीच ना...."

"हांव... हांव केशव... म्हाका कांयच नाका.. आयची रात हांगा काडची म्हूण हांगा आयलों. ह्या रानांत हांव वाट चुकलां!" तो म्हातारो आवाज करिनासतना कळाहीन हांसलो.

"आरे कर्मा! तूं वामन न्हयतर? आनी तूंयवी म्हजेवरी वाट चुकला तर?"

कानांतल्यीं हाल्यत ताणें अदमास घेतलो.

"कोण वामन?"

"वामन... वामन म्हटल्यार... नवें पुताच तें म्हाजें... पूण तूं वामन नहय तर"

अशें म्हणत तागें कोंव्ली कसून उज्यांत उडयलें. लाकडां मान्शीं मारून येतलें. आतां तीन फातरांच्या चोंडावयलें मडकेंतल्यान भिजपाचो आवाज मात्सो मोट्यान येवपाक लागलो.

"यो अशो, बस ह्या धगाकडेन... आयज थंडी चडूच आसा. आतां रातीकसकणी तो वाडत जाणार. तो वाडत वतलो तो वह सकाळांच्या काळ्यांमेरेन... तेवटेन आमची वाडी आसा ह्या म्होंवल्या दोंगराच्या दुसऱ्या पाळन्याक... थंय कालो जाता... तेन्ना धोल वाजयतात... मागीर ह्या रानाचें थंडी पोळून पयस वयता."

तो परतो हांसलो आनी केशव म्हारों सल्लो. म्हाताऱ्याच्या कानांतलीं लस्यांच्या ल्हान ल्हान कडीं लकलक करतालीं. हो गावडो काय किरें? पूण हो उलयता तें भाशा.... झक मारलें. अशें म्हणून केशव आपलें आंग शेकोवपाक लागलो. आयज रात तर काडपाची आसा... फाल्यां हो आनी हाचें हें घर...

"तूं जेवल्लोच? शिंयाच्या दिसांनी भुकेर सांवार!" अशें म्हणत म्हाताऱ्या वाडगोभर उदक मडकेंत रकयलें.

"आतां पावतलो. मान्शी पातळ जातलो पूण पावतलो... तुका पेज चलत नं? भुकेक कितेंय चलता.... कोण म्हटलें तुजें नांव?"

"केशव"

"केशव. हां. खंयच्या गांवचो? बाकी खंयचोय आसल्यार म्हाका सारकेंच खंय वयता तर तूं?"

"हांव... हांव.... हिका.... बायलेक. सोदूंक वतां"

"आरेरे! ऽऽ बायलेक सोदूंक वचप हें निखालस वायट... मागीर तुजी बायल. आपली बायल जांव... ना जाल्यार मागीर दुसऱ्याचे बायलेक सोदी

वचपा सारखे जांव.... दोनूय कामां वायटूच! खरें सांगपाचें जाल्यार वायल ही वस्तूच वायट! फकत पैसल्यान पळोवपाची... हात लावंक गेल्यार.... अख्खी वायलांची जात तितली वायट अशेंच म्हणटलों आसलों पूण म्हणटलो कसो? तुजी म्हाजी आवय आसा तातूंत. पोट फोडून जन्माक आयिल्ल्या, जळूवरी आंगाक चिकटून जीण चोखून घेवपी भुरग्याच्या गळ्याक ती नाखूट लायना केन्नाच!... ही एक वायलमनीस मात वेगळी... पूण वायलमनीस जेन्ना तुजी वायल, मार्दी जावन तुज्या मुखार येता, तेन्ना तूं सांबाळून राव!.... आरे, हें कितें हांवें म्हजेंच पुराण चालू केलें! तुजे वायलेचें कितें तें सांग पळोवया. खंय गेल्या ती? खंय सोदतलो तूं?"

"हांवे आयकला, तीं हेच वाटेन खंयतरी एका मनशावांगडा गेल्या. तो खंय व्यापारी आसलो आनी घोड्यावयल्यान भोंवतालो. गाडवांचे फाटीर सामान घालून भोंवत भोंवत खंय तो आमच्या गांवांत आयलेलो!"

"अशें आसा तर! त्या वाणयान उखल्ली तुजे वायलेक! पूण... तूं खंय आसलो तर त्या वेळार?"

"हांव गांवांत नासतां. आठ-पंदरा दिसांनी एक फावट हांव घरा पावतां. चाकरे खातीर म्हाका पैसुल्ल्या गांवांत रावचें पडटा!"

"हॅं हॅं हॅं हॅं!" म्हातारो व्हडल्यान हांसलो आनी ताणे म्हटलें, "मजा कशी ती पळय!"

"कसली मजा? कसली आयल्या मजा हातूंत? कितें उलयता तूं?" केशवान तिडकीन विचाल्लें.

"रागार जावं नाका पुता... मजा न्हयच... पूण मजा दिसली ती म्हाका जिणेंतल्या विचित्रपणाची! पळय... चाकरी ना जाल्यार भाकरी ना... चाकरे फाटल्यान गेल्यार बायल मेळना!"

"कित्याक मेळना? आसात न्हय ह्या संसारात लाखांनी लोक जांकां हें सगळें

मळटा अशें!... हांवूच कित्याक असो अभागी? कित्याक ती गेली अशी पळून हांवें म्हण तिजेकडेन लग्न केलें, तिका पदरांत घेतली."

"हें आनीक कितें? तिचें हें पयलें लग्न न्हय तर?"

"लग्न तशें पयलेंच... पूण आदीं तिका.... तिणे पोट पाडलें ही ग गावांत सगल्यांक खबर जाल्ली. कोणूच तिचेकडेन लग्न जावपाक नासलो..."

"आनी व्हडल्या कळवळ्यान, उदार जावन तुवें तिका पदरांत घेतली न आनी आतां ती तिसऱ्याचोच हात धरून..."

"तिची जातूच तसली आसली. तें घराणेंच तसलें..."

"जात वीत कांय नारे!... जांव दादलो जांव बायल... दोगांकूय अ खाज तरणेपणांत... सामक्या कंवळेपणात ती आंगांत वळपाक लागता.. केंसाकेंसा कणकणी कूडभर पातळटा. वद्द म्हातारपणामेरेन, न्हू मरणामेर उरता - कुडीची खाज. घोवान बायलेची, बायलेन घोवाची - न्हय खरें म्ह दादल्यान बायलेची-बायलमनशेन दादल्याची भागोवक जायी खाज!..."

"तुका दिसता सगळीं फकाणां! तुका म्हजें खंय पडलां! हांव हुलपतां उज्यांत" अशें म्हणून केशवान तिडकीन म्हाताऱ्या कडेन पळयलें. म्हातारो आनी ताणे म्हटलें,

"मात्शें सोंस कांय दीस... आनी उज्याकडल्यान मात्सो फार्टाय

शेणिल्ले नदरेन म्हातारो चुलींतल्या उज्याकडेन पळयत रावलो. मार्गा ती मडकी उखलून फाटले वटेन दवल्ली अनी मालत्यांनी पेज वाडली. फा घालून दुसरे मडकेंतल्यान एक आमली काडली आनी ल्हव ल्हव नाखटांन तीन कुडके केले.

"चल! जेवन घेवयां. जेवण सादेंच आसा पूण हुनहुनीत जेवल्य लागतलें. पेज आनी आमली. पळय जमता जाल्यार तुका!"

"भुकेक कितेंय उपकारता"

केशवान म्हणपाचें म्हूण म्हटलें. "हय... म्हण्टातच. भुकेक कुंडो आनी न्हिदेक गुंडो!' 'आनी हांव एक काणी लेगीन तुका सांगतलों. हाजे आदीं हांवें तो काय वाटसरांक सांगल्या. पूण आयज तूं सामको वेगळो मनीस आयकपाक आसा. वडचे ही काणी आपलीच काय कितें अशें दिसतलें तुका!.. आयकता मूं?'

"खूब खूब वर्सां जालीं. असोच आसलो एक गांव.

गवळीवाडो ताचें नांव. पांचपन्नास घरांचो गांव

गवळी गवळणी, पोरां तारा,

त्यान चड आसलीं म्हसरां धोरां,

धोरांफाटल्यान हेडटना, हेडटां हेडटां खेळटना

खेळटां खेळटां गुथलीं मना

इटा आनी जना

इश्ट जालीं भोंवतां राना...

आयकता मरे तूं? तशें तांचें लग्गीन जाल्लें. पाळण्यात आसतनाच. ल्हानपणात! चाली प्रमाण. मागीर कितें जालें? सगळो गवळीवाडो म्हणपाक लागलो

ही हाय रामशींतेची जोडी

जलमल्या धरनं ह्यांस

एकमेकांची गोडी

जातां जातां पोरां व्हड जालीं. इटोय व्हड जालें. मागीर इटयाक येयलें न्हाण. न्हाण न्हायन इटयाचें आंग जालें गोरें गोरें पान. गोरें तेचें आंग पळोवन व्हड जालें न्हान - जाण्टें जालें याण. धिपरायेद्या भुरग्यांचें लोग्रण जालें आण!..."

"शी शी शीऽऽऽ! तूं आतां सामकोच हळशीक उलोवपाक लागलो." पेजेंतलो फातर थुंकत केशवान म्हटलें.

"हळशीक बीन काय ना! हें आसा सत... फुडें आयक

म्हसरां फाटल्यान खेळटां खेळटां

झिली झोपांनी लिपतां लिपतां

जालो इपरीत कर्म घात"

"कितें जालें?" केशवान रावूं नज जावन विचाल्लें.

"जावपाचें आसलें तेंच जालें. जान्याचो वांगडी इटो आनी जान्याची पाळण्यातली बायल इटें....

इटें इट्याक गावलें.

जान्याचें नशीब व्हांवलें."

"कितें? इट्यान अशें केलें? आनी इटें तरी अशें कशें! आपलो घोव जानो हें इट्याक खबर नासलें? जानो ताका नाका आसलो तर? इटे अशें उरफाट्या काळजाचें कशें जालें?"

"आरे, तशें ल्हानच न्हय तें!... मागीर तें रडलें, भेंकलें. ताणे जान्याचो सोपूत घेवन सांगलें - परतें अशें जांवचें ना! परतें पावल निसरचें ना."

"मागीर?"

"मागीर कितें? मागीर कांय दिसांनी जानो आनी इटें हांचे लगीन जालें. गवळीवाडो फुतफुतलो, हांसलो, किटकिटलो.. जान्या-इट्याचो संसार सुरू जालो. एक वरस... दोन वरसां... तीन वरसां, कांय वरसां गेलीं. इटें दुखेस्त, जानो चिंतेवंत, इट्याची कूस परतना. जान्याचो वंस वाडना. देव केले, देवचार केले, घाडी केले, वैज केले... मागीर एक दीस पांचवीचार पाल्य फुटली इट्याचे जिणेक!"

"जान्या इट्याक भुरगें जालें तर!" केशवान हुतुतेपणान विचाल्लें.

"जान्याक? जान्याक.... न्हय. पूण इट्याक. खरें सांगपाचें म्हटल्यार

इटें आनी इटो हांकां पूत जालो."

"कितें? परतें इटें जान्याकडेन फटींगपण करता?"

"तें खंय करता? तें सगळें जाता... घडत वयता"

"मागीर?"

"मागीर एक-दोन वर्सां गेलीं.... आनी मागीर एक दीस..."

"कितें जालें?"

"इटें नाशेंच जालें... तुजी बायल पळून गेल्या अशें व्हडल तुवें सांगलेलें न्हय?"

"तें पाड पडूं. काणी सांग"

"काणीच सांगतां. खूब कडेन सोदल्या उपरांत इट्याचो सोद लागलो. तें एका शिपाया वांगडा पळून गेल्लें. शिपायाच्या वयल्या शेकीन एकदीस इट्याक पळयलें आनी शिपायाक रोखडोच ताणे तापोवन काडलो.

- ही वस्त तुवें खंयच्यान हाडली? आजून कशी तुवें ती घरांत दवल्ली? म्हाका पावती करपाचो कायदो तूं विसल्लो?

- ना धनया. कालूच हाडल्या ती हांवें. तुमचे खातीरूच. पूण काल रात जाली ताका लागून ती तुमकां पावोवपाक जमलें ना!

- पुरो पुरो तुजें! चल सर गो भायर.

अशेंतरेन शिपायाच्या वयल्या अधिकाऱ्यान इट्याक उबाल्लें. तो सोंपमेरेन... सुमार चारेक वर्सां इटें तागेर गवलें. ताका गवचेंच पडलें. तो आसलोच तसो. बैलान धेंक घाल्चो तसो. तो तापोन उलोवपाक लागतरीन वऱ्या बऱ्यांक कांपरें भरतालें आनी भुरग्यां चळाचळा मुतनालीं.

फुडें तो मेलो आनी इटें उबंत पडलें. थंयच्यान मागीर तें भोंवडेक भायर सरचें तशें भायर सल्लें... अखखें रान सोदपाक लागलें... सोसो दिसलो मार

झपय. कोंवो झळकलो, घाल पाखाट्यांक हात... अख्खो संसार हेडलें तें. हो गांव, तो गांव... तो गांव हो गांव..... हांगा एक रात, थंय एक रात, थंय एक रात, हांगा एक रात"

"पुरो ऽऽ पुरो! थांवय तुजी काणी! पोटांत धवळून येयलें म्हाज्या"

अशें म्हणून केशव वेगींवेगीन उठलो आनी दोन पावलां कुशीक वचचे आदींच खऱ्यांनींच पोट उमथें जायसर ओंकलो. परतो परतो ओंकलो... जीव कासावीस जावन तो वण्टीक तेंकून बसलो.

"हें घे उदक... पितरीत जिवाक बरें दिसतलें. मागीर हें पाळ धर दाडेक... मागीर जाय जाल्यार आनीक पेज जेव" म्हातान्यान सांगलें.

"नाका! नाका! आनीक पेज मात नाका!"

"जाय जाल्यार जेव. मालतीभर आसा."

"तूं जेवूंकच ना तर? तूं जेव ती पेज... म्हाका नाका. तुजी ती काणी आयकून म्हजें काळीज पिळवटून गेलें. आतां तेंच तोंडांतल्यान ओकून उडोवंक मेळ्ळयार बरें जातलें आसलें!" आपलें कपल धरीत केशवान म्हटलें.

"तुका फुडली काणी आयकुपाची ना तर? बरें आसा... कांय काणयांक अखेर नासता. आनी एका अर्थान खंयचेंच काणयेक अखेर नासता. खंयचीच काणी सोंपयल्या त्या जाग्यार सोंपना... ती फुडें चालूच आसता... आमकां जाय तितली आमी आयकतात... फुडली सोडून दितात... आतां हीच काणी पळय..."

"नाका ऽऽ नाका! नांव काडूं नाका तुजे काणयेचें" अशें केशवान आकांताचे तिडकीन म्हटलें आनी तें आयकून जाणटेलो दोळयांतल्यान दुकां येयसर हांसलो.

"तूं मनीस काय..."

केशवान म्हटलें,

"हांसता कित्याक तूं? हांसपा सारकें आसा कितें हे काणयेंत?"

"ना कित्याक? हांसपा सारखें आसा खूब. फुडें आयकशी जाल्यार तुका लक्षांत हांसूक येयत... बरें आसूं... हांव माल्यो फाटल्लेवटेन वचून येतां... ही पेज तिका दिवन येतां. तूं हांगाच राव. फाटल्ले वटेन येवं नाका. तिची नकली जाग्यार ना सारकी. दादल्यांच्या आंगार धांवून येता ती केन्ना केन्ना.... तुका सांबाळपाची जापसालकी म्हाजी आसा..."

" ती ? ती कोण?"

केशवान अजापान विचाल्लें. जाणटल्यान तो वाडगो उखल्लो आनी थिपरांच्या हाडांचो आवाज करीत तो उठो रावलो. मागीर सवकास फाटल्लेवटेन गेलो तेन्ना तो एक सावळे सारको दिसतालो. त्या हयन्हयशा उजवाडांत! आतां केशवाक उगडास जालो. तो तिळसना ह्या घरांत आयिल्लो त्या वेळार कोणतरी फातरांचो आवाज करीत गेल्लो. केशवाचें काळीज धडधडपाक लागलें आनी तो जाणटेलो मनीसच काय... असो विचित्र दुबाव मनांत येवन तो कासावीस जालो.

म्हातारो आयलो आनी ताणे जमनीर बसकण मारली. इल्ल्याशा श्रमांनी लेगीत ताका खरस लागताली ह्या दिसांनी.

"तर ती काणी तुका फुडें आयकपाची नशीबांतच बरयल्लां तुज्या!"

"काणी वचूंदी मस्णांत... ती फाटली.... ती... ती कोण?"

"तीच ती ... काणी... काणयेंतली"

"कोण काणयेंतली? कितें उलयता तूं?"

"तीच... ती... हय तीच. अख्ख्या संसारांतल्या दादल्यांक पावन करपाचो पवित्र हेत मनांत बाळगून जन्मभर न्हेंयभशेन व्हांवत रावपी ती बायल... ती हीच. आता म्हातारपणांत तिका वेगळेंच पिशें लागलां! परकी दादल्याक पळयल्यार खंय, आता तिका भिरांत दिसता! तो आपल्याक खायत म्हूण! व्हडल तुजी सुलूस लागल्या उपरांत फाटल्लेवटेन वचून लिपली ती. कितें सभाव मनशाचो!

आतां खंय तिका दादल्यांची भिरांत दिसता!"

आतां जाण्टेल्लो परथून एक फावट खूब हांसलो.

"आजुनय कळूंकना तुका? आरे पुता, तें काणयेतलें इटें. तें हेंच! हांवे तुका सांगलेलेंच आदीं, हांव हळशीकपणा सांगना. फकत सत सांगतां.

"मागीर... मागीर... तूं तो.... तो"

"हांव तो कपल फुटको जानो... आनी म्हज्या इश्टा वांगडचा, राग जांव नाकां तूंय लेगीत जानोच!"

तो आतां हांसनासल्लो. तो आतां उलयनासलो. हातांच्या हाडांची पायांच्य हाडांक पागडी मारून, तकली धिपरांत घालून तो आतां ल्हान भुरग्या सारको मुळूमु रडटालो. केशवाक अजाप जालें. येद्या व्हडल्या इद्धान म्हाल म्हाताऱ्याचो, अंजा वाल्काभशेन रडपी ल्हान भुरगो केन्ना जालो?.... त्या जाण्टेल्याची केशवाक पयलेच फावट काकूट दिसली. आनी ताचे विशीं लागणूक लेगीत पयलेच फाव दिसली. आपलेंच फुडलें रूप आपणाक पळोवंक मेळचें तशें केशवाक दिसलें.

"तूं आतां तें सगलें विसर आनी मात्सो न्हीद पळोवया!"

केशवान सुचयलें. मागीर खांदावयले वस्त्र आंगार ओडून आनी हाताव लागलो. तो फातर तकलेपोंदा घेवन केशव लवंडलो आनी न्हिदेची वाट पळोवपाव लागलो. मळवांत नक्षत्रां आपलेंच तंद्रेत लिकलिकतालीं. केशवाक दिसलें, खंयचीं नक्षत्रां कोणाक खबर, तांचो उजवाड हांगा येवन पावता. आमकां दिसता तीं आमच्याच खातीर लिकलिकतात.! कोणाक पडलां कोणाचें! जणएकलो आपले भिरकेंत, आपल्याच तालार! जण एकलो आपल्याच तालार चलत आसता!

केशवाक न्हीद लागली आनी अचळय नक्षत्रांतल्यान देंवून येवन ती ताज्य लागीं बसली. ती आयली आनी तिच्या आंगाभोवतणी घुम्पून रावपी तो वा आनी जिणेविशीं हावेस निर्मुपी ती हुनसाण हाणीं ताका सामको मंत्रून सोडलो तिणे लागीं आयप म्हटल्यार कितें हें ताका खूब खोलायेन कळळें आनी तिव

सासणाची आपले वेंगेत घेवपाखातीर ताणे आपली भुजां उबारून तिका आपयली "यो! अशी सामकी खेंटून यो म्हाका! खंय गेल्ली तूं अकस्मात म्हाका सोडून?"

न्हिदेंत फातराक हात आपटून केशव निन्निडलो आनी खडांयच करून जागो जालो. आनी फुड्यांत एक, केशट्यो सोडून भुतासारखी बशिल्ली म्हातारी पळोवन आपूण सपनात तर ना? अशें ताका दिसलें. पूण ते म्हातारेन केशवाक हात लायलो आनी त्या विसविशीत स्पर्शान आंग शिरशिरून तो सामको भानार आयलो.

"क - कोण तूं? पैस सर! हात लांव नाका!" म्हणत तो खडांयच करून उठून बसलो.

"पुता, भियेंव नाका! हांव कांयच करीना तुका! हांव इटें! वळखलो म्हाका? हांवे सगलें आयकलां तुमचें... व्हो... व्हो. सांगता तें सगलें फट... फट अशें न्हय सामकेंच.. पूण ...पूण तूं म्हजें आयकशी? ताजें तुवें इतलें सगलें आयकलांच. आतां म्हजें आयकुपाक नाका? म्हजो न्याय करपाक नाका?"

नाका म्हटल्यार लेगीत ती म्हातारी सांगत रावतली हें कळून आयिल्ल्यान केशवान म्हटलें,

"मात्सो पळो सारको करतां आनी धगाक बसतां. आनी हें पळय न्याय बीय करपाचो म्हाका ना हक. ना अक्कल... पूण तुजें कितें तें तूं सांगत राव..."

"हय... आपणे आपलें सांगत रावपाक जाय. कोणे आयकूं ना जाल्यार ना आयकूं!"

"पुरो पुरो ऽ... सांगपाचें तितलेंच आनी तेंय थोडे भितर सांग. बाकी सगलीं तत्वगिन्यानां हांणे सांगल्याच!"

न्हिदेंत मंद घोरपी म्हातान्याकडेन बोट दाखोवन केशवान म्हटलें.

"हय! तेंय खरेंच. जाणे ताणे आपली जीण भोगची आनी आपलो भरिल्लो खीण यतर्कीच मरून वचचें. जिणेचें सार काडून तें घोळोवन दुसऱ्यांच्या कानांत ओतपाचो हावेस तसो बरो न्हयच... आपूण मेल्यावगर सर्ग दिसना आनी

भोगलेबगर तत्वगिन्यान पचना..."

"परत तेंच. परत परत तेंच!!" तिडकीन केशवान म्हटलें.

"ना ना... आतां म्हजी काणी सांगतां"

"ती ताणें सांगल्याच. आतां फकत म्हाका एकूच कळपाचें आसा. तुकाच विचारतां.... तूं ... तूं जीणभर हांगा थंय अशी हेडत कित्यापासत भोंवली? तुका इतले सगले दादले"

"हां हां ... उलय, उलय तूं.... आडखळूं नाका असो. आतां म्हाका लजभीड कांय उरूंक ना.. आनी म्हजे असले बायलेची ती कसली भीडमुर्वत धरपाची? उलय तूं.. आरे तूं दादलो. बायलांचे चालचलणुकेर उलोवपाचो हकूच तुजो... सीता अहिल्येसावन आयज मेरेन हें चलत आयलां..."

खवदळून उलयतना ते म्हातारे कुडींत आयिल्लें वळ पळोवन केशव अजापलो. तरी आसताना ताणे ल्हवूच सोडून दिलें.

"तांचीं नांवा कित्याक? सोबनात तीं तुज्या तोंडांत. खंय त्यो पतिव्रता बायलो आनी खंय...."

"खरें आसा...."

"आसाच खरें.. आनी तिरायताचे नदरेंतल्यान पळयल्यार म्हाका अजाप दिसता... कित्याक हे सगळे दादले तुज्या भुलवण्यांक भुलताले! सगळे पिशे आसले ते बावडे..."

"हय व्हय! तुजें खरेंच आसा... कित्याक तर आतां म्हजें ते सगलें सत्व गेलां आनी उल्ल्यांत चामडी आनी हाडां. देखून तूं अशें म्हणपाक शकता! जेन्ना म्हजो सूर्य जिणेचे चट्टेवाटेर आसलो, तेन्ना म्हजे लागींलागसाराक आयिल्लो जणएक दादलो दिपकावतालो आनी दोळ्यांर हात घेवन ल्हवूच चोरून म्हजेकडेन वारीक दोळ्यांनी पळयतालो.... एकदां हांवे ताचेकडेन पळयल्यार पुरो.. मागीर म्हजें नांव हांव सांगन तें... सीता कितें... सती सावित्री कितें.. आतां तुज्या

तोंडातल्यान लाळ गळोवपाची म्हजे कुडींत तांक ना, देखून तुजीं ही सगळीं शाणेपणां... ना जाल्यार जाता तितले बेगीन म्हजे कुशींत रिगप होच तुजो सगळयांत व्हडलो हावेस आनी जिणेचें तत्वगिन्यान लेगीत तेंच, अशें दिसतलें आसलें तुका... आतां हांव एक बाशें फूल. पूण फूल आसलें तेन्ना हांव एक बऱ्यांतलें बरें फूल आसलें. पिशें आबोलें न्हय. हें जाणा जा!"

"हय व्हय? कल्पवृक्षाचेंच फूल आसलें न्हय तूं!"

"वोगी राव थंय... तुजे असल्या कितल्याशाच अर्दपंडितांक फूल न्हय, निखटया पानांच्या वासान जारमार केल्यात हांवें... तें आसूं... तुका हाणें सांगलां तें सगळेंच खरें दिसतलें, दिसपाचेंच. दोनच किल्याक! कोटीकोटींनी दादल्यांचें मत हे एके गजालीचेर सामकें जुळून येतलें... बायलांची जात तितली उणाक... न्हय? तातूंत तर तूं आनी हो एकाच व्हडयांतले! आपापल्या बायलांनी तोंडाक पानां पुशिल्ले अभागी दादले!"

"तूं म्हाका एकूच सांग. गांवभर हेवटेन तेवटेन हडून कितें मेळ्ळें तुका?..."

"हें मात खरेंच. हांव सोदतालें एक जिवो तट्टीत दादलो. जाका दादलो अशें दोळे धांपून म्हणू येता असो मनीस...

... पूण म्हाका केन्ना खरो दादलो मेळ्ळोचना. मेळ्ळे तितले सगले भिजूड... सगले बायलांपरस पाश्ट!"

"वांर वा! ह्या जगांत दादलो असा एकूय गावलो ना तर तुका..."

"ना... गावलो ना... पूण आतां दिसता, हांव सोदतालें तसलो दादलो ह्या संसारात घडये आसूंकूच शकना!..."

"आचयस्!... कसलो दादलो तर तो? मर्यादापुरशोत्तम म्हण्टात तो?"

"हय व्हय... तसो.. जसो भगवान श्रीकृश्ण..."

"बंद कर तुजें तें तोंड"..

जाणटेल्यान तडांयच करून उठून बसत म्हटलें. तो तिडकीन सामको तिरमिरून गेल्लो.

"खरें सांगू?"

तिणें जाण्टेल्याकडेन लक्ष दिसनासतना म्हटलें "इतलो सगलो तूं म्हण्टा तसो सोद म्हणूया, हेडप म्हणूया, केल्या उपरांत म्हाका कळून आयलां तें इतलेंच कीं, हांव घेतालें तसलो सोद घेवपी लोक ह्या संवसारांत भौच थोडे लोक आसतात. अशे सामके थोडे लोक आसतात, जे आपली इच्छा वांछा सांगता त्या प्रमाण जगूंक सोदतात."

"तशे तरेन मोनजात जगताच... कुत्रीं मांजरां लेगीत- थूत." जाण्टेल्यान तिडकीन म्हटलें.

"पूण तांकां आमचेभशेन मन खंय आसता? मनशाचें मन आनी मोनजातीचें मन हांची तुळा कशी जायत?"

"तुका म्हणपाचें तरी कितें आसा?" केशवान विचाल्लें.

"हांव मनीस म्हळ्यार कितें हाचो सोद घेतालें. देवाचो आदर्श मुखार दवरून चलपी तुमच्या समाजांत मनशां मात मेळटात, तीं चडशीं मनशांच न्हय अशीं! एकतर ती जनावरां आसतात ना जाल्यार आपणाक देवपण फाव जायना म्हूण खंतून खंतून जीण झरोवपी विचित्र पिशांतरां. पुरायतरेन मनशांभशेन जगपी मनशां चड करून नासताच ह्या जगांत."

"हें मात सामकें खरें सांगलें तुवें.. एकदम खरें. सत् खरें!" जाण्टेल्यान म्हटलें आनी तो नेट काडून उठलो काळखांत सांसपून ताणे कितेंतरी आपल्या कांपऱ्या हातांत धल्लें तेन्ना केशवाक विचित्रशें दिसलें. जाण्टेल्याच्या हातांत व्हडलो कोयतो आसलो. ताची धार उज्याच्या उजवाडांत जिवल्यो चाट्टा काय दिसताली.

"आतां ह्या खिणाक म्हजें मन जी गजाल सांगता, तीच आतां करतां आनी

अखखी जीण विचार करून - तुज्या कोंतान भिजूडपणान- सारल्या म्हूण जो दोश लागला. तो पुसून उडयतां" अशें म्हणून भिरकेबराबर तो तिचे लागीं गेलो. झेलपटत ताणे कोयतो दोनय हातांनी उखल्लो.

"आरे... आरे...."

केशवान बोवाळ केलो. पूण जाण्टेल्यान कांयच आयकलेंना. आसा तो सगलो नेट काडून ताणे कोयतो तिचेर मारपाचो यत्न केलो. पूण कोयतो फाटलेवटेन वर्ण्टीच्या फातराक आदळ्ळो. जाण्टेलो झेलपटलो आनी कोयत्यासयत पल्ल्यांत पडलो. धडपडून केशवान ताका उटयलो. पूण तो मेरेन तो हुलपून गेल्लो. त्या हुलपून वचपापरस ताका चड दुखतालें तें हें कीं, ताचो तिका मारपाचो यत्न फुकट गेलो.

"हें हें! मारता खंय तो म्हाका! आरे खंयचेंय काम करपाची एक वेळ आसता त्या त्या वेळार तें तें करपाक जाय! मागीर रडून फायदो कसलो!"

"हय गे सायबिणी, म्हजें हय, म्हजेंच चुकलें!" कपलार हातं घेवन तो बसलो आनी व्हदळचे भशेन ल्हान भुरग्यासारको रडपाक लागलो. ती उठली आनी तिणें सामानाचे पोटलेंतल्यान कसलें तरी तेल सोदून काडलें, तें घेवन ती ताज्या पांयांक चोळपाक लागली.

"आतां मात्शें मात्शें उजवाडपाक लागलां... हांव आतां चलतां म्हजे वटेन." अशें म्हणून केशव उठलो.

"तूं वयता म्हण्टा तर? चल बरो करून!" जाण्टेल्यान सांगलें.

"आनी म्हजें आयक. तूं आयकचो ना हें खबर आसतना लेगीत हांव सांगतां तुका... तूं आतां तिचो सोद घेयत भोवूं नाका. आतां तूं हांगच्यान परतून तुज्या घरा चल. बायलो जायत्यो मेळूंक शकतात संसारांत. आनी संसारांत बायल सोडली जाल्यार आनीक जायत्यो गजाली आसात, तांचो सोद घेवं येता."

केशव कांयच उलयलो ना. ताच्या भाजिल्ल्या आंगाक ती आतां सांसपून

सांसपून तेल लायताली. तिचो तो अचळय भोंवपी हात पळोवन केशवाक आपले आवयची याद आयली. ती जेन्ना केशवाच्या माथ्याकूय तेलाचो थेंब लावन मागीर हात भोंवडायताली तेन्ना मनान तो मुटीयेदो जीव जावन तिच्या पोटांत आसल्या भशेन आठय आंगांनी तो तिचे मायेचो स्पर्श आपले भितर खोलखोल रूजोवन घेतालो.

"हांव आतां चल्लों. परत केन्ना पांय हे वटेन हाडीत जाल्यार मेळप... ना जाल्यार... एक सांगूंक सोदतां... तूं म्हण्टालो न्हय. बायलांची जात तितली वायट - आवय सोडून... आतां म्हाका दिसता, आपली बायल लेगीत- आपली मादी लेगीत... आपली आवय जावन आसता... तुका कशें दिसता?"

आतां जाण्टेलो कांयच उलोंवक ना. फकत हांसलो आनी ताणे इट्याकडेन पळयलें. केशवान पावल फुडें घातलें आनी वाट सोदपाक लागलो. केशवाक खूप खोलायेन आता कळून आयिल्लें. वाटेर मनशां मेळटात, ना अशें ना. पूण वाटेच्या वाटसराक वांगड फकत वाटेचो.

❑ ❑ ❑

१५

रागणे

बिरो घाडी आपल्या तरनाट्या भुरग्यासयत ताकतिकेन भाऊ सरपंचाक मेळपाक चल्ला. सरपंचान आपयल्ला. बिऱ्याक खोस जाल्या. पांय झवाझव उखलतात. पुनव चार पांच दिसांर पावल्या. रात जावन कांय वेळ गेल्ला. चान्न्याचो मंद मंद उजवाड निकतोच फांकपाक लागला. एकाएका रूखाची आकृताय ल्हव ल्हव चान्न्यात थीर जावन नदरेक पडपाक लागल्या. रातींत ल्हव ल्हव थंडी बळपाक लागल्या. वारो मात लेगीत ना. मोनेपणाचो सोपूत घालचो तसो सगळो आवांठ वोग्गी आसा. एकवटेन शेतवड आनी तीन वटांनी रानरूखांनी उडून उडयल्यावरी गांव मद्दीं आसा. आतां चडश्यो सगळ्यो खोंपट्यो न्हिदल्यात. गांवकाराल्लीं दोनूय घरां आयज वोग्गी आसात. आयज झगडीं वेगीन सोंपल्यांत. हालींच दांवर आंगार पडिल्लो किरपीण रस्तो वांकडो तिकडो आंगां मोडीत वयले दोंगुल्लेकडेन वचपाक लागला, ताकतिकेन - ताकाय सरपंचाक मेळपाचें आसल्यावरी.

दोंगुल्लेर सरपंचाचें नदरेंत भरपासारकें घर उबें आसा. हालींच तें वाडलां. चारांय वटांनी आनी उंचायेन. भाऊ सरपंचान तें सारकें करून घेतलां. घर आनी गोठो. दोनांकय शिमिट आनी नळे.

थंय पावून बिरो मात्सो थांवता.. सारकें पळयता आनी मागीर फुडें सरता. सोंप्यार चारपांच जाण बसल्यात ते ल्हव ल्हव आवाजांत कितें तरी उलयतात.

'भावसायव नात घरांत?' बिरो विचारता.

'आसात... यो ... बस. कसलें काम आसा? भावसायबांक मात्शें बरें

ना. नाजाल्यार तुमी फाल्यां येयात.'

'हांव बिरो घाडी. म्हाका रकाद धाडिल्लो. म्हणोन हांव येयलां.'

मागीर सरपंचाचो 'सेक्रेटरी' भितर वयता. मात्श्या वेळान भायर येवन सांगता.

'तुमकां सगळ्यांक फाल्यां येवपाक सांगल्यात भावसायबान. आनी तुमकां दोगांक भितर आपयल्यात!' अशें म्हणून तो बिऱ्याक आनी भुरग्याक भितर व्हरता.

ही कूड व्हडली आसा. थंयचे उबेन बिऱ्याक मात्शें वरें दिसलें. भितर सरनाफुडें बिऱ्याची नदर देवाऱ्यार पडली. शिशाचो काळोकुळकुळीत कोरांथकाम केल्लो हड्डेंभर उंचायेचो देवारो. त्यामुखार हातांतले माळेचे मणी ओडीत भाऊ बसलेलो. ताच्या तोंडार नदर मारतकीच बिऱ्याक कळ्ळें- हाचें कितें तरी सामकें बिनसळ्ळां. सदांच झेत आनी नेट आपल्या नदरेंत तो बाळगून आसतालो. आयज ताची नदर...

माथ्याचो हुर्मल सोडोवन कुशीक दवरून बिरो म्हणयेर बसलो. फुडच्यांत दुसरे म्हणयेर आंशे. मेकळ्यो जाल्ल्यो जटो ताचे मानेर पातळ्ळयो.

'काय जाता तुमकां? कसलो तरास आसा?'

'तें तुवें सांगपाचें!' भाऊ म्हणटा. पूण मनांत ताका कच्च जाता. केन्ना न्हय ती आयज भाऊक त्या अवताराची - ताच्या जटांची भिरांत दिसता. आयज मेरेन आपणे ह्या असल्या लोकांची फकाणाच माल्ली. केन्नाच इस्वास दवरलो ना. असल्या घाडयांर आनी मांत्रिकांर... पूण...

बिऱ्या घाडयान आपलो सूर लायलो आनीक एकेक घडणुको भाऊच्या दोळ्यांमुखावयल्यान परत्यो एक फावट फार्टी-फुडें चित्रां कशो नाचपाक लागल्यो.



त्याय दिसा लोकांची गर्दी आसली. वांयखातीर काय आड्याखातीर सवसिडी

मेळोवन घेवपाखातीर लोक आयलेले. मायमुनांचें झगडें चालूच आसलें त्या दिसांनी. त्या दिसा आवाज मात्सो चडूच येतालो. लोकांनी कितें जालां काय विचाल्लें. तांकां भावसायबान हांसत सांगलें,

'ना ना, कांय ना! सदचेंच .... मांय सुनेचें ... समजना तुमकां? आयदनाक आयदन हें लागपाचेंच!' अशें म्हणून भावसायव हांसलो आनी हॅ हॅ करीत आयलेले लोक लेगीत गेले. ते गेल्याबराबर भावसायबाचो सरपंची हांसो नासोच जालो. ताची नुरा बदल्ली आनी तिरमिरत भितर वचून ताणें विचाल्लें.

'कितें जालां? आयज आनी नवें कितें उप्रासलें?'

'तुमींच पळयात!' ताची बायल हातांतलें आयदन आदळून दुसरे कुडींत वता. आवय आदोळेर बसून कितेंतरी शिनना. म्हातारो बापूय चुलीमुखार बसला. तो बाराय म्हयने आपलें आंग शेकयत आसता. तो खांकता आनी थंयच थुंकता. आवय म्हण्टा, 'तस्तांत थुंकात... दाबे हातीकडेन दवरलां.... अशें कितें करतात?'

'तुवेंच ताका माथ्यार बसयल्या! सेवा कर ताची सेवा! आत्तां हें दी... आत्तां तें दी... कित्याक? घरभर थुंकपाक? वखदां सारखीं घेवप ना, पथपाणी करप ना... फकत च्या पीत रावप. टिसपट्टो दोतोर... टिसपट्टो दोतोर...: तो दिता बरोबर गुळयांच्यो राशी! त्यो गुळयो काय घेवपाक तयार ना. बऱ्यो लागनात खंय! इंजेक्शनां दुखतात खंय!....

'आरे तशेंच जाता रे म्हातारपणांत! ही पिराय...

'कसली पिराय?... उलोवपाक कशें जमता? पैर त्या स्पेशल दोतोराक हाडलो. ताका हाणें कितें सांगचें? तो मेल्यार खंय हांव सुटटलों... म्हण्टा, कांय दिवं नाका. इंजेक्शन.. गुळयो... गुळयो खंय बऱ्याक पडनात.. घेवंक ना अशा गुळयांनी कत्रेल भरून दवल्लां.. आतां उसळ करून खायात त्या गुळयांची!'

'खातां रे बाबा! तीच खावपाची उल्ल्या आतां!' दोळयांक पदर लायत

रूक्माबाय म्हण्टा. हालीं तिका खिणाखिणाक दोळ्यांक पदर... व्हडल्यान रडपाक लेगीत भिरांत... रोखडोच येता आनी म्हण्टा.. वंद कर.... भायर आयकुपाक येता. लोक कितें म्हणटले? सरपंचाचें घर खंय! एकेक फावट तिका दिसतालें, वचचें भायर जेन्ना कोणूय मंत्री वी येतात तेन्ना. आनी सांगचें तांका आड्डून 'वरो वरो' करून जाका घेवन तुमी सगले लोक नाचतात, ताच्यो एकेक करण्यो कसल्यो आसात तें!...

एकदीस तिणें सांगले लेगीत काकाक- आपल्या घोवाक 'सांगता एक दीस जग लोकाक घरांत कशी चलणूक हाची तें!'

काका दुखेस्त हांसले आनी वोगी रावले.

'कित्याक हांसतात?'

'आगो पिशा! आतां जग खंय पावलां! सगळ्यांक सगळें खबर आसा. हाचेकडल्यान फायदो आसा देखून हाच्या फाटल्यान नाचतात. फाल्यां नतले आनीक कोणाचे तरी पांय चाटीत....'

आवय रडटा तें पळोवन भाऊची निडक कपलाक वता. ताका दिसता. म्हाका हिचो कळवळो येवचो देखून ही अशी रडटा अडेचें!

'आता कितें जालें रडपाक? मात लेगीत त्रास जावपाक जायना तुमका! कितले फावट सांगलें काकाक, कर तुजे कुडींत तुका जाय तें म्हणून! घरभर कित्याक हळशाक? सारकें दिसना ताका, याद उरना, पावल सारकें पडना. अशें आसतना कित्याक भोंवपाक जाय घरभर? पयर कोनशांत ताणे घाण केल्ली. केल्ली मगे? काय ही फट सांगता गे?"

'आरे पूण चुलीमुखार धगाक बसपाची तांची सवंय!'

'जाल्यार तुमचे कुडींत घालात एक पल्लो तर!'

'खंयची आमची कूड? खंयची? ती सुपाऱ्यो, नाल्ल उडोवपाची? हांव न्हिदचो ना ते कुडींत! कोणाक सांगता रे तूं हें? म्हाका? म्हज्या घरांत म्हाकाच

जाणवाय ?'

इतल्लो वेळ वोगी आशिल्लो काका पयलेंच फावट उलयलो. ताच्या आवाजांत आकांताची तिडक आसली. तो हें उलयलो मात, ताका आकांतून खोंकली आयली. आदोळेवयली वेगींवेगीन उठून रुक्मावाय ताका धरपाक धांवली.

'आतां पयलीं उठ चुलीमुखारचो आनी भायर कुडींत वच!' अशें नेटान म्हणत भाऊ फुडें आयलो आनी कुर्वेंद कांवरून शेकत बशिल्ल्या बापायक ताणें वळयां उटयलो. हातीक धरून वोडीत ताका भायर व्हरपाक लागलो.

'भा-ऊ - भाऊ ऽऽ किते हें ऽऽ' रुक्मावाय कळवळ्ळी.

'तुमी मात्शी वोगी रावात पळोवया! हांची नकली आनीक चड तापोवंक नाकात.' अशें बायलेन म्हणटकीच भाऊक आनीक मात्सो नेट आयलो आणि ताणे बापायक फोर्सान व्हरून भायले कुडींत पावयलो. भितर रुक्मावाय वण्टीक फाट तेंकोवन भितल्ले भितर रडपाक लागली. तिच्या रडपाचो आवाज लेगीत येनासलो. भितल्ल्यान धाकलो नातू धांवन आयलो आनी ताणें विचाल्लें, 'आजये.. आजये कित्याक लट्टा?' हें म्हणटना ताकाच रडपाक आयलें. त्या चार वर्सांच्या भुरग्याचें तें रडें आयकून रुक्मावायक कळवळून आयलें आनी ती ताका घट धरून व्हडल्यान रडपाक लागली.

मागीर रोकडीच सून सणसणत आयली आनी तिणें धाकल्याक वोडून घेवन पांय आपटीत ती आसली तशी भितर गेली. परती भायर येवन तिडकीन म्हणपाक लागली,

'तुमी आतां रडटात कित्याक ह्या मध्यानरातीर? कसलें रडें हें? सोबता तुमकां तें हे पिरायेर? हांणी कितें वायट केल्यां तुमचें देखून तुमी असो हटवाद मांडतात?'

'ताणें कांय करूना गे सार्वीणी म्हजे! आजून जायतें करपाचें आसा... सरपंचूच आसा... फाल्यां आमदार जावपाचो आसा - अख्ख्या गांयांचो संसार

चलोवपाचो आसा तो... व्हड कीर्त मेळोवपाचो आसा तो... आनीक एक दीस आमकां घराभायरीं करून राज्य मेळोवपाचें आसा ताका... चार चलयांफाटल्यान एकसुरो पूत न्हय तो अपुरबायेचो!'

हें सगळें भाऊन आयकलां भायरसून. तिर्रमिरत तो भितर येता आनी म्हणटा,

'कितें जालां गे तुजें? कसली अवदसा सुचल्या तुका? तुका घराभायरें जावपाचे दुवाळे लागल्यात? म्हजे वायलेवांगडा नांदपाचें ना तुका? उठ तर... धर तुजो रस्तो!'

भाऊन तिका वचकुलाक धरून उखल्ली आनी वोडींत भायर हाडली.

'तूं ... तूं सोड म्हजो हात... हांवूच वतां म्हज्या पायांनी!' अशें म्हणत रूक्मावाय भायर खळयांत गेली आनी पेळेर वसून ल्हान भुरग्या सारकी हो हो करून रडपाक लागली. तिका पळोवन दांत चावत भाऊन म्हटलें 'हें अशेंच चलपाचें आतां.... जावं दी कितें जातलें तें! तूं आता भितर चल आनी म्हज्या पानार गोटे घाल.... वेळ काडूं नाका....! त्या वरावर वायल भितर गेली आनी वेगींवेगीन घोवाक वाडलें. ताका शिरो आवडटा खूब. तिकाय आवडटालो. शिरो त्या दोगांक दिनासतना आयज आपणाक खावपाक मेळलो हाची तिका भितरल्या भितर खोशी जाली. भुरग्यांच्या हातीर मात घालपाचो उल्लो. आयज वेगीनूच न्हिदलीं तीं... जांव फाल्यां करचो.... आतां कितें? दिसपट्टो शिरो करूं येता... फाल्यां आमचे हे आमदार जातकीच तर कितें.... धंयार धुमको! ती सपनां पळयत पळयत जेवताली.

खूप वेळान आपले कुडींतल्यान भायर येवन ल्हवूच भाऊन अदमास घेतलो. दोगांय खळयांत आसलीं. म्हातारो म्हातारेक थाताळून भितर येवपाक सांगतालो. मागीर तीं दोगांय तांचे कुडींत गेलीं. मागीर भितर येवन भाऊन भितरलो अदमास घेतलो. वायल शिरो खावन सुस्त न्हिदिल्ली आनी व्हडा आवाजान दादल्यासारकी

घोरेताली. भाऊन बॅट्री घेतली. आंगार पैरच्या सत्काराक मेळिल्ली शाल उडयली आनी ल्हवूच दार लावन घेवन तो पाळण देंवलो. आता ताचें पावल उमेदीन झवाझव पडटालें.

काकाक न्हीद लागिल्ली सुस्त. रूक्मावाय मात रातभर हांथरूणार तळमळटाली. विचार करून तिची तकली फुटपाक आयिल्ली. आपल्या घोवाच्या सभावाची तिका व्हडवीक दिसली... असो आसचो सभाव... रागाच्या वेळार राग... मागीर कांय ना... आतां कशी सुस्त लागल्या न्हीद तांकां... बरें आसा तांचें. ल्हवूच उठून तिणे ताचें कामरूण सारकें केलें. दाराचो आवाज करी नासतना ती भायर खळ्यांत आयली आनी सरभोंवतणचो वाटार शीतळ चान्यांत नदरेखाल घालूं लागली. सगळें शांत शीतळ आसलें. रूखांची पानां-वालींचे कोंगरे उजव्या हातीचो सातखांडी काजींचो दोंगोर... दाव्या हातीचें दोन हजार माडयांचें रसरसलेलें कुळागर... त्या घरांत पयलें पावल दवरीत मेरेनच्यो सगल्यो यादी तिचे भोंवतणी झेंवाडो घालचो तश्यो नाचपाक लागल्यो. कितलोसोच वेळ ती खळ्यांत बसून आसली. मागीर ती सवकास उठली. आतां यादींची भुतां नाच्च जाल्लीं. आतां दोळयांमुखार सगळें स्पश्ट दिसतालें. अस्तमतेच्या चंद्राक तिणें नमस्कार केलो आनी शांत मनान ती भितर घरांत गेली.

मागीर उदक तापोवन तिणे न्हांवन घेतलें. घोवाक उठोवन नाका तोंड धुवपाक गरम उदक दिलें. तोंड धुवन जायनाफुडें नाका च्या लागतालो. वेगींवेगीन तिणें राश्नीकुडींत वचून च्याक आदण दवरलें. कंत्रेलाक कुलप पळोवन तिका एकाच वेळार तिडक आनी आपली काकळूतच आयली. घांट वायनाचो गुंडो मारून कुलप फोडचें अशें तिका दिसलें. पूण तशें करीनासतना ती काकायसावामुखार वचून उबी रावली आनी जाता तितले थंडपणान तिणें ती गजाल सांगली. क.य उलयनासतना घोवान ट्रंकाकडेन बोट दाखयलें. तिणे ट्रंक उकतो केलो. तातूंत सासर्पानकीच हानाक दोन डबे लागले.

तश्या वेळार आपल्या घोवाविशीं तिका अभिमान दिसलो. ताच्या सांगातान

अभिमानान घराची मालकीण म्हणून सारिल्ले दीस परते परते तिच्या मनांत घोळूंक लागले. तो नाका म्हण्टा आसतना ताका तिणे न्हांवपाक फोर्सार केलो. ताका न्हावपाक मदत केली. देवाची पूजा करपाक मदत केली. तिणें तुळशीची पूजा केली. गोठ्यांत वचून गायत्रेक पांयां पडली. मागीर गोंटलां काडून तिणें तांची हातावयली न्हानशी फांती घातली आनी आपल्या इल्ल्याश्या आंवाड्यात वेसबरी खोयली.

निकतेंच भिर्नाभिनतालें. आयज हारशांत पळोवन तिणें कुकूम लायलें.

'आयज कितें गो? कितें जालां तुका?' काकासायबान विचाल्लें आनी तो आपल्या भितरूच हांसलो. आयज ती ताचे आवडीचें काळें कापड न्हेशिल्ली. काळ्या आंगार धवी बारीक फुलां.

तिणें ताका वखद वोतून दिलें. तिणें दिलें देखून तें पियेवचेंच पडलें. तिका नाका कशें म्हणप? वखद दिवन ती खाटीर मात्शी लागीं बसली. तेंकून. 'रातीं न्हीद बरी लागली तुमकां न्हय?' तिणे विचाल्लें. कितली शीतळसाण आनी लागणूक त्या आवाजात. ही आसा देखून हांव जीव धरून आसा. काकासायबान मनांत म्हटलें.

रूक्मावायन ताचो हात आपल्या हातांत घेतलो तेन्ना अजापान काकासायबान तिचेकडेन पळयलें आनी म्हटलें,

'कितें गो? म्हातारचळ? आयज हें कितें चल्लां?'

रूक्मावाय कांय उलयनासतना हांसली. पूण तिच्या दोळ्यांत आसली दुकां. काकासायब अजापान तिचेकडेन पळयत रावलो.

'म्हजें आयकशात तुमी? त्या पोरांक जाय तशें करूया आमी! कित्याक तांकां त्रास दिवप... आतां कितले दीस उरल्यात आमचे? मनशां वायट नात... वायट आसा तें म्हातारपण...

'पूण तें कोणाक चुकलां गो?" काकासायबान दुखेस्त आवाजांत म्हटलें.

'खरें आसा. आतां आमी भायर खळ्यांत या... खळ्यांतल्या वांकार थंड

शीतळ वाऱ्यार म्हाका न्हीदयात.'

'रूक्मा?' हें कितें? जीवाक बरें दिसना?'

पूण कांय उलयनासतना रूक्माबाय उठली आनी भायर वचपाक लागली. काकासायब तिचो हात धरून तिका आपले भशेन सांबाळून व्हरपाक लागलो. सरभोंवतणच्या वांटागार एक फावट नदर मारून ती बांकार न्हिदली.

'तुमची... तुमची... मांडी दियात.'

काकासायबान वेगींवेगीन तिका मांडयेर घातली.

'तुमी... तुमच्या... तुमी... जिवाक...'

'रूक्मा... हय... रूक्मा हांवूच येतलों फाटोफाट...'

जिवाच्या आकांतान तिका कवळून धरीन काकासायबान म्हटलें.

खऱ्यांनीच काकासायब तिच्या फाटोफाट गेलो. दोन म्हयन्यांभितर.... दोन दीस जोर आयलो आनी तिसरे दीस रातीं न्हीदलो तो सकाळीं उठलोच ना.

रूक्माबाय भायर पडली आनी त्या दिसासावन भाऊसायबाची न्हीद गेली. सदांच रातची... केन्ना केन्ना दिसाचोय आवय दिश्टी पडटा. आवय सोप्यार बसून आपल्या गुणूगुणू आवाजांत देवाचें म्हणटा.. दोळे धांपून घेवन... कुळागरांतल्यान केळी माडयो माडांतल्यान आरपार येता....वाऱ्यार हुवल्यावरी येता. तिच्या व्हडल्या दोळ्यांत दुकां आसात मळबाकडेन हात करून ती चलयणाऱ्याक विचारता... तिचे ते दोळे मोटे मोटे जातात... लागीं लागीं येतात. सामकें तेंकून दोळ्यांमेरेन येतात...

घाडी एक व्हडली किळांचशी मारता आनी त्या आवाजान भाऊसायब परतो ह्या जगांत येता. मुखार घाडी खुदता. बायल नाका प्रस्न विचारीत आसा. घाडी सांगत आसा. मदी मदी खुदत आसा.

'रागणे... रागणे.... रागणें पडलां'

'कोणाचें?' ती

'जल्म दितले आवयचें... आवयचें'

'किल्याक पडचें! जणाएकल्लो हेंच सांगता. किल्याक तिचें रागणें पडचें म्हण्टा हांव! आमी कितें कर्मी केल्लां तांका? म्हज्यान जाता तितली शेवाच केल्या. म्हज्या जिवाक बरें नासता तरीकूय आसतना शेवाच केल्या हांवें. आनी तांणीय वी.'

'पूण आसा.. रागणे आसा.'

'आसा जाल्यार तेंका उपाय कितें? सांगात उपाय... जाता तितलो खर्च जावंदी - सांगात कितें करूंया. कितलोय खर्च जावं पूण तांची तकली जाग्यार येंवपाक जाय. हे मठयेंत शांती नंदपाक जाय... सांगात उपाय...'

'तेंका उपाय... तेंका उपाय' विरो परतो खुदपाक लागलो. भाऊसायब थंय आसून नाशिल्ल्यासारको वग्गी खाटीर पडून आसा. कुशीक बिन्याचो पूत कंटाळून कसो तरी बसला. भाऊसायब आपणाक खंयतरी चिकटयत म्हणपाची ताका आता कांयच गॅरंटी ना.



१६

औट घटकेचो भट!



वर्षीचो दीस. भयणीगेर पावलो तेन्ना दनपारची तीन वरां जाल्लीं. म्हाका वसरेंत सरताना पळोवन 'बैस रे येते' म्हणलें आनी ती भितर वचून उदक आनी गोडाचो मोटोसो खडो घेवन भायर आयली.

'नेवऱ्या दे नेवऱ्या! गूळ कशाक दितेस? जंत व्हायेत?' हांवें म्हटलें आनी भयणीनूय हांसून उत्तर दिलें.

'नेवऱ्यांनी काय असते? गूळ नसतो रे? तुझा कायच्या काही बोलायचा स्वभाव!...'

कपडे काडून हांवें हातपांय धुले. न्हांवन कपलाक पिंजर लायली आनी भयणीन मोगान वाडिल्ल्या घसघशीत पानार बसपाक आनी भायर कोणतरी आयलो.

'ये भटणी! भटणी! ये भटणी!' भायल्या मनशाक 'आयलें, आयलें' अशें सांगून भयण भायर गेली आनी कोण इतक्या ताकतिकेन आपयता तें तरी पळोवया अशें म्हणून हांव सुध्दा पानार जेवंक बसपाचें सोडून भायर आयलों.

'भटणी! कितें गे हे! चार वरां जावन गेलीं! आजून भट गणपतीक पुजेक लावंक पावना?'

'आजून पावूंक ना? त्या भुरग्याक धाडला मरे तुमच्या वाड्यार दनपारांच! आजून तुगेर पावूंक ना?'

'पावूक ना तर गे! भुरगीं बोंबाट मारता वाड वाड म्हणून आनी भटाचो पत्तोच ना! भट पावना जाल्यार चड भट हाडूंक जाय तुमी! चवथी दीस अशी

लोकांची धांदल करप म्हणजे कितें गे?' त्या आयिल्ल्या मनशाक भयंकरूच राग आयिल्ल्यासारको दिसतालो. उल्वणें आणि विडी ओडून धुंवर सोडणे ही दोनूय कामा ताका वरीं जमतालीं. ताचे पिरायेचो अंदाज करचे कठीण आसलें. वीस ते पंचावन हांचे मदीं खंयतरी आसचीं. आंगान भरपूर लांव आसलो. पूण रूंदाय इतली की तो मोटवोच दिसतालो. ताचें पोट भलतेंच सुधारक. तें इतलें फुडें आयिल्लें की ताका आनीक फुडें येवपाक बिल्कूल स्कोप नाशिल्लो...

'भटाक घेनल्या शिवाय हांगासल्ल्यान हांव उटचोंच ना' अशें म्हणून तेणें थपकलूच माल्ली.

'आनी व्हो भट आसा तो? तेका धाड मगे?'

भयर्णीन म्हजेकडेन पळयलें. भावजी आनी चवथीखातीर आपोवन हाडिल्ले एक भट अशें दोनूय भट आजून घरा येवंक नाशिल्ले. म्हाका ताच्या वांगडा वचून गणेशपूजा करून यो अशें सांगपाचें भयर्णीच्या जिवार आयिल्लें. ती म्हाका सांगचीच नासली. त्या आयिल्ल्या मनशाचीं भुरगीं उपाशी आसात. हे लक्षांत येतकीच हांवेच म्हटलें-

'हांव येता पूजा सांगपाक. चल या!'

'हें! तू काय सांगणार पूजा?' अशें म्हणून भयर्णीन म्हाका खूण केली आनी भितर गेली. हांव फाटोफाट भितर गेलों.

'तूं उपाशी आहेस! जेवायचें सोडून कुठे जातोस? तुला पुजा येते?'

पूण भयर्णीचें आयकना आयकतांच हांवें दांड्येवयलें पुडवें ओडलें आनी खिणभरांत न्हेसून हांव भायर आयलों. 'दोन नेवऱ्या तरी खाऊन जा' अशें भयर्णीन सांगलें. पूण तो मेरेन आमी दोगूय पाळण देऊन सकयल पाविल्ले.

'कितलेशें पैस आसा घर!'

'खंय गा! हें पळय दिसता! रोकडें पावतलें!'

'तुजें नांव कितें?'

'शंभूलो!'

शंभुल्याक आपलें घर हें पळय दिसता 'इतलें लागी दिसतालें. पूण थंय पावपाक पाऊण वर लागलें. थंय पावता म्हणसर चार शेतवडी, दोन मानशी, सात आखाडे आनी कितलेशेच गोंयडे आमी पार केले.

'हें पळय आयलें!' शंभूल्यान म्हटलें. आनी हांवें भियेभियेत फुडें पळयलें. पूण आतां मात घर खरेंच आयिल्लें. कारण शंभूल्याच्या वंशाचे पांच स दिवे आपापल्या परीन पाजळून आमचें स्वागत करताले.

'दादू आयलो! भट आयलो!'

'आवय दो! बोत आईलो!'

दारांत पावतकीच सगळ्यानी बोवाळ केलो. भितल्ल्यान कोणतरी चलीच चडकरून पाळण्यातल्यान ह्या बोवाळाक आपल्या जगांटीसारख्या आवाजांत रडून साथ दिताली. शंभूल्याचो हो संसार पळोवन हांव तोंड धांपूक विसल्लों. तिशी तीन काळख्यो कुडी आसल्यो आनी भुरगीं ह्या कुडींतल्यान ते कुडींत धांवतालीं. एकामेकांचो फाट धरतालीं. त्या भुरग्यांच्या काकळुतेक आनी उपासमार जांवचे म्हणून हांव पुडवें न्हेसून घटकेचो भट जालों. त्या भुरग्यांक अशी मजेंत किंचाळ्यो मारीत खेळ खेळटना पळोवन म्हाकाच खूप भूक लागली आनी जेवीनासतना आयल्लो हें लक्षात येतकीच ती चड्डच वाडली. खंयचोय भट पयलो प्रस्न विचारता तोच हांवेय विचाल्लो.

'तयारी जाल्या मरे सगली?'

'हय तर! तयारी कंप्लेट सगली! आगो वत्सलऽऽ' अशें म्हणून तो कुटूंब वत्सल शंभूलो सरळ रांदचे कुडींत गेलो!

[illegible] कुडींनी वागीकसाणीन नदर मारतकीच तांतूतल्या एके कुडींत गणपती आ[illegible] म्हज्या रोकडेंच लक्षांत आयलें. त्या कुडींतल्या काळखांत मन घट्ट करून हांवें पाव घातलो मात पूण - म्हजे समजणेपरस ती कूड चड खोल आसली म्हणून

जांवयेत वा शंभूल्याच्या कामाळ वायलेन योग्यवेळार दाटशें शेण काडिल्ल्यान जांवये पूण म्हजो पांय निसल्लो आनी इतल्यान दुसरोय पांय उखल्ल्याकारणान दोनूय पांय वरशे जावन हांव फाटीन शेगानशेग आडवो जालों. कमर धोडावलें ते खरेंच. पूण त्या भायर पडलों ही लज म्हणून हांव कांय जावंकूच ना अशा थाटान उठलो आनी कोणेच पळोवना असो विचार मनांत येता म्हणसर शंभूल्याल्या पोरान एकदम बोवाळ केलो.

'भट पडलो. दादो! भट पडलो!' आनी तें आयकून म्हजें तोंड सुध्दा पडलें! शंभूलो आयलो आनी म्हजे फाटींचे शेण बोटांनी खरवडून काडूंक लागलो. शंभुल्याची वायल दवलोच घेवन भायर आयली आनी भ ह्या अक्षराकूच भसाक करून इतली हांसली की शंभूल्यान प्रसंग वळखून फुड्यांतल्या गणपतीची पर्वा करीनासतना सटाक करून एक तारवटी गाळ मारली. गणपतीन तोंडात बोट घातलें की ना तें काळखांत दिसूंक ना. पूण हांव मात कितें करचें तें ना समजून शेणात बुडिल्लो वालोच खांदार दवल्लो! निमाणो हांवें शेणातलो किडो शेणातच उरना असो विचार केलो आनी म्हटलें-

'तूं म्हज्या फाटींचे शेण खरवडीत रावूं नाका! साडेचार वरां जायत आयलीं. चल पळोवयां सुरू करूया!'

'हय हय! करूया सुरवात! तुमी मात्सो गणपती धारयात. हांव रोखडी माटोळी बांदतां! कितें आसा भटजी... गणपती धारोवपाचें म्हाका बरें जमना.' तें शंभूल्याक जमना हें दिसतालेंच. गणपती सरळ मेजार बसून फुडें पळयनासतना तिरको घुंवोन जनेलांतल्यान भायर पळयतालो. घडकेक तेकाय उजवाडाचें म्हल्व ह्या घरांत आयिल्ल्या पासून कळूंक लागलें जांवये!

शंभूल्याच्या वायलेन शेण सकाळीं सारयल्लें. पूण ताचेर कुकडांनी जेन्ना घाण केल्ली तेन्ना परतें सारोवचें पडलें. परतीय कुकडांनी आनी जोडयेक एक दोन भुरग्यांनीय घाण केल्ली पळोवन तिणें धारायलें खंय की तिसरे फावटींचें शेण भटार नदर पडल्या उपरांतच सारयप! 'कुडींतल्या शेणात पावलां मुंगरना गे कित्याक

इतलीं?' अशें हांवे विचारल्याबरावर, तिणें म्हाका तीन शेणांचो इतिहास इतल्या भरपूर उतरांचो वापर करत सांगलो की हांवे तिची धास्तीच घेतली! चड उलोवंकूच ना. तांदूळ नाल्ल हाडले? हां दवर! खावची पानां आसा? नासल्या नांसू! अशेंच गरजेपुरतेंच सुटना म्हणून उलोवपाक लागलों. तें सुटच नासलें कारण म्हजो यजमान शंभूल्यो 'रोखडोच येतां हां भटा!' अशें म्हणून जो गुप्त जालो तो बरोच वेळ येंवकूच ना! म्हज्या पोटांत कावळे रडटाले. खंयच्यान ह्या शेणांत पडलो अशें म्हाका जाल्लें! निमाणी म्हाका शक्य आसली तितली तयारी हांवे केली आनी उरलेली 'गणपती पाव रे बावा' म्हणून ताचेर सोडची अशें थारायलें. कारण 'गंधाची कांडी हाड पळोवया' असो हुकूम हांवे शंभुल्याक सोडपाची फुरसत की तो आपल्या असिस्टंटाक - बायलेक शेजाऱ्यांगेर धाडटालो. अशें करून म्हज्या फुड्यात शंभूल्याल्या शेजाऱ्यांच्यो बऱ्योच वस्तू जमल्यो. घांटी-चिपूट पडगो.

'तूं योरे पुडवें न्हेसून?' अशें शंभुल्याक हांवे म्हटलें आनी म्हाका एकदम रडचेंच अशें दिसलें. कारण 'रोखडोच न्हावन येतां दोन तांवये' अशें म्हणून शंभूलो त्या साडेचार वरांच्या टायमार गणपती पुजपाखातीर न्हावपाक गेलो! न्हावन मात खऱ्यांनीच रोखडो आयलो! वोलेल्यानीच तो भितर आयलो आनी तेच्या आंगार काप्टी आसा हें बऱ्याच बारीक साणेन पळयतर्कीच म्हज्या लक्षांत आयलें. हांतूत काळखाचो, शाववाचो की शंभूल्याच्या रंगाचो चड दोष हें गणपतीकूच खबर! पूण हातूंतल्या प्रत्येकाकूच थोडें थोडें क्रेडीट वतालें!

'आगो तूं भितर कितें करता? म्हाका न्हेसय पयलीं!' अशें म्हणून शंभूल्यान पेटेतलें नवें पुडवें काडलें आनी बायलेचेर कांचवेलो 'आगो कान फुटल्या तुजे? म्हाका पयलीं न्हेसय!'

'हांव बाक च्या पाजयतां! भटजीक सांग न्हेसय म्हणून!' निमाणें हय ना हय ना करीत वेळ फुकट घालोवंचे परस तें कर्म एकदा करून उडयलेलें बरें अशें म्हणून मोटया यत्नान हांवें तें पुडवें शंभुल्याच्या काळया कुळकुळीत दोंदार मोटया यत्नान बांदलें! चोराक कांस लेगींत घालची पडली! कर्मभोग अशें म्हणून कपलार

हात मारून घेवन हांवें गणपतीकडेन पळयलें. गणपती सारको गणपती जावन शंभूल्याच्या पोटाक पळोवन तेणे लजेन मान सकयल घातली. सोंड लेगींत हाल्यना जाली! 'तीन फावटी पोटांत उदक घे. केशवायनमः नारायणायनमः माधवायनमः गोविंदायनमः विष्णवे...' निमाणी एकदां त्या गणपतीची शंभूकडल्यान पूजा करून घेवपाची वेळ आयली. पोटांत कावळे आनी हुंदीर बोंब मारीत आसल्या कारणान पुजा 'रोखडीच' जाली. प्राणप्रतिष्ठा - आवाहन - आसन - स्नान अर्घ्य एकाफाटल्यान एक उपचार शंभूल्याच्या हातींत हांव दियत रावलों. तोंडान मंत्र म्हणत रावलो.

'दाव्या खांदारसून घेवन उजव्यान सोड' अशें म्हणून जानवें ताच्या हातींत दिलें आणि कोणाच्या खांदावयल्यान सोड हें सांगलें नासल्याकारणान शंभूल्यान तें आपल्याच गळयात घातलें आनी आपल्या कुळकुळीत दोंदार सोडलें. हें जेन्ना म्हज्या लक्षांत आयलें तेन्ना खूपच उशीर जाल्लो! पूजा धुपाकडे पावल्ली. 'धुपाटण्यात कोळशे घालून हाड गे!' अशा शब्दांत एक किळांच रांदच्या कुडी वटेन पळयत हांवें मारली. कारण शंभूल्याच्या उपाशीं (!) भुरग्यांनी गणपतीची पुजा पळयत भावार्थान वोग्गी बसपाचें सोडून भायर खळयात इतलो हेदोस घातिल्लो की हांव कितें भटपण करतां तें म्हाकाच आयकूंक येनासलें. धुपाटणे म्हणजे नळयांतल्यान कोळशे येवपाक वेळ लागलो. भितल्ले कुडीतल्यान व्हदलच्यान कोणतरी जाणटी पिरंगताली आनी थरथरत लुडबें उलयल्यावशेन आवाज येतालो.

'भितर कोण पिरंगता?' हांवें शंभूल्याक विचाल्लें.

'आवय ती!'

'कितें जाता?'

'बरी ना!'

'केन्नाच्यान?'

'देड वरस जालें!'

'देव बरय? कितें जाता तिका?' हांवें विचाल्लें. इतल्यान नळकुंडवयल्यान रसरसते कोळशे दवरून शंभुल्याली बायल भितर गेली आनी धुपाची पुडी सोडून तयार आशिल्ल्यान शंभूल्ये उलोवचे आदींच हांवें सांगलें -

'धूप लावय! वनस्पति रसोद्भूतो ....' धुपा फाटोफाट आरत पेटयली. उजव्या हातीन आरत आनी दाव्या हातांत घांट कशी धरची हें शिकोवन शंभुल्याक परत गणपतीमुखें उबो केलो. पूण आरत ओंवाळप आनी त्याच वेळार दाव्या हातींतली घांट वाजयप हें शंभूल्याक एकदम अशक्यच काम जालें. एकतर घांटच वाजू लागली वा आरत भोंवडायताना घांट आपशीच बंद पडूंक लागली! घांट हांवें घेतली पूण नशिबांत जें कितें आसता तेंच जाता हें खरें! कारण परतीं जोडवें दाखोवपाच्या वेळार शंभुल्यान नेटान आपूण वाजयतां अशें म्हणून घांट आनी जोडवें दोनूय हातांत घेतलीं आनी ह्या प्रयत्नाक मात्शें फळ येवन दोनूय हात व्यवस्थीत हालपाक लागतां म्हणसर नव्या पुडव्यान दावो साधलो. शंभूल्याच्या घरसवशीत दोंदार आनीक वडेल गर्वूक नजो जावन तेणें शंभूल्याच्या पांयार घालून घेतलें आनी गणपतीक दिगंबर आरती दाखयता हें तेच्या मतींत येवपाक वेग्च सेकंद गेले. कारण जोडवीं ओंवाळताना घांटय आपणाक वाजोवंक आयली ह्या आनंदांत तो बुडून गेल्लो! देवाच्या विचित्र गतीक लागून जांवये पूण त्याचवेळार घांटयेचो आवाज आयकून शंभूल्याली पांच स भुरगीं एकदम गणपतीच्या कुडींत आयलीं आनी आपूण कोणाक हांसता हें लक्षांत येयसर भरपूर हांसलीं. आवाज कशिनासतना हांव तर हांसनाल्लोंच पूण कसलो वोवाळ हें पळोवपाक शंभूल्याचें अर्धांग भायर आयलें आनी 'कर्मा वाता!' अशें म्हणून पोट धरून तें लेगीत हांसूंक लागलें. आनी मंद बुध्दी आसली तरी शंभूल्याच्या लक्षांत कितें जालां हें 'रोखडेंच' आयलें आनी तेणें घांटी जोडव्या वांगडा पाटार वसकण माल्ली. शंभूल्यासारख्या आडमाप, पोटच्या मनशाक लजूंक इतलें मोवांत आयलें की तें पळोवन हांव लेगीत लजल्लों! पूजा जाली तीं खूब जाली अशें थारावन हांवें ती रोखडेंच आटापली आनी शंभूल्याक तीन फावटीं पोटांत उदक घेवपाक लावन भायर सल्लो. खरें म्हणजे इतल्या फुगल्ल्या

पोटांत आनी कितें घालप हें कर्म म्हाका सोब नासलें.



पावसांतल्यान भिजत घरा आयलो. पुडव्याक लागिल्ल्या शेणाचो शितोडो वसरेंत पडटा तें पळोवन घरातलीं सगळींजणां हांसलीं. भावोजी निकतोच आयिल्लो. तेणें विचारलें -

'कोणाच्या शंभूल्या नावाच्या गाढवाच्या घरी गेल्ल होतास?'

'होय. का?'

'तुझा काही दोष नाही! ह्येस खबर असायास हवी होती. तें घर आमी सोडलें आहे. दक्षणा धड देत नाही म्हणून. म्हणूनच तर ती पूजा उरली होती.


'असें? हां.' हांवे मनातल्या मनात कपलार हात माल्लो.

'दक्षणा किती दिलीन? चार आणे मरे?' भावजीन शंभूल्याचो उध्दार केल्लो. दक्षणेचें नांव काडटाच म्हाका चुरको बसलो. कारण हांव दक्षणा मागपाक विसरूं नासलों पूण वोवाळांत घेवपाक विसल्लेलों. शंभूलो रोखडीच हाडपा खातीर घरांत गेल्लो तो भायर येवच्यापयलीं हांव सटकल्लेलों. पूण चड चर्चा नाका म्हणून हांवें सांगलें 'घसघशीत दोन रूपया दिले!' वोल्सांतली म्हर्जीच नोट काडून हांवें दाखयल्ली. तिका कुकमाचो हात लागिल्लो. पूण तरी भावोजी दुबावान फुतफुतल्लोच!



१७

असो मोग! नवो मोग!!



मच्या आमच्यासारके नीट उव्या रस्त्यान चलपी मनीस केन्ना कोणाच्या भानगडींक वचनात. आमकां कटकटी नाका आसतात. खंय वादावादी जांव झगडें जावपाची चिन्नां दिसल्यार रोखडेंच आमी धंयच्यान कूस मारतात... तर हांव कोणाच्या भानगडींक केन्ना वचना. पूण जायते फावट अशें जाता - ह्यो भानगडीच म्हज्या घराची वाट विचारीत येतात. नाजाल्यार शेलाच्या मोग-नाट्यांत म्हाका खरें म्हणचें जाल्यार कसलोच पार्ट नासलो. पूण हांव तातूंत सांपडलो. पदरचे शेंदोनशे रूपया गेले. कामाचे चार दिस खाडे गेले आनी पदरांत कितें आयलें?

आमच्या हिच्यो कितल्योश्योच इश्टिणी आसात आनी दिसपट्ट्यो त्यो वाडत आसात. अशीच एक इश्टीण एकदीस सूटकेस वी हातींत घेवन आमगेर प्रविष्ट जाली. ती चली स्वतंत्र समाजिक नाटकांतल्या (ज्वलंत समस्येचेर आधारीत) घर सोडून वचपी हिरॉइनसारकी दिसताली.

"तर मग बाबा - माझा निर्णय ऐका - या क्षणी (शणी) मी हे घर सोडून जात आहे - टाकटीक साडी - सगळें मेकप - हातींत व्हडली चड करून VIP सूटकेस - ती खाली आसता - ताका लागून ती सार झेनान हातींत धरून हिरॉइन कितलेसोच वेळ बापायवांगडा वाचावाची करता. पूण आमगेर आयिल्ल्या हिरॉइनीन रोखडीच सूटकेस दवरली आनी भितर वचून हिच्या गळयांत घालून घेतलें. मागीर स्पेशल वारीक आवाजांत दोगांयमदें खल सुरू जालो. आतां सोंपत, आतां सोंपत अशें म्हणत पाऊणवर वाट पळोवन निमाणी हांवें निडकीन Exit घेतली.

नी चली दोन दीस रावली. तीन दीस रावली. चार दीस रावली. (रावपाक म्हजी हरकत नासली. चली दिसपाक सुंदर आसली - त्याखातीर रावपाक हरकत नासली अशें न्हय. चली सभावाची बरी आसली. भायल्या सौंदर्याचेर भुल्लसून वचपी कांय लोक आसतात. तातूंतलो हांव न्हय. आमच्या हिका मात तशें दिसना आनी ती आपल्याक सुंदर समजता.)

सातआठ दीस जाले. तरी चली वचना. एक दीस विचाल्लें हिका.

"कितें येपार तुजो?"

"कसलो?"

"ती चली"

"कोण शीला?"

"हय. कितें जालां ताचें? ताच्या घरच्यांनी वास्सून सोडल्या काय कितें ताची? इतले दीस रावप... तशी म्हजी हरकत ना... चलीं व पाक सुंदर आसा तें..."

"हें हें हें सुंदर खंय. ताच्या जिवाचो खेळ चल्ला आनी तुमकां सुचतात फकाणां."

"जालां कितें?"

"ताचें लग्न करपाक सोदतात"

"बरी गजाल."

"पूण हें तयार ना."

"कित्याक? मोग आसा?"

"अशें दिसता."

"दिसता कित्याक? आपय ताका."

हांवें डायरेक्ट पध्दतीन विशयाक हात घालो. आवांशिवा करून शीलान

[illegible] तें मन उक्लायलें. ताचो खंय मोग आशिल्लो. चलो गिरेस्ताचो - एकल्याच सायबीणीचो - गडगंज इस्टेट वी नशो - दोगांचो एक दुसऱ्याचेर उपाट मोग खंय. देवळांत वचून तांणी सोपून वी घेतिल्लो खंय.

"हें सगलें खरें किल्लावयल्यान?" हांवें शीलाक ल्हवूच विचाल्लें.

"हो घंचात पुरावो" अशें म्हणून ताणें कांय चिटी. पत्रां म्हज्यामुखार नाचयलीं. एक दोन हांवें वाचून पळयलीं. मदचे भशेनूच आसलीं. [illegible]. शुद्धलेखनाच्यो चुको मात हालीसराक खूप वाडल्यात हें म्हाका कळून आयलें.

मागीर हांव उठ्लो. सांगाताक रमेशाक घेतलो. दोगूय आमी चल्यागेर वचपाक भायर सरले. ह्या गावांत पावस नशें सोपें न्हय. [illegible] चार घरांसरेन आर्वाशिवा करून आमी पावले. धा पंदरा घरां सोडतणा येवन एक देऊळ आसलें. कांय भुरगीं कुदतालीं. कांय जण पयशे लावन [illegible] खेळयाले.

"केशवरावाचें घर खंयचें?" रमेशान एका भुरग्याक विचाल्लें.

"तें घर सामके निमाणें आसा - चिऱ्यांचें व्हडलें - [illegible] -"

"आरे अनील आसा मरे तो पळय तेका आपय [illegible] ता पळ्यात तो घरांतलो भुरगो -" दुसऱ्या भुरग्यान सांगलें.

आमी तवटेन पळयलें. एक भुरगो कानाक रेडियो लावन पिपळा मुखार बशिल्लो. गोरो धवो. रूपान उजवो. लुंगी - चुरकाचुरकांचें जाळयेचें बनियन - गळ्यांत चेन - चेनीन लॉकेट - लॉकेटार दोन काळजां - काळजांतल्यान बाण-

"ह्या घरांतलो भुरगो - रमेश? तोच न्हय मरे?" तांणी रमेशाक विचाल्लें.

"आता किते? एकल्योच आसा म्हणटाले न्हय शीला? तोच आसत्लो... दिसपाक तरी बरो गोरो धवो आसा... पळोवया..."

आमी त्या चल्याकडेन गेले आनी आल्तू फाल्तू गजाली उल्वले. तो चलो आमचेकडेन पळयनासतना एका कानान आमी किते उलयतात तें आयकतालो. काय आयकता अशें दाखयतालो कोणाक खबर! तो कॉमेंट्रतल्यान कसोच भायर येवपाक

तयार नासलो. निमाणें रमेशान मात्शें व्हड आवाजांत विचाल्लें.

"वाव अनील, तुमी तुमच्या मोलादिक वेळांतलीं कांय मिनटां आमकां दिशात? कामाक आमी आयल्यात देखून काम आमचेंच आसा अशें म्हणचें पडटा, पुण काम तुमच्याच फायद्याचें आसा - रेडियो बंद करशात?"

"सांगात" चल्यान रेडियो मात्सो बारीक केलो. पुण लक्ष रमेश सांगता थंय नासलें.

"वाव अनील, शीला नावाच्या एका चलयेचें बरें चिंतून आमी तुमकां मेळपाक आयल्यात. तिच्या बरेपणात तुमचें बरेपण आसा अशें आमका त्या चलयेकडसून कळ्ळां".

"तुमकां कितें म्हणपाचें आसा?" अनीलान रेडियो बंद केलो. तो मात्सो काचावूल जाल्लो. पुण भायल्यान नेट दाखोवंक सोदतालो.

"आमकां व्हडलेशें कांयच म्हणपाचें ना. जें कितें आमी म्हण क आयल्यात तें कर्तव्य म्हणून म्हणून वतले. कळ्ळें? कितें तें उकत्या मनान सांगात... शीला भाटकार ह्या पणजेच्या चलयेकडेन तुमचो म्हळ्यार अनील कामत हांचो मोग आसा काय कितें? की शीला भाटकार ह्या चलयेन आमकां पिशांत काडपाक हें सांगल्लं? आनी जर तुमी अनील कामत नात तर अनील कामत ह्या भुरग्यान प्रेमान थवथवून बरयिल्लीं तीं पत्रां दुसऱ्या खंयच्या तरी अनील कामतीचीं आसतलीं. ह्या गोंयांत अशे अनील कामत कितले आसतले.... तुमीच ते काय कितें हें आमकां स्पश्ट करून सांगात... आमकां चड वेळ ना."

रमेशाचें हें सगलें आयकनाफुडें अनीलाचें तोंड सामकें देंवलें... येयात.. आमी त्या कुशीच्या सोप्यार बचून बसूया.... हांगा सगलेजाण आसात....

कुशीक एक देवळी आसली. तिच्या सोप्यार बचून बसले. आमी दोगजाण एका सोप्यार - मुखावयल्या सोप्यार तो. मदीं नंदी शांत काळख्या आंगान बसून आसलो.

रमेशान परती सुरवात केली.

"आमकां चड वेळ ना. चार वरां जावन गेल्यात. परतें घरा पावपाचें आसा. शीलाचें लग्न करपाचें घरातल्यांनी थारायलां. शीला लग्नाक तयार ना. तें सांगता की तुमचो आनी ताचो मोग आसा. आनी ताणें कांय पत्रां, जी तुमी ताका बरयल्यांत - आमकां दाखयल्यांत. म्हाका सांगात ... तुमचो ताचेर मोग आसा?"

"आसा. आमी मोग करतां एकमेकांचेर"

"कितलो?"

"कितलो म्हणजे? खूप. आमी लग्न जाल्लीं."

"तुमी तसो सोपूत घेतला खंय. न्हय?"

"हय... ह्याच मुखावयल्या म्हादेवाच्या देवळांत."

"बरें केलें. आतां ही गजाल तुमगेर घरांत खबर आसा?"

"ना .... सांगपाचो प्रसंगच केन्ना येवंक ना. म्हणून सांगूक ना."

"पूण आता प्रसंग आयला. आयजूच. आमी तुमगेर वचून तुमच्या बापायक जांव जो कोण घराचो घरकार आसा ताका विचारतले. तुमी थंय हाजीर आसचें अशें आमकां दिसता."

"पूण हांव तें विचारतां... तुमी डायरेक्ट... वचून विचारप - मागीर केन्नातरी विचारतां हांव."

"मागीर विचारतले म्हणून रावपाक आमकां टायम ना. आमकां आमची कितेंयतरी वाट काडचीच पडटली. तुमकां कशें दिसता अनीलबाब? चली मनीस कितलीं वर्सां अशें रावूंक शकता...."

"खरें आसा तुमचें. पूण तुमी म्हाका तूं" तुमी कित्याक करतात? हांव तुमच्या परस कितलो ल्हान...."

"बरें आसा... तर तूं घरा वच आनी तुका जाय जाल्यार तुज्या घरच्यांक

आमी येनात ते किल्याक येनात हाची खबर दी. आतां साडेचार वरां जायत आयलीं. साडेपाचांक आमी तुसगेर पावतले. तुजो बापूय घरा आसा?"

"आसा."

"चल तर. आमी सारखे साडेपाचांक येनात."

आमी देवळांनच बसपाखातीर परते आयले. थंय आतां पयशांनी खेळप्यांपैकी कोणूच नासलो. हांवें गाडेकाराक विचाल्लें. तेन्ना ताणें सांगलें.

"तुमी सी आयडी वी आसात असो तांकां दुबाव आयलो आनी ते नाच जाले." हांव हांसलो. रमेशालो अवतार तसोच आसलो. ताचें तें आडवें आंग, काळे कुळकुळीत खाड - घोर्णीची नदर आनी ताचो फितांचो बुशकोट -

"पयशे काडपाक ही आयडीया बरी आसा" रमेशान हांसून म्हळें.

आमकां वरभर पासार करपाचें आसलें. आमी त्या गाडेकाराकडेन अनीलाची आनी ताच्या घरच्यांची खबर काडली. कांय म्हायती मेळ्ळी. अनील बरो भुरगो-आवयबापायचें आयकुपी असो. एकसुरो एक - बापायकडेन भाटवेंस गडगंज आसा. बापूय सामको कोपिष्ट आनी करारी. गावांत एक पारसय मारून आमी न्हंयच्या वटेन गेले आनी एका नळपार बसून कितें उलोवपाचें तें थारावपाक लागले.

"भुरगो बरो दिसता - ताच्या आंगात पाणी म्हण्टात तें आसा दिसता- तुवें ताका भेकणायलो देखून तो मात्सो नर्व्हस जालो" हांवें रमेशाक म्हळें.

"पूण हांव तसो उलय नासलो जाल्यार तो इतल्या वेगीन जाग्यार येना! आयज काल्च्या ह्या शिकिल्ल्या भुरग्यांक कितें दिसता देवाक खबर."

"तो कितें करीत? तो लग्नाक तयार जायत?" हांवें विचाल्लें.

"पळोवया".

आमी सारके साडेपाचांच्या टोक्याक पावले. आदीं आमकां येवकार अर्लेशियन सुण्यान दिलो. अख्खो वाडो दणदणायत ताणें आमी आयल्यात

म्हणपाची वर्दी दिली. माळयेवयल्यान एका जनेलांत अनील आनी एक चली उबी आसली. ती ताची भयण आसूंये. बाबासायबांच्या मानायान आमकां भितर घेतले आनी भायर सोप्यार बसोवन तो भितर गेलो. धा मिनटां उपरांत एक पोमेरियन सुणो भुंक भुंक करीत आयलो आनी ताच्या फाटल्यान बाबासायब धोलत धोलत आयले. सुणो सामको आमच्या मुखार उबो रावून आमकां गाळी मारतालो. हातींतलें सिगार तोंडांत धरून तांणी सुण्याक फाटीं काडलो आनी आमची विचारपूस केली. रमेशान रोखडेंच ल्हव आवाजांत तांच्या कानांत कितेंतरी सांगलें. मागीर तांचो चेरो सामको गंभीर जालो आनी तांणीं आमकां तांच्या फाटल्यान वचपाची खूण केली.

रमेशान त्या तसल्या खर्जांतल्या चोर आवाजांत तांका सगळी परिस्थिती सांगली. ते मान हालोवन हय हय म्हणटाले. खरें आसा अशा अर्थान मान हालयताले.

मागीर आमी रीतसर बैटकीर बसले. च्या पाणी आयलें. च्या पाण्याचेर उडका पावसाचेर गजाली फॉर्मालदाद करपाची म्हणून जाल्यो.

मागीर बाबासायबान सगळें सामान भितर व्हरपाक सांगलें. "करूयां सुरवात?" पयलेंच फावट बाबासायब उक्त्यापणान व्हड आवाजांत उलयले. तो आवाज धीर गंभीर खर्जाचो आनी धेंक निर्मूपी. उतरां तातूंत आडच्याच्या फातरांसारखीं व्यवस्थीत बसयल्ल्यावरी.

अनील. अनील... तांणी उलो केलो.

"वेर आसा माळयेर" भितल्ल्यान व्हडल वश्यो व्हरपी चावगडी मात्शें तोंड दाखोवन सांगून गेली.

"आपय ताका. आनी आशूकय आपय"

आमचेकडेन पळोवन तांणी म्हळें. "आशू चली म्हजी - ही भायर पडली तेन्ना दोन वर्सांचें आसलें. तेन्नाच्यान हांवूच ताची आवय... आतां तेंय जालां वीसेक वर्सांचें. ताकाय विचारूयां. ताचें मत घेवंया."

दोगांय - अनील - आशा आयल्ीं. आशा मात्शें चपापलं आनी अनीलाचें तोंड सामकेंच देंवलं.

"वयात अशीं - आयज म्हत्वाच्या विशयार उलोवपाक आनी निर्णय घेवपाक हे वाव रमेश आनी वाव रामवाव आयल्यात. अनील, तुका हे कित्याक आयल्यात हें तांणी सांगलांच न्हय?"

"हय बाबा."

"आनी तुवें आशूक कितें सांगला?"

"सगलें सांगलां"

"वरें जालें... सगलें परतें सांगपाचो तुमचो त्रास उणो जालो." अशें म्हणून रमेशाकडेन पळोवन वावासायव केद्या व्हडल्यान तरी हांसलो. म्हज्यातरी काळजांत त्या तशा हांशान खण्ण जालें - कितें काळीज आसत ह्या मनशाचें? म्हाका जाल्यार ताच्या रागीट चेऱ्याकडेन पळोवपाक कशेंनतरीच जातालें. ताच्यो मिशयो पाखांड्याभशेन ताच्या दोनूय व्हंटार छत्र धरून आसल्यो. तो हांसलो तेन्ना त्यो व्हड वाऱ्यान तण थरथरचें तशो थरथरताल्यो.

"आतां हांवें सुरवात करचेपैल्ीं तुमकां कितेंय आनी सांगपाचें आसल्यार सांगात...."

रमेशान गळो खांकल्लो.

"आमकां सांगपाचें आसलें ते आमी अनीलाक आनी तुमकां सांगलांच. हो रामवाव. शीला ताच्या वायलेची इश्टिण. हांव रामवावाचो इश्ट आनी वरें मागपी. देखून ताणें म्हका आपोवन हाडला. कितें तें उतर घेवन आमी वतले कारण चलयेकडल्या मनशांक चलयेचें लग्न करपाची निकड आसा. आमकां कितें तें स्पश्ट कळल्यार आनी तेंय वी आयजूच कळल्यार मोटे उपकार जातले तुमचे."

"आयज कित्याक तर.. आतांच. ह्याच वेळार हांव तुमकां म्हजो निर्णय सांगतां. कितें रे अनील?"

"तुमकां जाय तशें बाबा."

"म्हाका जाय तशें कितें? तुका जाय तशें जावपाक जाय. म्हाका सांग... ही कोण ती... चली... शीला. तिचेर तुजो मोग आसा?"

"हय बाबा."

"तुमी लग्न जावपाचो सोपूत घेतला?"

"हय बाबा. म्हादेवाच्या देवळांत"

"बरें आसा. तर तूं ह्या चल्येवांगडाच लग्न जातलो काय कितें?"

"हय बाबा"

"तशें नाजाल्यार?"

"तर हांव लग्नूच जावचो ना"

"पूण म्हाका हें लग्न मान्य नासल्यार? म्हाका तें घराणे, ती चली मान्य नासल्यार?"

"पूण तुमकां पसंत आसपाचो प्रश्न खंय उप्रासता बाबा?"

"शाबास... बरें आसा... तुजो निर्णय सामको फिक्स जाला तर"

"हय बाबा. हांव त्याच चलयेकडेन लग्न जातलो नाजाल्यार हांव जल्मभर असोच आंकवारूच रावतलो"

"बरें आसा.. बरें आसा... आतां म्हजो निर्णय आयक. तुजो निर्णय तुवें घेतलाच तुजें लग्न तुवें थारायलांच. त्याचपरी लग्नाउपरांतलें सगलें थारावपाक तूं समर्थ आसा अशें हांव समजतां."

"पूण बाबा...

"शट अप. मर्दी उलोवं नाका! हें लग्न तुज्या मनांत करपाचें आसा जाल्यार तें खुशाल करचें. म्हजो तुका आशिर्वाद. पूण एक लक्षांत दवर. हें लग्न करपाचो निर्णय तुवें आयज जर घेतलो, तसो तो तुवें घेतलाच अशें हांव समजतां- तर

आयच्यान तुका हे घरदार, वस्तवाण, ही इस्टेट पारखी जाली. आयज - ह्या खिणाक तुका हें घर सोडचें पडटलें. तुजें लग्न, ताचो खर्च आनी फुडली सगली जापसालदारकी अर्थात तुजीच. तुज्या मनाप्रमाण करपाक तुका हांवें स्वातंत्र्य दिलां- म्हजे आशिर्वाद आसाच तुकां - पूण तितलेंच- त्या भायर कांयच मेळचेना - आंगावयल्या वस्त्रानिशीं भायर सरचें पडटलें तुका- "

"बाबा बाबा.... "चली हुंदकेवपाक लागलें"

"आशा, तुकाय जर तुज्या भावावांगडा वचपाचें आसत जाल्यार तुज्यान वचूं येता. म्हजी तूं काळजी करूं नाका..."

तें चली सुंकसुंक करीत थंयच्यान उठून गेलें.

"म्हजो निर्णय म्हाका दिसता तुमकां कळ्ळाच सगळ्यांक" आमचेकडेन पळोवन तांणी म्हटलें.

"ताचो निर्णय तुमी ताका विचारात" अशें म्हणून ते उठले.

"बरें आसा, आमचें उलोवणें रोखठोक. तुमकां आवडलें ना जाल्यार माफी करात - केन्नाय ह्या सायडीन आयल्यार आमच्या वाड्यार येवपाचें आमंत्रण तुमकां आसाच. ना अनमनतना येवपाचें... बरें हो...."

"चला अनीलबाब... आमकां पांच पांवलांमेरेन सांगात करात" हांवें म्हटलें...ताच्या तकलेंत कितें चल्लां काय? वावासायवामुखार तो सामकोच पोर दिसलो - वंट पिळल्यार दूद येयत असो.. पाळणीतल्यान सकयल देंवून आमी रस्त्यार पावले.

"बाब अनील, आमी शीलाक कितें सांगपाचें?"

"कितें सांगू तुमकां? म्हजी तकली सामकी...."

"तुमच्या तकलेचें मागीर पळोवयां.. आदी आमकां सांगात हय काय ना - तुमचो निर्णय कळूंदी. तुमकां आमच्या हातीन जाता तितली मदत आमी करतात.."

"पूण पूण...."

"पूण पूण कितें करता? सरळ ना म्हणून सांगपाक लज दिसता"

"तशें न्हय. पूण एकदम..."

"एकदम इतली सगली इस्टेट - बंगलो सोडून दिवन मोगाखातीर त्या गरीब चलयेबांगडा कायमचें हें घर सोडून वचप भोव कठीण दिसता न्हय...."

"म्हजो पेंच जालो." इल्लेशें तोंड करून अनिलान सांगलें.

"जातलेच. कित्याक तें सांगू?"

"कित्याक?" नकळन्यानी अनीलान विचाल्लें. ताच्या तोंडार नदर घालपाक जायना इतलें तें कळाहीन दिसतालें.

"तुमचें कांयच चुकलें ना... प्रेम... पत्रां.. देऊळ विऊळ... सोपूत विपूत... सगळें सोबीत सुंदर. फकत एकूच चुकलें त्या आदीं तुमी बाबासायबांची परमिशन घेतली ना. फुडले फावटी पिरेम करतना - करतलेच न्हय तुमी- कराच - तरनाट्यांनी करपार्चीच वस्त ती... पूण बाबासायबांकडेन रीतसर अर्ज करून तांचें परमिशन घेयात..."

"रमेश... पुरो तुजें. कित्याक त्या बावड्याचो जीव खाता? चल या पळोवया...." हांवें रमेशाक हानाक धरून थंयच्यान वोडून हाडलो.

आतां हें सगळें शीलाक कशें सांगप? होच विचार करीत आमी घरा आयले.

आमी सांगच्या आदींच आमच्या तोंडांक पळोवन ती गजाल शीलाक कळ्ळी. तें भितर कुडींत गेलें आनी ताणे दार धांपून घेतलें. त्या राती आमी ताका एकलेंच रावूंक दिलें. आमी ताका जेवणाचो लेगीत फोर्स केलोना. ती रात ताणे कशी सारली आसत ताची ताकाच खबर. दुसरे दीस सकाळी आमी पळयलें तें शीला वेगळेंच आसलें. ताणे तें दुःख पचयिल्लें. तें गच्च बांदून ताणे चेऱ्याफाटीं लिपयल्लें. आज लेगीत म्हाका ताचें तें पापाणी म्हुर्त आगची तशें टणटणीत मुखामळ नदरेमुखार दिसता. दुसऱ्याच दिसा ते आमगेरसून गेलें.

ही गजाल जाली एप्रिलांत. रोखडेंच म्हयन्याभितर ताचें लग्न थळां अशी एक वदंता हिका खंयतरी गावली. हांवे म्हटलें "कितें सांगता गो तूं? शीला लग्नाक इतलेवेगीन तयार जावचेंच ना. मनीस सभावाची म्हजी जी थोडी स्टडी आसा ताचेरसून हांव सांगता की शीला लग्नाक इतल्या वेगीन तयार जावंचे ना. संवसारांतल्या सगल्या चल्यांची ताका तिडक मारतली...."

पूण म्हजी स्टडी दव्यांत गेली. माय म्हयन्यांत शीलाच्या लग्नाचें होवळीकपत्र आयलें. हांवे शीलाच्या भावाक विचाल्लें... "हें कशें जालें? शीला तयार कशें जालें रोखडें?"

"त्या तवनासान ना म्हटलें न्हय? मागीर शीलान सांगलें - म्हाका कोणूय उपकारता - फातर लेगीत.... म्हज्या दोळ्यांमुखार कांय स्थळां आसलींच. एक आमलो वळखीचो चलो- बरो आसा- टीचर आसा गावांत. त्या भायर भाटवेंस आसा. एकटुलो चलो. आवय बापायचो. शीलाक मागून व्हेलें तांणी...."

"तुमची स्टडी हांगा उणी पडली... वाड्यात मान्शी..." च्या दवरपाक आयली तेन्ना हिणे थोमणो मारलो. हांवे तें आयकूंकच नासल्याभशेन केलें. आनी स्टडी खंय कमी पडली हाचो विचार करपाक लागलो.

मजेची गजाल म्हळ्यार त्याच म्हयन्यांत शीलाच्या मोगी चल्याचें - अनीलाचेंय लग्न जालें हें समजलें. वावासायवान मुद्दाम म्हाका होवळीकपत्र धाडिल्लें. होवळीक पत्रकावयल्यानूच कळटालें कितलें दबाज्यान लग्न जावपाचें आसलें तें. अर्थातच हांव त्या लग्नाक वचूंक ना.

एक दीस वावासायवच आमच्या ऑफिसांत म्हजी विचारपूस करीत आयलो. गडगंज हांसून तांणे म्हाका हटकिलो. ऑफिसांतले कांयजाण काचावूल जाले. कांयजण उठून उबे रावले. (सांगू नज... कोणूय मिनिस्टराचो मांव वी आसत जाल्यार...) वावासायब मिनिस्टराचो मांव कसो खऱ्यांनीच दिसतालो. मोटऱ्या उमेदीन ताणे म्हाका हात बी दिलो.

"अनील आयला... यो रे अनील..." व्हडल्यान उलो करून ताणे अनीलाक आपयलो. तो आयलो. सुटाबुटांत. फाटल्यान ताची नवी व्हंकल.

"पळयता कितें? वळखलो ना? पायां पड तांच्या. तूंय पड गो." तीं दोगांय पायां पडलीं. चली नक्षत्रासारखी सुंदर आसली. अनीलाच्या चेऱ्याकडेन हांवे अर्थपूर्ण नदरेन पळयलें आनी विचाल्लें, "कसो आसा? यू आर हॅपी नो?"

"हय सर...." तो हांसलो. तो खऱ्यांनीच हॅपी आसलो... (म्हजी स्टडी आनीक एक फावट उणी पडिल्ली)

कांय दिसांनी शीला आमगेर आयिल्लें. तेन्ना हांवे ताका अनीलाच्या लग्नाची गजाल सहज म्हणून सांगली. ताका बरेंय दिसलें ना आनी वायटूय दिसलें ना. म्हाका दिसता प्रेमभंगाचें दुःख तोमेरेन विरघळून गेल्लें.

मागीर एकदां अनीलाक चली जाल्या ही गजाल आयली. तीय हांवे शीलाक एकदीस सांगली. पळोवया म्हटलें... (शीला तेन्ना गुरवार आसलें)

"वरें जालें.... तशेंच जावपाक जाय.. आनिकूय जातल्यो.. सात चलयो जातल्यो ताका..." शीलान सणसणत म्हळें.

ते फावटी शीलाकूय चलीच जाली. हांवे ताका ताणे म्हटिल्ल्याची याद दिली ना... फुडले फावटीं... ताचे फुडले फावटीय शीलाक चलयोच जाल्यो... शीलाक आता चार चलयो आसात. आतां तें आपल्याक चलो ना ह्याच विवंचनेत आसता रातदीस ...अनिलाक त्या उपरांत चलो जालो ही गजाल मात हांवे शीलाक आजून सांगूक ना... आनी ती हांव ताका सांगचोय ना.. मनीस सभावाची म्हजी जी स्टडी आसा... ती लक्षांत घेतल्यार... पूण आसूंच ते स्टडीचें...

❐ ❐ ❐

ना आयकल्ली काणी

हा तुजी काणी. ती तुकाच नदरेमुखार हाडून, तुकाच सांगतां. तूं म्हण्टलें, ही काणी तूं म्हाकाच कित्याक परती परती सांगता?... "जालें तें जावन गेलें, कोळसो कितलोय झरयलो तरी काळो तो काळोच..." हय... म्हाकाय तें कळटा. पूण.... आनीक कोणाक सांगू हांव? हे काणयेंत तिसरें पात्र नासलेंच. खरें सांगचें जाल्यार म्हजें पात्र लेगीत तशें नगण्य. हिसपांत धरपा सारकें न्हय. खरें पात्र तुजें एकूच आसलें... न्हय... न्हय. म्हाका दिसता खरें मुखेल पात्र म्हळयार सैम.... सैम... जाणे तुका घडयलां. जाणे तुज्या आंगापांगार तट्टीत जुवानपण भल्लें आनी जाणे त्या जुवान फुलाचो परमळ म्हज्या शिरंत्रांनी भरून म्हाका पिसोसो केलो.

आसा न्हय तो दीस याद? आसा न्हय तीं कवळीं किरणां याद? आनी.... आसा न्हय तो एक किरण याद जो आंब्याच्या पांचव्या पानांतल्यान वाट काडीत काडीत ल्हवूच तुज्या न्हात्या आंगार देंविल्लो?... म्हजे नदरेभशेन... आनी मागीर शत सूर्यांक लजयत अशा इंगळयांचे नदरेंतल्यान तुवें म्हजेकडेन पळयलें... आनी नदरेनूच जशे परी तूं म्हज्या तोंडार थुंकलें.. खरेंच सांगता मोगा... अख्खे पिरायेंत पयलेंच फावट हांव इतलो याण जालों.

खरें सांगचें जाल्यार हांवें अशें केल्लें तरी कितें? म्हज्या दोळयांमुखार ल्हवल्हव फुलपी एके कळयेचें फुल्प फकत हांवें रसिकतायेन पळयलां. कळयेकूच केन्ना केन्ना सांगलें हांवे. .... मात्शीं तीं पानां कुशीक कर... म्हाका तुजें रूप सारकें दिसना... हांवे केन्ना फुलाक हात लायला...? फुलां फुलतात फुलपाचो

तांचो धर्म म्हूण. वाऱ्यावयल्यान तांचो परमळ रानभर भोंवता. वाटेच्या वाटसराभशेन हांवे तो परमळ हुंगला. परमळान आंगापांगान फुलपाचो म्हजो धर्म म्हूण. .... केन्ना फूल हुंगपाखातीर हांव बागवलां? ... धा हजार फावट मनात आयलें... कुडचांफ्याचे कळये भशेन हें आंग - ल्हवूच हात लावचो काय? चांफ्याभशेन हें आंग परमळटा काय पळोवचें? ... पूण म्हजो हात केन्नाय फुडें सल्लो ना... असले विचार येनाफुडें रोकडेंच दुसरे मन सांगतालें, देवाखातीर फुलिल्लें फूल. तें ज्या देवाच्या नावान फुललां त्याच देवाक तें पावूंक जाय.

सांगतालों कितें आनी पावलों खंय.... हें अशेंच जाता. जेन्ना तुजो विशय येता. म्हजीं उतरां म्हजीं उरनात. आतां तरी तुजो विशय अशीं उतरां तोंडांत आयलीं. आदीं आदीं म्हजें सर्वस्वच तूं जावन गेल्लें. खरें सांगचें जाल्यार गझल आयकून आयकून गझलेंत आसता तसल्या समर्पित मोगांत हांव सामको घुस्पून गेल्लो. आतां मात वेसबरो हांव ल्हवल्हव जाग्यार येवपाक लागलां... झाडावयलें रसरशीत पिकाळ, वासाळ तोर खंय, आनी दोणांत फातरी... 'गुंड्यांच्या चेंपणापोंदा चिड्डून, खळांत तयार जाल्ली चेंचकी आमली खंय!... हय... आतां हांव संसाराच्या दोणांत चिड्डून चिड्डून सामको खळांतले आमले वरी जालां. दोणांतल्या आमशा खारसार्णीची सुलूस तुका म्हज्या उतरांतल्यान लागूंक ना?

ही आमलेची तुळा, तुका मात्शी विचित्र दिसतली. पूण मोगा, ताका आतां उपाय ना. हांव खऱ्यांनीच आमलेभशेन खारसावन गेलां. तुका हें खरें दिसचेंच ना... म्हज्या दोळ्यांतलें खारे उदक लेगीत तुका केन्ना खरें दिसलें ना. ही तर मोगा निखटीं उतरां.

तर, काणयेंतली क्लायमेक्साची ती घडणूक. त्या शियाळ्या दिसांतल्या एका दिसाची सुरवात अशी जाली. घरांतलीं हेर मनशां सकाळीफुडें भायर खंयतरी गेलीं. घरांत उल्लीं आमी तिगां. व्हडलो, हांव आनी तूं... व्हडलो भायले कुडींत वचून अभ्यासाक बसलो. तूं घरांत काम करता आसतना तुजे भोंवतणी खंयतरी रावून तुका पळोवपाक म्हाका आवडटालें. तें तशें म्हाका आवडटा हेंय तुका खबर आसलें.

इतल्या वर्सां उपरांत आतां म्हाका एक कळून आयलां. घरांतलीं बारीक सारीक कामां करता आसतना, कांततना, वांटतना, शिंदतना आनी शिंवतना, शिंवतना सुयेंत सूत घालून गांठ मारतना आनी केंसांत ना जाल्यार ओंटांत सूय दवरून शिवून जाल्लें तें सारकें जाल्लं काय ना तें पळयतना जीं भावरूपां आनी मोडणां पळोवपाक मेळटात, तीं अपूर्पच... संसारांतले सगले नृत्यप्रकार एकटांय करून लेगीत असले भावविभ्रम पळोवपाक मेळचे नात. रांदचे कुडींत आपलेच तंद्रेंत काम करतना आनी आपलेच तंद्रेत गुणगुणटना जी प्रगट जाता तिकाच गृहलक्ष्मी म्हणटात काय?

हातांत अभ्यासाचें पुस्तक घेवन हांव भायल्या रूमांत कदेल घेवन बसलो. कदेल अशा जाग्यार दवल्ली जंयच्यान न्हाणयेची सुवात दिसताली. चुलीमुखार बसून तूं उजो पेटयतालें. सकयल्ले बांयचेर चार फावटी मारून तुवें न्हाणयेची हांडी भरिल्ली. 'एकलेंच न्हातलें. हांडीभर उदक कित्याक काय तापयता आसतलें?' अशें हांवें वाऱ्यार कशें म्हटलें. एका दोळ्यान म्हजेकडेन पळोवन तूं हांसलें आनी कामाशिवाय लजलें. खरें सांगू, तूं हांसल्यार लेगीत कांय जावपाचें नासलें. पूण तूं लजलें आनी थंयच... त्याच सुळसुळीत खिणाक लागून म्हजी निसरड सुरू जाली. खरें सांगचें जाल्यार सगलो गुन्यांव... जर ताका गुन्यांव म्हणपाचें जालें तर ... ते न्हाणयेकडेन वता. धड बंद ना धड उकतो ना अशा चुड्यांचे न्हाणयेकडेन.

आतां इतल्या वर्सांनी इतल्या उसरां फट कित्याक मारूं? सैमिक शिल्पान तुका जशें घडयल्लां तशें त्या विशुध्द सैमिक रूपांत तुका एक फावट तरी पळोवपाक मेळचें अशें म्हाका दिसतालेंच. तें हांव न्हयकारीना. पूण... खरें सांगता तुका... तुका तें खरें दिसचें ना तरी लेगीत... तो एक ॲक्सिडेंट घडलो. चुलींतलो उजो पेटनच आशिल्लो. पळयतां पळयतां तो कवकवलो आनी वाऱ्याक लागून तें पडुयाचें दार भूर्ऽऽऽ करून पेटलें आन उजो पालवपाक.. पेटोवपाक न्हय.... म्हाका दोन पावलां फुडें घालचीं पडलीं. पानांतल्यान अचळय वाट काडीत शेकान शेक तुज्या ओल्या आंगार पातळिल्ल्या त्या कंवळ्या किरणाचो गुन्यांव कांयच ना न्हय?

आनी तुजो? तुजो कांयच गुन्यांव ना तर? चुलीतलो उजो इतलो वाडलो.

तुकेंच तो पालोवपाचो न्हय? उज्याक वारो मेळल्यार तो पेट्टा हे कितें तुका खबर नासलें? इतलो उजो व्हडलो जालो. पट्टो लासलो तरी लेगीत तुजी तंदर भंगली ना? कसली तंदर म्हणपाची तिका? सर्गस्नान तंदर?

तुका पळोवन म्हाका याद जाली शिर्वण म्हयन्यातले फातोंडेची. हय न्हंयशे दिसना अशा वेळार हांव पत्री. फुलां काडपाक वतालो आनी भिजिल्ली ती तगरीची स्सरशीत फुलां पळयतच उरतालों. खरें सांगतां तुका म्हाका याद जाली ती त्या तगरीची.

नदरेंत तगरीचें तें रूप थिरावन घेयत. मनांतल्या मनांत सैर्माशिल्ल्याक नमस्कार केलो आनी नाकाय ओंपपाखातीर दोन फुलां खुडची म्हूण हात फुडें केलो.


तेन्ना तुजी तंदर भंगली. इंगळयांचे विखाळ नदरेन तुवें म्हजेकडेन पळयलें. नदरेनूच तूं म्हजेर थुंकलें. एका नाजूक खिणाक जल्माक आयिल्ल्या भावशिल्याक तुवें रोखटोक भगभगीत रूप दिलें. म्हज्या कपलार तुवें एक नसलोच रोखटोक छाप माल्लो आनी आपलें परीन तुवें म्हाका तुजें जिणयेंतल्यान सांसणाखातीर कुशीक केलो.

त्या उपरांत केन्ना उतर भेट ना. नदर भेट ना. पळोवन ना पळयल्याभशेन करप. आयकून ना आयकल्या भशेन करप. तुजे नदरेन म्हजें अस्तित्व खिणा भितर सोंपलें. पूण हांव मात सांसणाचो अर्सो ना आयकल्ले काणये भशेन उल्लों. आतां ही सांगल्या ती काणी तरी तुवें खंय आयकल्या?



(१९)

शाणो राम



मी रामाक वळखताच आसतले ? .... मोटवोसो, मात्शें पोट सुटल्लं, हय न्हयशें. पायांत गांवटी व्हाणो. खोमीस ना जाल्यार पँट, हांतुतलें एक कितेंतरी हळडुवें, तांवडें जांव पांचव्या कोराचें आसतलें. चार दिसांचें खाड, केंसांक बरें पचपचीत तेल आनी मुखामळार धा बारा वर्सांच्या भुरग्याच्या तोंडार दिसना तसली अजापाची, उत्सुकतायेची सया .... हय! हो रामा .... तुमी म्हण्टले आरे हो नारायण मरे!

खरें आसा. आमच्या भोंवतणी असले वयान वाडिल्ले पूण तकलेन धा - बारा वर्सांच्या भुरग्याभशेन आसल्ले अशें कांय जण पळोवपाक मेळटा. धा बारा हमालांच्या जांव मानायांच्या पंगडांत, पायलटांच्या ना जाल्यार रिक्शाकारांच्या चोम्यान. हौशी भजनी मंडळांत ना जाल्यार गांवच्या क्रिकेट क्लबांत असलो एकतरी आसताच. मागीर ताचें नांव रामा आसूं ना जाल्यार विश्राम, नारायण (म्हण्टना नाराण) शाणो, हरिचण, पिसो, लोलो, तोपयो असलें आसूं.

खंयच्याय ऑफिसांत असलो एकतरी आसताच आसता. मुदलाक नासल्यार कोणाक तरी कुशीक काडून वाकीचे बुदवंत ताका ‘ शाणो ’ ही पदवी दितात. पावला कणकणी ताका ‘ आरे शाण्या हें अशें कशें जातारे तुजें ? तकली खंय आसता ? ... ’ असलें कितेंतरी म्हणपाक लागतात. ल्हव ल्हव त्या मनशाचो शाणो ना जाल्यार गुणो तयार जाता. तानूंतलोच एक आमचो शाणो राम!

तर आतां तुमी आमच्या ऑफिसांतल्या शाण्या रामाक वळखतलेच. रामा प्यून आसा. आतां आसलो अशें म्हणचें पडटा. कित्याक तर हालींच ताणे शिर्विसेची

तीस वर्सां पुरीं करून रेफॉर्म म्हटल्यार रिटायरमेंट घेतल्या.

फाटलीं धा वर्सां हांव रामाक पळयत आयलां आनी अजाप करीत आयलां ताचे धडपडींचें आनी ताज्या साद्या सुद्या सभावाचें. असल्या मनशाक सगळे जाण कोंचायतूच आसतात. पावला कणकणी 'इनशर्ट' जाता (हें रामाचेंच उतर) कांय कांय इंग्लेज उतरां रामा आपल्या उलवण्यात मुजरत वापरता. 'आरे रामा तुवें सगलेंच चुकयलें मरे!' अशें म्हटल्यार रोखडेंच रामा म्हणटा 'वाय मिस्टेक जाली सर' मिस्टेकीक तो वायमिस्टेक म्हण्टा. ओरिजिनल म्हटल्यार रामाचे भाशेंत ओरजिनाद. स्टेट बँक म्हळ्यार शेट बँक. देना बँकेक दीना बँक. को ऑपरेटिव्ह म्हळ्यार कॉफ्रटीव... ताज्या कोंतान ती एक कोंफ्रर्चीच जात. ताज्या असल्या उतरांक लागून ताजीं फकाणां चालूच आसता. रामाचेंय उलवणें चालूच आसता. केन्ना केन्ना सामकोच राग आयल्यार रामा फकाणां मारतल्याक म्हण्टा 'यू कीट कायट! शेटाप!' मागीर सगळ्यांबरावर आपुणय हांसत म्हणटा. 'आरे, जल्म काडलो मरे शिर्विशेंत. आमकांय येतात चार उतरां!... असो आमचो शाणो राम!

व्हड मनशांच्यो जातात तशे रामाच्यो लेगीत कांय अख्यायिका फामाद जाल्यात. पिळगांवकारान. पयले दिसा ऑफिसांत जॉयन जाल्याउपरांत रामाक एर्वीसीडी आनी एक ते शंबर आंक बरोवंक लायले ती गजाल. रामाच्या नायटस्कुलाच्या रिझल्टाची गजाल. रामाच्या लग्नाची आनी ताज्यापरस उंच ताचे बायलेची गजाल, रामाक एका पाड्यान बांयत धुकल्लो ती गजाल. ऑफिसाची सायकल रामान शेणयली ती गजाल. फायलींगच्या कामान रामान घानिल्ल्या गोंदळाची गजाल, सायुमायेंक घेवन पंढरपुरा गेल्लो ती गजाल. अशो कितल्योशोच गजाली ऑफिसांत कोणूय नवो येयन जाल्यार ताका पिळगांवकार ना जाल्यार मिस्टर नायक वरो मिटमसालो लावन सांगतात आनी आपुणूय हांस हांसतात. म्हजे तर कान सामके किटल्यात त्योच त्योच गजाली परत्यो परत्यो आयकून. खरें सांगचें जाल्यार आमच्या ऑफिसांत कितलीशींच शाम्पलां आसात. पूण म्हण्टात न्हय. सुर्णे दाव्यापायांर कुट्टा.... सगलें येता फकत रामाच्या कपलार. रामाच्या जाग्यार

हांव आसल्यार.... पूण रामाक मात फकाणांचे व्हडलेशें पड्‌डूंकच ना केन्ना.

ताजी ती मोटकुलीच वड, गुटगुटीत आंगपांग, दोनय वावळयांमदी तोफेचो व्हड गुळो दवल्ल्याभशेन तकली, मर्दीच उबे रावपी रानवट केंस, चारकोस चलून वेगीन पावपाचें आसल्यावरी धेंपा मारीत हालत धोलत चलपाची रीत, सदासर्वकाळ उकतें तोंड. 'ए शाण्या, वरो भुरगो मरे तूं... मात्शें तें तोंड धांप पळोवया' अशें कोणेतरी म्हणना फुडें रामा फोर्सान वटांची जोडी एकमेकाक लायता. पूण अशें तोंड धांपिल्लो रामा म्हज्यान जाल्यार कसोच पळोवं नज. सामको वावडोसो दिसता तो तोंड धांपल्या उपरांत. कसल्लेंतरी खर दुख वटांनी घट दामून धरिल्ल्या मनशावरी!

आपल्याक खबर ना अशें तो केन्ना म्हणना. कसलीय गजाल आपल्याक खबर ना म्हटल्यार सगले जाण आपल्याक हांसतले अशें ताका दिसतालें... खूब फाटली गजाल. एक खडेगांट आतंकवादी जेलांतल्यान पळून गेल्लो ताची गजाल पेपरांत आयिल्ली. तीच गजाल दुसरे दिसा ऑफिसांत चलिल्ली. राम ल्हेगीत किर्ते किते आपल्याक खबर आसा तें सांगतालो. पिळगांवकारान ताजें आयकलें आनी आपल्या दोन व्हिर्स्तींच्या वक्लांतल्यान वयल्यान पळयत नदरेनूच रामाक आपयलो. पिळगांवकार आपयता म्हळ्यार राम आर्दीच आंग काडटालो. सोंशाभशेन जावन राम मुखार वचून उबो रावलो. "तो आतंकवादी रे, पळलो मरे तो"

'हय सर!'

'आरे, आमच्या डिपार्टमेंटान ताका लोन आनी सबशिडी दिल्या काय किर्ते रे'?"

"हय दिसता सर"

"खंय रावतालो तो रे? कालापुरा?"

"ना सर... मेर्शें रावतालो खंय."

"मात्सो रकाद दिवन येशी ताका?"

"हय सर....." अशें म्हणत सायकल घेवन नेटान पेडलां मारीत राम गेलो लेगीत. सगल्लेजण हांसहांसले. कांयजण हांसो येनासतना काडून काडून हांसले. कोणेतरी पिळगांवकाराक पिन माल्ली. कोणेतरी इल्लो पंप माल्लो आनी केन्नाच दिवपी न्हय अशा पिळगांवकारान सगळयांक च्या दिल्ली. म्हाका ती च्या कोडू लागली आनी तोंडाची सामकी रूचच गेली.

ज्या कामाक रामाचो हात लागलो, थंय कितेंतरी गोंदोळ जालोच अशें समजुपाचें. पूण तो धडपडो, कामाळ मनीस. आळस केन्नाच ना. वार्कीचे प्यून चकाटां मारपांत टायमपास करतात. चेडवांचीं फकाणां, मटक्याचे नंबर, पिक्चरांच्यो स्टायल्ली हातूंत गुल्ल आसतात. शेनवारच्या शेनवारा जावपी पार्ट्यांनी रामा केन्ना दिसपाचो ना. चुकून केन्ना गेल्यार वार्कीचे ताका ड्रिंक मिक्स करून पाजयतात. विटंबना करतात.

राम केन्ना कसलें काम कोणाक जायना म्हूण सांगना. कोणाचें घर शिंवपाचें, कोणाचें जार्दिन करपाचें, कोणाचें वदले उपरांत सामान पॅक करून धाडपाचें, कोणाक भाड्यान घर पळोवन दिवपाचें, कोणाचीं पार्सलां वशीर पावोवपाचीं आनी हाडपाचीं, कोणाचें वजें पावोवपाचे आनी कोणाल्या चलयेच्या लग्नाचो माटव घालपाचें... सदचीं नुस्तें घरा पावोवपाचीं, भुरग्यांक के. जीं. स्कूलांतल्यान हाडपाचीं, रेशन, सामान हाडपाचीं कामां ताका लागूच आसता न्हय, आतां आसतालीं म्हणपाक जाय.

अकस्मात एकदीस ताणें बेसवरें टायप केल्लें आपखोसयेचे निवृत्तीचें पत्र पिळगांवकाराच्या मेजार सकाळींफुडें दवल्लें. आनी पिळगांवकारासयत सगलें सेक्शन आनी ऑफिस लेगीत सामकें तटास जालें... रामा आनी रिटायरमेंट? व्हॉलंटरी? पिळगांवकारान नेटान ताका आपयलो,

'रामा? आसा सरे जाग्यार?' तकलेकडेन बोट दाखोवन पिळगांवकारान विचाल्लें.

'हय सर!'

'हे किते तर? पगार नाका तुका? भुरगीं वाळां कितें खातलीं? कितलीं मेळटलीं पेन्शन तुका? आतां पगार कितलो रे तुका?'

'कितेंय मेळू सर. घर आसा. गावांत इल्लें शेत आनी चार झाडां आसात... चार काजी फकां आसात. चार तोंडांचे भागतलें कशें तरी'.

'इचार केल्ला मरे सामको? फार्टी सरचो ना मरे?'

'ना सर' आनी खऱ्यांनीच तो एक दीस सेंडॉफ घेवन गेलो लेगीत... ताका दोन उतरां उलय म्हटलें तेन्ना तो रडलो. मागीर कोणेतरी म्हटलें, 'रामा आतां तूं सुटल्य पिळगांवकाराच्या तोंडातसून...' तेन्ना रामा मना पासून हांसलो.

फाटल्या पंद्रशीत पावसान अनाळ केलो आनी मादय न्हंयक हुंवार येवन कांय गावांक तडाखो बसलो. रामाचें घर व्हांवून गेलें अशी खबर पयर कोणेतरी हाडली. ती आयकून म्हज्यान रावूं नज जालें. रामाचो गांव आनी म्हजो गांव एकामेकांक लागून आसा. शेनवारा घरा वतना आदीं रामागेर गेलो. म्हाका दारांत पळोवन ताच्या तोंडार हांसो फांकलो. धांवत भितर वचून ताणें एक कदेल हाडली आनी मुखार दवरली.

"हांगा खळ्यांतूच बस सर... भितर उदक भरून सामको रेवो जाला...'

"रामा, आसलें नासलें तें सगळें गेलें मरे, व्हेलें मरे मादयेन?'

'हय सर.. तांदूळ इल्लो आनी खांडीभर भात आसलें. आयदना, कपडोलत्तो चडशें गेलें. रातच्या वगताक उदक चडलें अकस्मात...'

'आनी चली खंय तुजी?'

तिका मामागेर धाडल्या'

'धाकलो खंय? घरकान्न बरी आसा मरे?'

'हय... शेजरा गेल्या' अशें म्हणत ताणें उलो घालो...'आगो अमरूत्या,

वेगीन यो, सायब येयला' अमृतें हांडीर भुरग्याक घेवन आयलें.

'आमचो सायब... चल पैलीं च्या कर. दुदाची कर हां. गाय येयल्या. फाटल्यान पणसाच्या पाळाक बांदल्या...'

'हाजें कितें नांव रे?'

'हो आकाशानंद!'

'आकाशानंद? टी. व्ही. पळोवन नांव सुचलें काय कितें रे?'

'अशेंच सर....' अशें म्हणून रामा हांसलो.

तेन्ना तो भुरगो - आकाशानंद लेगीत वेसवरो म्हजेकडेन पळोवन हांसलो आनी लिपलो.

'हाका कांय त्रास जावना मरे?'

'ना सर... देवानूच तेका वाटायलो. हेका आनी गायेच्या पाडकाक...'

'कितेंय गरज आसल्यार सांग म्हाका...'

'थँक्यू सर'

'थँक्यू कितें म्हणटा? हक्कान, मागून घे.... परकेपण दिसता?'

'ना सर' अशें म्हणून तो हांसलो. तें पळोवन तो धाकटुलो लेगीत वेसवरें हांसलो. गायच्या ताज्या दुदाची ती च्या पितां पितां त्या धाकटुल्याच्या हांसपान हांव घुस्पून गेलो. बापायच्या फाटल्यान लिपतालो आनी ल्हवूच तोंड फुडें काडून हांसतालो. तेन्ना सट करून एक कुवाडें म्हाका सुटलें... रामा... अशेंच हांसता. ल्हान भुरग्याचें निर्मळ हांशें... केन्ना केन्ना दिसता, अशें निर्मळ हांशे जाच्या दोळ्यांत आनी ओटांत तोच खरो गिरेस्त आनी तोच खरो सुखी!

❑ ❑ ❑

गजानन जोग

हांची

हेर पुस्तकां

रूद्र
(कथा)

गोपी
(बाल नवलिका)

फुडलीं प्रकाशनां


गुलाम जालो राजा
(रूपान्तरीत बाल नवलिका)

नांदी
(एकांकी संग्रह)

‘ . . . . . कथा ह्या साहित्य प्रकाराची बरी जाण आशिल्लो आनी जबरदस्त ताकदीचीं कथा-बीजां जाच्या साहित्यांत ठळकपणान दिश्टी पडटात असो हो लेखक आसा श्री. गजानन जोग. तांच्या कथांत गांवजिणेबराबरच शारी जिणेंतल्या मनशांच्यो व्यथा, तांच्या मनातले आनी एकमेकांभितल्ले संघर्श, तांचे उत्फर्के इत्यादिंचे ठसठशीत चित्रण पळोवंक मेळटा. प्रतिमा-प्रतिकांचो फावो तसो उपेग करून मोजक्याच उतरांनी कथा-बीज फुलोवपाचें तांचे कसब पळयतगेर होय एक प्रतिभासंपन्न कथाकार आसा, हाची जाणीव जाता. तांच्या कथा विश्वात सामान्य वर्गातलीं तरेतरेची मनशां आपणाल्या खाशेल्या सभावासयत परगट जातात. ह्या मनशांचे सभाव रेखाटण श्री. जोग हांणी प्रत्ययकारी रितीन केलां. पात्रांच्या मनातले व्यवहार बारीकसाणीन आनी खोलायेन चितरावन ताणीं सभाव रेखाटणांत रंग भल्ला आनी कथानकाचो ओघ मुखार व्हेला. प्रसंग वो व्यक्ती चित्रण करतना तातूंत मिस्कील विनोदाचे रंग भरसुपाचें कसब तांचे लिखणेत आसा.”

- प्रा. हरिश्चंद्र नागवेंकार *

* आस्वादन : गोंयकार प्रकाशन, मडगांव.



Printed at : **Samrat Printers**, Banastarim, Goa. Ph. : 287755, 395220.